नानालाल (१८७७–१९४६) हांकां गुजराती काव्याच्या मळार 'उदेतो पुराय चंद्रिम' अशा अुतरांनी आरंभाकूच येवकार लाबिल्लो. आपलें जिवित ताणी आधुनिक गुजराती कवितेचे सेवेक ओंपिल्लें. साहित्य सेवेखातीर ताणी बरे जोडीची नोकरीय सोडिल्ली. तांगेले बापूय दलपतराम हेवूय अेक नांवाजते कवी आसले. बापूय आनी पुत मेळून दोगायनीय सुमार एक शेंकडोभर गुजराती कवितेची अखंडीतपणी सेवा केली.

गुजराती कवितेक छंदांच्या बंदपासांतल्यान मुक्त करपाक ताणी एके वेगळे लयबद्ध शैलीचो – दोलन शैलीचो विकास केलो. ताणी ते शैलीचें वर्णन 'छंदशास्त्राच्या २२०० वर्सांच्या पोरण्या साम्राज्यवादाआड अेका तरना-ट्यान केल्लें बंड' अशा अुतरांनी केलां. नानालाल वसंताचे दूत आसले. सोबिताय, खोस आनी अजरंबर आस हांची ताणी गुणवर्णनां गायलीं.

ह्या सुपुल्ल्या पुस्तकाचे लेखक डॉ. उमेदभाई मणियार हांची कवी नानालालांकडेन खूब लागींची वळख आसली. तेखातीर ह्या पुस्तकाक चड म्हत्व आसा. कथाकार आनी समीक्षक आशिल्ले डॉ मणियार इंग्लीश साहित्याचे खासा अभ्यासक आसात.

कव्हर : सत्यजित राय


रेखाचित्र : के. एम. शेणॉय

Nanalal ( Ko SAHITYA AKADEMI REVISED PRICE Rs. 15-00

साहित्य

# नानालाल

उमेदभाई मणियार



भारतीय
भासांचें
साहित्य घडोवपी

नानालाल

पुस्तकाचे फाटले वटेन एक शिल्पाकृती दिल्या. शिल्पांत तीन जोतिशी बुद्धभगवानाची आवय राणी महामाया हिका पडिल्ल्या सपनाचो अर्थ राजा शुद्धोधनाक सांगतात अशे दाखयलां. शिल्पाचे सकयले वटेन एक बरोवपी तें सांगप बरोवन वेता. भारतांतल्या लेखनकलेची ही अशे तरेची सगळ्यात पुर्विल्ली नोंद आसूंये.

नागार्जुनकोंडा, दुसरो शेंकडो, इसवी.

नॅशनल म्युझियम, नवी दिल्ली हांचे बरेपणान.

भारतीय भासांचे साहित्य घडोवपी

# नानालाल

बरोवपी

**उमेदभाई मणियार**

अणकारपी

**पुंडलीक नारायण नायक**

साहित्य अकादेमी

Nanalal (नानालाल) : Konkani translation by Pundalik Narayan
Naik of the English monograph by U. M
Sahitya Akademi, New Delhi ( 1987 ), P

SAHITYA AKADEMI
REVISED PRICE Rs. 15-00

© Sahitya Akademi,
First Edition : 1987

**Publisher :**
Sahitya Akademi
Rabindra Bhavan
35, Ferozeshah Road
New Delhi 110 001

**Regional Offices :**
172, M.M. G. S. Marg, Dadar (East), Bombay 400 014
29, Eldams Road, Teynampet, Madras 600 018
Block V-B, Rabindra Sarobar Stadium, Calcutta 700 029

**Printer :**
S. J. Hundre
Ravi Mudranalaya,
Kadolkar Galli, Belgaum
Phone : 23079

SAHITYA AKADEMI
REVISED PRICE Rs. 15-00

## मांडावळ

| | | पान |
|---|---|---|
| १. | बापूय-पूत | १ |
| २. | नानालालांचे काव्य | ७ |
| ३. | महाकाव्य | २९ |
| ४. | नानालालांची नाटकां | ३७ |
| ५. | प्रेमभक्ती | ५७ |
| ६. | समारोप | ६५ |
| | परिशिष्ट – १ नानालालांची ग्रंथरचना | ७९ |
| | परिशिष्ट – २ संदर्भ ग्रंथांची वळेरी | ८३ |

प्रकरण पयलें

# बापूय – पूत

कवी आपणालीं मुळावी घटां सोदतना, आपणालो पावंडो पारखितना आनी कीर्त जोडचे पयलीं थोडो काळ वा चड काळमेरेन तरातरांचे प्रयोग, परीक्षण आनी अभ्यास करीत आसतात. पुण नानालाल हांचे बाबतींत अशें घडलें ना. १९०५ वर्सा गुजराती साहित्य परिषदेचे माचयेर नावांजते कवी कांत (मणीशंकर भट्ट) हाणी काव्यांतलो अुदेतो 'पूर्ण चंद्रीम' अशा अुतरांनी तांचें अभिनंदन केल्लें. ही परिषद नामनेचे विचारवंत आनी कादंबरीकार गोवर्धनराम त्रिपाठी हांच्या येजमानपणाखाला भरिल्ली. नानालालांनी आधुनिक गुजराती काव्याच्या मळार अकस्मात उडी घाली आनी विशेक वर्सांचे पिरायेरूच ताणी काव्यांत आपणाली खाशेली सुवात थीर केली. आनी जशे जशे ते आपणाल्या अदर्चा शेंकड्याच्या लांब पल्ल्याचे काव्ययात्रेंत मुखार गेले, जैत तांचे फाटोफाट येत रावलें.

नानालाल, कवी दलपतराम हांगेलो पूत. तांगेले 'बापनी पीपर' कवितेन १८४५ वर्सा गुजराती परंपरागत काव्याक झुगारून वडयिल्लें. १८९८ वर्सा दलपतराम हांचे दीर्घ अशे काव्य जिणेचो अंत जालो. त्या काळार व्हड लौकिक आशिल्ल्या साहित्यिक 'ज्ञानसुधा' ह्या नेमाळ्यांत तांगेल्या मर्णाची वार्ता आनी पदवी मेळोवचे आदीं तांगेल्या पुतान बरयिल्ली 'वसंतोत्सव' ही कविता वांगडाच छापिल्ली.

बापायन पेटयिल्ली ज्योत पुताच्या हातांत येवप हो एक मतींत अुरसारको योगायोग. आपणाल्या फाकिवंत बापायवरीच नानालाल हांकां लांब पिराय लाबली. जिणेतलीं पन्नास वर्सां ताणी काव्यलेखन केलें. दलपतराम आनी नानालाल, बापूय–पुतान शंबर वर्सां अखंडीतपणान आधुनिक गुजराती काव्याची सेवा केली. साहित्याच्या इतिहासांत असली देख एखाददुसरी पळोवपाक मेळटा. इतलेंच न्हय तर दलपतराम आनी नानालाल हांणी काव्यांत नवे मार्ग घडयले. १८४५ वर्सा उजवाडाक आयिल्ली 'बापनी पीपर' ही दलपतराम हांगेली कविता म्हळ्यार गुजराती काव्यांतलो एका मैलाचो फातर कशी, जाल्यार १८९८ त नानालाल

हांगेली 'वसंतोत्सव' ही कविता म्हळ्यार गुजराती काव्याच्या इतिहासांतली एक युगायुगान घडपी अशी वैशिष्ट्यपूर्ण घटना आशिल्ली.

नानालाल हांचो जल्म, शुक्रार १६ मार्च १८७७ वर्सा अहमदाबादेक जालो. थंय तांचो बापूय दलपतराम १८४८ वर्सासावन येवन वधवान (आतां सुरेंद्रनगर, सौराष्ट्र) हांगा राविल्लो. एक वुदवंत स्कॉटीश सरकारी अधिकारी ए. के. फॉरबिस हाणी तांकां आमंत्रित केल्ले. फॉरबिस हांकां 'रासमाला'ची सामुग्री अेकठांय करून दिवपाच्या वावरांत आदार केले उपरांत दलपतराम हांकां गुजरात व्हर्नाकुलर सोसायटीचे सेवेंत घेतले. मुखार हीच संस्था गुजरात विद्या सभा ह्या नांवान मुखार आयली. कवी म्हण दलपतराम हांकां इतलो लौकिक मेळ्ळो कि, ल्हवुल्हवू तांगेल्या पुर्वजांचें तरवाडी (त्रिवेदी) हे आडनांव फाटीं पडून तांकां 'कवी' म्हणुनूच लोक वळखूंक लागले. मुखार तर नानालाल आनी तांगेले वंशज आपलें आडनांव कवी म्हणुनूच लावपाक लागले. नांव वा आडनांव हातूंत हेरांचे बाबतींत खास कांय नासूं पुण नानालालांचे बाबतींत तांचें नांव म्हळ्यार मुदयेर थीक कशें दशिल्लें; कारण ते नांवान आनी कामान कवी आशिल्ले.

नानालाल शाळेंत शिकताना ताणे आपल्या जाणटेल्या बापायक (नानालाल तांचो चवथो पूत; ताच्या जल्मा वेळार तांची पिराय ५७ वर्सांची आसली) आडांगीपणां करून थोडो सतावं नासलो. पुण तोच नानालाल पिरायेच्या सोळाव्या वर्सा म्हळ्यार १८९३ त मॅट्रीकची परिक्षा पास जाल्लो. अवध्या वयांत हें यश जोडपाचें श्रेव जशें नानालाल हांकां फाव जाता तेचपरी ह्या श्रेयांत तांगेलो हेरांचे तुळणेन बरो 'गुरु' काशीराम दवे हांचोय वांटो आसलो. ते बरे तरेचे आनी आपलेपणान शिकोवपी अशे अध्यापक आसले. ताणी नानालालाक फकत शिक्षणाची प्रेरणा दिली अशें न्हय तर ताचेपरस अदीक साहित्याचो आनी चड करून काव्याचो मोग ताचेठांय वाडीक लायलो. आनी आपणाल्या बापायच्या काव्याचें जिवें दायज तर तरनाटचा नानालालामुखार परजळत आसलें.

नानालालाचें कॉलेज शिक्षण मुंबय, पुणें आनी अहमदाबाद ह्या वेगवेगळ्या सुवातांनी जालें आनी १९०१ वर्सा ताणी मुंबय विश्वविद्यालयाची एम. ए. पदवी जोडली. नानालालांच्या पन्नासाव्या जल्मदिसानिमतान मुंबय विश्वविद्यालयान तांका एक खास विद्यार्थी ह्या नात्यान तांचो भौमान केलो. गौरवाक जाप दितना ताणी अभिमानभरशी म्हळें : जर मुंबय विश्वविद्यालय आसा जाल्यार नानालालूय आसा.

तांगेली प्रतिभा आनी दायज हाचेभायर जर तांकां विश्वविद्यालयाचें शिक्षण लाबूंक नासलें जाल्यार जे नानालाल घडले ते घडूंक पावचे नासले.



कॉलिजांत इतिहास, तत्वज्ञान आनी इंग्लीश साहित्याचें अध्ययन करता आसतानाच ताणी कविता रचपाक सुरवात केल्ली. पदवे आदल्या तांच्या काव्य–साधनेंतलें अमुरपिकें फळ म्हळ्यार 'वसंतोत्सव.' ताचे उपरांत फाटोफाट कविता येत रावल्यो आनी पयले कवितेन सुरु जाल्लो प्रवाह नेटान चालूच उल्लो.

एम. ए. जाले उपरांत नानालाल सादडा (गुजरात) हांगा भारतीय संस्थानिकांच्या भुरग्यांखातीर आशिल्ल्या स्कॉट कॉलिजचे प्रिन्सीपल जाले आनी दोन वर्सां उपरांत राजकोट (सौराष्ट्र) हांगच्या राजकुमार कॉलिजांत आयले. थंय ते तेरा वर्सां रावले. ह्याच काळांत ताणी सिविल कोर्टाचे जज्ज आनी राजकोट संस्थानचे पालवी दिवाण हीं पदां सांबाळ्ळीं. व्यवसाय सांबाळनय ताणी कवितालेखन चालू दवरलें आनी ताका लागून तांकां व्हड लौकीक लाबलो.

१९१८ वर्सा नानालाल अध्ययनाचें कार्य सोडून सौराष्ट्राचे शिक्षण अधिकारी जाले. महात्मा गांधीजींच्या फुडारपणाखाल तेन्ना भारताचे स्वातंत्र्य चळवळीन नवें मोड्ण घेतिल्लें. महात्मा गांधीक नानालालांनी 'गुजरातनो तपस्वी' हे कवितेंत काव्यमय आनी भावपुराय येवकार दिला.

१९२० वर्सा नानालालानी आपल्या भोवमानाचें आनी फायद्याचें अशें सरकारी काम सोडून दिलें. आनी १९२१ सावन ते अहमदाबादेक येवन रावले. फुडलीं २५ वर्सां आपल्या मर्णाच्या खिणामेरेन म्हळ्यार ९ जानेवारी १९४६ मेरेन नानालालानी आपणाक लेखनाक ओंपून घेतलें आनी कवितेक मेळपी मानधनांतल्यान ताणी आपणालें कुटूंब चलयलें.

वर्डस्वर्थ हांचें एक प्रसिद्ध विधान आसा. तें म्हळ्यार, 'कविता बरोवन हांव बुटांच्यो लेसी विकत्यो घेवंक शकन इतलेंय जोडूंक पावलोंना.' हें विधान जांकां खबर आसा तांकां कल्पना येतली, सगळ्यो संदी–सुविधा आसूनलेगीत व्यवसाय म्हण कविता लेखन स्विकारप कितली कठीण गजाल ती ! पुण नानालालांनी आपली मान सदांच ताठ दवरली. आर्थिक आडखळींमुखार ते वागवले नात. हेर व्यवसायांत अदीक आदाव मेळटा म्हण ते थंय धांवले नात. जिणेच्या निमाण्या खिणामेरेन ते काव्यरचना करीत रावले. आपणे खासा निर्माण केल्ल्या आपणाल्या कवितेच्या पेशांत थीर रावले. गुजरातय इतलो कांजुट्टो नासलो. तांच्या पन्नासाव्या आनी साठाव्या वर्सानिमतीं भांगराउत्सव आनी हिऱ्याउत्सव मनोवन लोकांनी तांचो भोवमान केलो.

नानालालांनी एकदां पुताची व्याख्या करताना म्हणिल्लें, 'तोच पूत खरो जो बापायन आरंभ केल्लें कार्य पुराय करता.' ते खासा आपणांक मोट्या अभि–

मानान 'फुलिल्लो दलपतराम' अशें म्हणून घेतालें. एका अर्थान हें खरें. कारण तांच्या बापायन सुरवात केल्लो गुजराती कवितेच्या आधुनिककरणाचो वावर तांच्या पुताच्या काव्याक लागून एका उंचेल्या थराचेर पावलो. मात बाकीचे बाबतींत बापूय – पूत म्हळ्यार दोन ध्रुव आशिल्ले. दलपतरामाची कविता वैश्वीक वातावरणाची आनी धर्तरेकडेन नातें सांगपी. जाल्यार दुसरेवटेनची नानालालाची कविता कालीदासाचे 'शाकुंतल' काव्यरचनेंत वर्णिल्लेप्रमाण 'मळबांत उड्णां मारपी आनी चुकून धर्तरेक स्पर्श करपी' अशी. दलपतराम (१८२०–१८९८) हांचे संवसार दोन. पुर्विल्लो आनी आर्विल्लो. आनी ह्या दोनूय संवसारांक ते सांकव करी जोडून आशिल्ले. कांय प्रमाणांत ते गुजराती काव्यपरंपरा चलयताले जाल्यार कांय प्रमाणांत ते काव्यांतल्या नव्या प्रवाहाचे मुखेली आशिल्ले. दलपतरामाक एकेकडेन 'कवि सम्राट' म्हण पाचारला जाल्यार दुसरेवटेन 'गरबीभट्ट' म्हळ्यार सादारण कवी अशें म्हळां. ते एकाच वेळार मध्ययुगी आनी आधुनिकूय आसले. संस्कृत, व्रज आनी मध्ययुगी गुजराती काव्यपरंपरा आनी छंद–शास्त्राची पाथावळ हाचेर तांचो पिंड पोशिल्लो. ते खर धार्मिक वातावरणांत वाडिल्ले आनी देशी शिक्षण पद्धतीचे ते पुरस्कर्तें आसले. इंग्लीश भास, साहित्य आनी शिक्षण हांचें गिन्यान तांका नाशिल्लेंच म्हळ्यार जाता. तरी लेगीत तांचेठांय आशिल्ली अजापभरीत आर्विल्ली नदर आनी नव्यो प्रवृत्ती तांकां नवी पिळगी आनी विकास हांचेकडेन नातें जोडपाक समर्थ थल्ल्यात. तांचेपरस अदीक गतीमान आशिल्ले तांच्या काळावयले कवी आनी तांचे प्रतिस्पर्धी नर्मद हांणी मेकळेपणीं मानून घेतलां कि दलपतराम एकोणीसाव्या शेंकड्यांतलो गुजराती कवींमदलो पोरण्यांतलो सगळ्यांत निमणो आनी नव्यांतलो सगळ्यांत पयलो कवी. दलपतरामाक नव्या जाणिवांची कल्पना आसली, नर्मदाक आसली तितली तरी आसलीच आसली. आनी नर्मदासारकी त्या जाणिवांकडेन ताणी केन्ना फाट केली ना. हाचें खरेंपण तांगेल्या सामाजिक, आर्थिक, राजनितिक आनी शिक्षणिक प्रश्नावयल्या कवितावरवीं सहजतायेन नदरेक पडटा. ताणी आपणाल्या काव्यांत विधवांचीं लग्नां, उद्येगाचें 'आक्रमण,' प्रजेठांय राजाचें कर्तव्य, देशप्रेम, विवेकी धर्मदृष्टी आनी बायलांचे शिक्षण असल्या प्रश्नांक हात घाल्लो. एक गजाल खरी– दलपतराम हांगेल्या काव्यांत उतरांचो सोस, युक्ती आनी वितंडवाद ह्या गजालींची भरताड आसा अशें म्हणटात. तांकां जें कितें सांगपाचें आसलें तें ताणी काव्यांतल्यान सांगलें, हाचें म्हत्वाचें कारण म्हळ्यार ते मुस्तींत काव्य वा छंद हेंच साहित्यिक अभिव्यक्तीचें रुळिल्लें अशें एकमेव माध्यम आसलें.

पन्नास वर्सांपरस अदीक काळ दलपतरामाची काव्यसाधना चालू उल्ली आनी कांय आडवाद सोडले जाल्यार तांगेल्या काव्यान आयकुप्यांची आनी



वाचप्यांची केन्ना निराशा केली ना. सामाजिक आनी नैतिक उद्देशान भरिल्ले तांगेले कवितेचो सूर उपदेश करप्याचो आसलो. काणयो, दंतकथा, कल्पीत नितिकथा, सुभाषितांसारके विनोदी चुटके हांचो वापर करून ते लोकांच्या काळजांत रिगताले. नवे सामाजिक वा वैश्वीक तरेचे विशय मांडटाना ते पोरण्यो काव्यपद्धती आपणायताले. मुंबयचे दर्जी, मुंबयचे पारशी, तशेंच हेर नांवाजल्यो व्यक्ती आनी संस्था हांचेर रचिल्ल्यो तांच्यो 'गरबी' पळयल्यार अशें दिसता कि, तांच्या काव्याचो साज पोरणो. मात विशय नवे आसात. मिस मेरी कारपेन्टर (ते खातीर तिणे तांचे खास उपकार आठयल्यात.) सत्येन्द्रनाथ टागोर, लंडनांतलें इंपीरियल इन्स्टीटयूट हांचेर रचिल्ल्यो तांच्यो 'गरबी' खूब प्रसिद्ध आसात. तांची नवे शैलींतली कविता म्हळ्यार 'बापनी पीपर,' ती ताणी १८४५ वर्सा बरयली. गुजराती काव्यांतली ती एक अपूप अशी रचना. ग्रीष्माचेर रचिल्ले अेके दीर्घ कवितेचो तो भाग; तातूंत पिपळाच्या रुखाक म्हत्व दिलां. मुखार ताणी फायर ब्रिगेड, विदेशयात्रा, भिकूण, हुंदीर, तंबाखू, चामाराचो फातर, तरूण मूस, मस्तो रेडो आनी सगळ्यांत म्हत्वाची अशी कदेलीक लेखून ह्यो रचना केल्यो.

ताणी एरिस्टोफेनीज हांच्या एका सुखान्त नाटकाचें रुपांतर केलें, इंग्रजी काव्याचे धाटणेचें पयलें शोकगीत रचलें आनी भुरग्यांखातीर हलक्यो फुलक्यो खुब्य रचना केल्यो. तातूंतलो विनोद आनी सहजतायेन घडयिल्ली व्यवहाराची वळख हाका तुळा ना.

## समन्वयाचो काळ

भारतांत जेन्ना समाज प्रबोधनाचें पयलें ल्हार उसळ्ळें, सादारण त्याच काळार म्हळ्यार १८५२ च्या अदमासाक गुजराती कवितेन आधुनिक युगांत पावल घाल्लें. भारतीय प्रबोधनाच्या त्या सुरवेच्या काळांत, पाश्चात्य वस्तुविशीं ओड आनी केन्ना केन्ना ताचें अनुकरण करपाची वृत्ती दिसताली. मात उपरांतच्या काळांत उदेंत आनी अस्तंतेकडलें पोरण्यांतलें आनी नव्यांतलें जें बरें आसा तें आपणावन ताचो मेळ घालपाचो प्रबुद्ध असो यत्न जालो. खरें म्हळ्यार त्या काळार उदेंत आनी अस्तेंत हांचो मेळ जमपाची निखालस शक्यताय ना अशें म्हणपी निराशावादी विचार खरतरेन घोळटाले. पुण तरी आसतना हो मेळ जुळ्ळो. आर्विल्ल्या भारताचो आनी त्या काळांतल्या साहित्याचो इतिहास नदरेखाला घातल्यार हे गजालीचें खरेंपण पटटा. गुजरातेंत अशे तरेचें मेळावण एकुणिसाव्या शेंकड्यांच्या मदेकात सावन वेगवेगळ्या मळार घडूंक लागिल्लें. सांस्कृतीक समन्वय वा नव्या– पोरण्याचें संमेलन फकत साहित्यांत आनी काव्यांतूच घडटालें अशें न्हय तर सामाजीक, शिक्षणीक तशेंच सांस्कृतीक जीवनांतूय तें सुरू

जाल्लें. खरें म्हळ्यार ही प्रक्रिया दलपतराम, नर्मद, नरसिंहराव दिवटिया, कांत आनी कलापी आदि गुजराती कविनी नानालालाच्या आदींच सुरू केल्ली. गोवर्धनराम त्रिपाठी हाणी आपणाल्या गद्यलेखनावरवीं, खास करून आपल्या 'सरस्वतीचंद्र' ह्या महाग्रंथांत सांस्कृतीक अेकचाराचें आनी विचार आपणावपाचें कार्य विशाल नदरेन आनी प्रभावी पद्धतीन केल्लें आनी अुपरान्त नानालालांनी काव्याच्या मळार हेंच प्रक्रियेचें समर्थपणान म्हालगडेपण चलयलें.

आयर्झेक्स हाणी 'अॅन अॅसेसमेंट ऑफ ट्वेन्टीएथ सेंचरी लिटरेचर' ह्या ग्रंथांत (पान २९) अशें म्हळां कि, 'खंयचेंय युग त्या काळाचे संवकळीचे घोशणेवयल्यान वळखतात.' एकुणिसाव्या शेंकड्याच्या दुसऱ्या वाटच्यांत आनी विसाव्या शेंकड्याचे सुरवेक गुजराती काव्यांत रुळिल्ली आनी चालंत अशी घोशणा आशिल्ली, ती म्हळ्यार– 'समन्वय.' निखटी घोशणाच न्हय तर ताचे–परस कितेंतरी अदीक. आनी ह्या समन्वयाच्या युगांत उदेंत आनी अस्तेंत हाचेमदलें जें जें बरें, जावं पोरणें, जावं नवें, जिवितांत आनी साहित्यांत रुजोवन बळावपाचो हावेस वाडीक लागिल्लो. हो यत्न वैदीक प्रार्थनेची याद करून दितालो : 'आ नो भद्रा ऋतवो यंतु विश्वत:' सगट संवसारांतल्या सगळ्या दिकांतल्यान येवपी सद्‌विचारांचो लाभ आमकां घडूं ! आनी ह्याच विचाराक महात्मा गांधीनी पुश्टी जोडिल्ली: 'हांव म्हज्या घरांत चारीवटयां संवसारांतल्या सगळ्या देशांतलें वारें पुराय मेकळेपणी घोळोवंक सोदतां पुण खंयच्याच वाऱ्याच्या झोतान हांव हुबून वचूंक सोदिना.'

नानालालांचे आदले आनी ताचे बरोबरचे साहित्यिक हांणी आपणाले बरपावळींत मोटे जतनायेन समन्वयाची चेतना जागोवपाचो बरोच यत्न केल्लो. खासा नानालालांच्या रचनांनी खूबशें पोरणें आसा आनी बरेंचशें नवें. मोलादीक भारतीय संस्कृतीच्या दायजाचो अेक भाग आशिल्ल्या अजरंवर नैतिक मूल्यांच्या आदारान ताणी नवें आपणायलें. तागेलें नवेंपण, तागेली भाशाशैली, अभिव्यक्ती आनी प्रगटण हातूंतल्यान नदरेक येता. तागेलें मन म्हळ्यार एक अुकतें जनेल. ताणें पोरणें कुशीक सारलें तें पोरण्याच्या तिरस्कारान न्हय आनी नवें आपणायलें तें नव्याच्या सोसान न्हय. नवें–पोरणें, अुदेंती–अस्तेंती हांचो ताणी खोलायेन आनी विवेकी नदरेन विचार केल्लो आनी ताचेफाटल्यान समन्वयाचे भावनेचो पुरस्कार आसलो. गुजरातांत नानालाल आपल्या जिवीतकाळांत सामाजिक आनी सांस्कृतिक मळार हे समन्वयी भावनेचे म्होंवाळ आनी संगीतमय भाष्यकार म्हूण वावुरले. तांगेलीं गितां, कविता आनी नाटकां ताची गवाय जावन आसात.

प्रकरण दुसरें

# नानालालांचें काव्य

नानालालांनी खूब बरयलां. सुमार १०० पुस्तकांचे ते बरोवपी. गद्य, पद्य आनी लयबद्ध 'डोलन' शैलींत साहित्याचे विंगड विंगड प्रकार ताणी आपणायल्यात. कविता, गीतां, भावकविता आनी 'रास' गीतां हांचीं कितलिशींच संकलनां; 'वसंतोत्सव' आनी 'द्वारिका प्रलय' सारक्यो दीर्घ रचना; 'कुरुक्षेत्र' नांवाचें बारा खंडांचें महाकाव्य; 'इंदुकुमार,' 'जया–जयंत,' 'जहांगीर–नुरजहाँ,' 'शहेंशाह अकबर' आनी 'विश्वगीता' सारकीं डझनावयर नाटकां; 'उषा' आनी 'सारथी' सारक्यो नवलकथा; 'पखंडी' सारक्यो काणयो; 'उद्‌बोधन' आनी 'संसार मंथन' सारक्या भोशीक भाशणांचे आठ ग्रंथ; 'कवीश्वर दलपतराम' हें आपल्या बापायचें चरित्र चार खंडांत; 'शाकुंतल,' 'मेघदूत,' 'भगवद्‌गीता' सारक्या संस्कृत रचनांचे अणकार; आनी शेवटाक पन्नास वर्सांचे आपले काव्यजीणेचें सार्थक करपी अपूर्ण खंडकाव्य 'हरिसंहिता,' जशी बापायन आपल्या जिविताचे निमाणेकडेन 'हरिलीलामृत'ची रचना केल्ली. असो हो सगलो नानालालांच्या रचनांचो आटाप.

## वसंतोत्सव

'वसंतोत्सव' हे रचनेन नानालालांनी आपणालो साहित्यिक वावर सुरू केलो ही गजाल अर्थपुराय आनी सूचक म्हणपाक जाय. ते काव्यरचनेंत अुतरांतल्यान आनी प्रतिकांतल्यान वसंतांतलो उल्हास भरून रकता. कवी कांत हांचें 'वसंतविजय' आनी टेनीसनचें 'एनोक आर्डेन' ह्या काव्याचे धर्तीचेर रचना करपाची मुळांत तांची कल्पना आसली; 'पुण तांच्या काव्यांतली निरशेवणी आनी दुखेस्त वातावरण तांच्या काळजाक भिडूंक शकलेंना देखून ताणी आपलेच खाशेले शैलीन तें काव्य रचलें. ताणी मेकळेपणी सांगलें, जीवनांतले खोशयेचीं आनी आनंदाचीं गायनां करपाक हांव आयलां. सरभोंवतणी दु:ख आनी शोक हांचो तर रेवाडो आसाच. ताणी म्हळां–' नव्यो आशा जागोवप, नवें जीवन फुलोवप आनी मनीसजातीक उंचेल्या आदर्शांची आनी नवे नदरेची

देख दिवप हेंच कवीचें कार्य जावन आसा.' देखुनूच ताणी जीवनांतलें दुःख दाखोवपी रडक्यो आनी सुतकी रचना करपाचें न्हयकारलें.

पुर्विल्ले मुस्तींतल्या संस्कृत आनी गुजराती कवींनी वसंत ह्या विशयाचेर जायतीं काव्यां रचल्यांत. तातूंत वसंतांतलो उल्हास, सोबीतकाय हांचें चितारप जालां तेचवरी विरहान पिडिल्ल्या मोगिकांच्या दुःखाचें आनी खूब काळा उपरांत जाल्ले भेटीच्या आनंदाचें चित्रणूय आयलां. पोरण्या गुजराती कवींनी त्या काळचे 'फागु' आनी 'बारमासी' हे काव्यप्रकार केळयले. त्या प्रकारांतली आविष्काराची पद्धत मात व्यक्तीगत नासली. ती खंडकाव्याची आनी प्रासंगिक. पुण नानालालांनी वसंताची जीं गुण–वर्णनां केलीं तातूंत वयल्या गजालींचो एक प्रतिकाचो अर्थ नदरेंत भरतालो. आनी तो अर्थ म्हळ्यार एकुणिसाव्या शेंकड्याच्या मदल्या सुमाराक भारतांत सगळ्याक उजंबळून आयिल्लो नवजागृतायेचो आविष्कार.

'ओड टु द् वेस्ट विन्ड' ह्या काव्यांत शेले हाणी वसंताचें वर्णन केलां. तातूंत वसंताक 'सपनाळे धर्तरेचेर वाजपी तुतारी; म्होवाळ कळयांक हवेंत अमृत पिव–पाक व्हरपी, मळांक आनी दोंगरांक विगड विगड रंगरुपांनी सजोवपी' अशे तरेन वर्णिला. नानालालांनी वसंतोत्सवाचे प्रस्तावनेंत सादारण अशाच अुतरांनी वसंताचें वर्णन केलां. नानालाल बरयतात : शियाळ्यांत आखुडलेल्या सैमाक नवें जिवीत दिवपी वसंत म्हळ्यार नवे जागृतायेचें प्रतिकूच. ते मुखार म्हणटात, 'वसंतोत्सव म्हळ्यार नवे जागृतायेचो दवाजो' आनी तें खरेंच. कारण त्या काळार गुजरातेंत आनी भारतांत वसंतोत्सवाक तितलें म्हत्व आसलें.

नानालालांचे रचनेंत एक सोबीत चली आनी हातांत बांसरी आशिल्लो एक देखणो चलो हांची अद्भूत अशी प्रेमकथा आसा. ही काणी सोबीत वासंतिक वातावरणांत घडटा. हे मोगी जोडयेक उठाव लाबचो म्हण आनीक अेके मोगी जोडयेची रचना केल्या. वसंतांतली अेक सकाळ उदेता. चल्यांचो एक जोमो वसंताक येवकार दिवपाक आनी रानांतलीं फुलां पुंजावपाक भायर सरता. गुलाबांचेर आजून फांतोडेच्या दंवाची ओलसाण आसा. खेड्यांतल्या घरांच्या पाश्टांचेर उदेत्या सूर्याचीं भांगराळीं किरणां नाचतात. कांय अंतराचेर आमराय आनी तळें आसा. नायिका आपणाले अिश्टिणीसयत एके वालीच्या झुवक्यांत लता–कुंजांत पावता. वालींच्या झोपाळ्यार बसून झेल घेवपी नायकाचेर तिची नदर पडटा. त्या वेळार बागेंतले कोगूळ 'कुहू' 'कुहू' आवाज करीत वसंताक येवकार दितात. तांची नदरभेट जाता आनी तीं दोगांय अेकामेकांच्या मोगांत पडटात. नायिका नायकाक अेक फूल दिता. आनी फुलावांगडा 'आपलें काळीजूय' ताका अर्पण करता. ह्या मुखेल नायक आनी



नायिकोच्या जिवितांत ज्यो गजाली घडटात त्योच गजाली वेगवेगळ्या तपशिलान दुसऱ्या मोगी जोडप्याच्या जिवितांतूय घडटात. अशा दोन समांतर कथानकांतल्यान एकूच अद्भूतपुराय प्रणयी अणभव व्यक्त जाता आनी तो वैश्वीक आसा म्हणपाचें सुचीत जाता. मोग आनी लग्नाविशींचे नानालालांचे विचार ह्या काव्यांत सुसंगतीन सुभाषितांसारके शैलीन प्रगट जाल्यात. मोग करप म्हळ्यार सर्गसुखाचो सुवाळो. सर्ग आनी मोग ह्यो दोन वेगळ्यो गजाली कश्यो आसतीत? मोग म्हळ्यार आत्म्याचे ज्योतीची सगळ्यांत श्रेष्ठ अशी कीट. नितळ पवित्रतायेचीं सगळ्यांत उजवीं सतां प्रेमयोगी जोडप्यांक खबर आसतात. मोगाची कथा ही आत्म्याचीच कथा जावन आसा. मोगाच्या मंदिरांत परमेश्वर रावता. ईश्वराचे न्यायसभेंत अेका आत्म्याचो दुसऱ्या आत्म्यालागीं जाल्लो अेकवट म्हळ्यारूच व्हाड्डीक. ती शुद्ध, सत्य आनी उदात्त. 'मोगाचें लग्न' जीणेंतली बऱ्यांतली बरी नखलामी, दिव्यत्वाचो उदेव. 'वसंतोत्सव' काव्यांतली उतरावळ आनी प्रतिकात्मक अशी वसंताच्या फुलवराची अलंकारी कथा गुजरातेंतल्या खाशेल्या सैमाचे पार्श्वभूंयेचेर चितारिल्ल्यान, ती कथा गुजरातच्या सैमाक आनी समृद्धतायेक जागोवपी होरावणीच जाल्या.

पदवी जोडचे आदींच्या काळांत नानालालांनी 'ज्ञानसुधा'त 'मोगाच्या लग्नाचें जागतीक व्यवस्थेंतलें प्रयोजन' ह्या माथाळ्याखाला अेक निबंद बरयिल्लो. तातूंत टेनिसनच्या मतांचो प्रभाव स्पश्टपणान दिसतालो आनी टेनिसनच्या विधानांच्या आदारान आपणालीं मतां पटोवन दिवपाचो यत्नूय आसलो. नानालालांनी आपणाल्या जायत्या कवितांनी आनी नाटकांनी जें काव्यमय पद्धतीन सांगलें तेंच हांगा गद्यांत अुतरावपाचो तांचो यत्न आसलो. चालंत वापरांत आशिल्लें 'मोग' हें अुतर इतलें सवाय जाल्लें कि तें आनी नानालालांनी वापरपाचो सुमार नासलो. तांचे कल्पनेंतलो 'मोग' हो ह्या चालंत 'मोगा'पासून शेंकड्यांनी मैल पयसुल्लो म्हळ्यार जाता. सर्वसादारणपणान अदींमदीं घडपी मोगाचीं लग्नां म्हळ्यार मोगांत पडिल्लीं चलो–चली वेगोवेग लग्नां जातात. आनी मागीर सवकासायेन खंत करीत बसतात. नानालालांच्या मोगाची कल्पना, हाचेपरस सामकी वेगळी. तांचे 'मोगाचे' कल्पनेंत कुडीच्या उपभोगाची आस, निखटी भावना वा अनैतिक चलणूक हांकां कुस्कुटाचोय थारो नासलो. नानालाल बरोवपाक लागले, ताच्या आरंभाकूच ताणी मोग, मोगाचें लग्न हांचेविशींच्यो आपल्यो कल्पना अुक्तेपणीं मांडिल्ल्यो. आनी अुपरांतच्या तांच्या कवितांत, गीतांत आनी नाटकांत ह्याच कल्पनांचे पडसाद वेगवेगळ्या संदर्भांत प्रगट जाताले. 'प्रेम' कल्पना ही जागतीक स्वरुपाची पुण नानालालांचें खाशेलेपण ह्या विचारापरसूय तांगेल्या काव्यांत बरेतरेन पळोवपाक मेळटा.

## नानालालांची 'दोलन शैली'

'अुमेदीन भरिल्ली काव्याची युवा देवता-तिच्या पांयांत काव्यशास्त्रगिन्यानीं लोकांनी जडगुळीं पांयजणां चरांटून बांदल्यांत. ह्या जडावाक लागून कवितेच्या प्रगटणाची गती खुंटल्या.' देखून ताणी कवितेक ह्या बंदपासांतल्यान मेकळी करपाचें थारायलें. आनी ह्याच यत्नांतल्यान लयेचो साज आशिल्ली तांगेली 'दोलन शैली' अुदयाक आयली. आपणाले शैलीविशीं ताणी म्हळां, 'एकवीस वर्सां पिरायेच्या तरनाट्या कवीचें बावीस शेंकड्या आदल्या छंदशास्त्राच्या साम्राज्याआड अुबाल्लेलें तें बंड.'

संस्कृत आनी हेर देशी भाशांतल्या छंदांची तोड–मोड करून नवे छंद–प्रयोग तयार करपाचो वावर नानालालांच्या आदींय नव्या गुजराती काव्यांत चालू आशिल्लो. रचना पद्धतींत चडानचड मेकळेपण लावचें देखून कवींनी उबाल्लेलें तें पावल. आनी तें स्वातंत्र्य जोडपांत त्या काळचे कवी बऱ्याच प्रमाणांत जैतीवंत जाल्ले. पुण नानालालांचे हे नवे शैलीन वृत्त–छंदाच्यो सगल्यो सांखळच्यो तडातड तोडून वडयल्यो. काव्याखातीर लयेचो वापर आपणें कित्याक केलो हें आपलें म्हणणें बळिश्ट करपाखातीर ते सांगतात, 'लयेचो साज आशिल्ले म्हगेले शैलींत एक तरेचें पद्यतत्व आसपावलां आनी देखून ती शैली म्हळ्यार अुतरांचो कशाय कसो जुळिल्लो मेळ न्हय.'

नानालाल म्हणटात कि नर्मद कवीच्या पावलार पावल दवरून आपूण चलतालों आनी 'महाछंदा' चो सोद घेतालों; इतल्यांत कोलंबसाप्रमाण एक नवो सोदूच आपणाक हे दोलन शैली बरवीं लागलो. ताणी मुखार म्हळां, हे शैली खातीर आपणाक Verse libre मुक्तछंदाचो प्रयोग करपी फ्रेंच कवीचो आनी 'मुक्तछंदा' चो वापर करपी व्हॉल्ट व्हिटमन चो वरो आदार जालो. नानालालांनी आपणाले 'दोलन शैली' चो प्रयोग पयलीं 'वसंतोत्सव' काव्यांत आनी मागीर आपणाल्या कवितांनी आनी नाटकांनी मोट्या प्रमाणांत केलो. 'दोलन शैली' चें वर्णन कांय जाणांनी अपद्य–अगद्य शैली अशेतरेन केलां. तरी लेगीत कांय उत्कृष्ट प्रगटणांच्या खिणांक ते शैलीचो सामको बरो परिणाम घडटा आनी ताका लागून नानालाल बऱ्या कवीच्या कसाक अुतरून पयले पंक्तीच्या पाटार बसता. ह्यांगा एक गजाल मतींत धरपाक जाय ती म्हळ्यार नानालालांनी जायत्या फावटीं आपणाल्या जायत्या कवितांनी परंपरेन चलत आयिल्ल्या पोरण्या वृत्तांचो वापर मोटे प्रभावीतरेन केला. म्हणटकूच कोणेंय जरी तुच्छतायेन म्हळें कि नानालालांक पोरणीं वृत्तां खबर नाशिल्ल्यान ताणी आपलें अज्ञान लिपोवपाखातीर, लयेन बांदिल्ले शैलीचो वापर केलो जाल्यार तें निखालस पटपासारकें ना. पद्यरचना करप म्हळ्यार काव्याची निर्मणी जाली अशें ते मानिनासले. ताणी आपली



कविता गद्य–पद्य ह्या बंदपासांच्या पैलाडीं पावयली. त्या काळार गुजरातांत आनी हेर सुबातांचेर निर्माण जाल्ल्या कवितांचो नियाळ घेतलो जाल्यार तातूंत मुक्तछंदाचोच चड आसपाव आसा म्हणपाचें दिसून येता आनी ह्याकालागून नानालालाचेंच दालें अदीक जड जाता.

## गुजरात आनी भारताचेर रचिल्ल्यो कविता

नानालालांनी आपणाल्या काव्यांचे तीन संग्रह १९०३, १९०८ आनी १९३५ वर्सां 'केटलांक काव्यो' (कांय कविता) माथाळ्याखाला उजवाडायले. तांच्यो कितल्योश्योच आवृत्त्यो भायर सल्ल्यो आनी तातूंतलीं जायतीं काव्यां लोकांचे जिबेर अखंडीतपणान घोळत उल्लीं. हे गजालीवयल्यान तांकां कवी म्हणून लाविल्ली नामना सिद्ध जाता. ह्याच सुमाराक तांच्या गीतांचे 'रास' रचनांचे, भक्तिकाव्याचे, आत्मनिष्ठ काव्याचे आनी ताणीच जाका '-चित्रदर्शनो' म्हण पाचारलें अशा चित्ररेखा रचनांचे संग्रह अुजवाडाक आयले. ताणी खासा वर्णन केल्ल्याप्रमाण ते 'आंतरराष्ट्रीय आदर्श 'चे भूमिकेचो पुरस्कार करताले. पुण तांची कविता गुजरातच्यो शिमो उपूंक शकल्योनात. गेल्यो त्यो क्वचीत. ह्याचें कारण म्हळ्यार ताणी आपणाल्या प्रिय गुर्जर देशाच्या सैमाच्या विगडविगड खाशेलपणांचेरूच लक्ष अेकठायिल्लें. सैमाची सोबितकाय ताणी आपल्या काव्यांत इतल्या व्हड प्रमाणांत हाडिल्ली कि तिका तांचे आदल्या आनी अुपरांतच्या कवींमजगतीं तुळा नासली. आसलीच जाल्यार सामकी थोडी. पुण तरी लेगीत गुजरातचे प्रादेशिक पार्श्वभूयेचेर ताणी जो भाव–भावनांचो आविष्कार प्रगट केला तातूंत वैश्वीक जाणिवांचेंच दर्शन घडटा.

गुजरातची सोबितकाय आनी आत्मो दाखोवपी बऱ्यांतली बरी कविता नानालालांनी रचल्या. कविता गीताच्या स्वरुपांत आसा. पुण फकत गावपाक येवंक जाय म्हण निखट्या आकर्षक अुतरांची ती भरताड न्हय. ती कविता म्हळ्यार गुजरातच्या गौरवाचें सुंदर यादस्तीक. तातूंत इतिहास, भूगोल, सैमाची सोबितकाय, शारां, गांवां, लोकांचे जिवीत आनी तांगेल्यो खाशेल्यो चालचलणुको ह्यांचो आसपाव आसा. गुजरातच्या सगट जिविताक दिल्ली ती अेक मानवंदना.

धन्य धन्य हो पुण्यप्रदेश
आमचो सुंदर गुर्जर देश !
खासा कृष्णाची लीलाभूमी
आमचो सुंदर गुर्जर देश
युगायुगांची लावन समाधी
सोमनाथ, गिरनार, द्वारका

पानां फुलां वालींचो थाट
भरून गेल्या न्हंयचे कांठ
सागर गायता गीत पुरातन
रानांत चलता शिवाचें गर्जन
दोंगर–दोंगुल्ल्यो मळबाक भिडटा
संत, गिन्यानी मंदिरांत रावता
धन्य धन्य हो पुण्यप्रदेश
आमचो सुंदर गुर्जर देश !
पुण्यभूमी ही दयानंदाची
आनी कर्मभूमी गांधीची
आमचो सुंदर गुर्जर देश !

गुजरातविशींची तागेली ही कविता थळाव्या आनी प्रादेशिक अभिमानाचें प्रतीक जावन आसा हें खरें. देखून तांची भारताची गुणवर्णना गावपी 'इंदुकुमार' ही कविता आनी 'राजसुत्रोनी काव्यत्रिपुटी' हें काव्य वाचप गरजेचें. कारण त्या काव्यांत भारताच्या पुर्विल्ल्या दायजाक सोबसारकी चलणूक दवरून तें दायज सासणाचें तिगोवन दवरपाक समस्त भारतियांक कवीन उलो मारला.

बयलेदरा पळयल्यार
सहजतायेन दिसता,
भारताची माती, धुल्ल आनी फातर
पुण रत्नपारखीच पारखूंक शकता
भितर दडिल्लो हिरो
तिच्याची मदरूच घेवंक शकता
शिपयेंतल्या मोतयाची सुनशा
सूर्यचिरूय आसात दाग
म्हण जाला केन्ना
ताच्या रुपाचो इवाड ?
सूर्याच्या उजवाडा इतलो
लखलखीत आसा आमचो इतिहास,
अस्तंतेच्या संस्कृतायेचे बुन्यादीचो फातर
हांगाच लागलो,
ग्रीस आनी रोमच्या म्हापुरसांची पाळणीं
हांगाच घोल्लीं
इजिप्त आनी बाबीलोनची



व्हडली भयण भारती
धोरण्यांतली पोरणी ही धर्तरी
युगायुगांची लूटमार सोसून
आसा तशीच गिरेस्त
सदांच सतायली घालून घाये
तरी आसा वर्सा संकिनीची
जिवी तट्टीत चैतन्यमयी
चिरंजीव भारताचो रचनाकार
जावन आसा साक्षात परमेश्वर
भारत दिता आत्म्याक चेतना
विश्वाच्या सांचीं कोयण्यांत
धायदिकांनी उद्घोष चलता
अजरंवर सत्याचो
सत्यमेव जयते । नानृतम ।

हें काव्य १९०९ वर्सा कवीन रचिल्लें. आयज स्वतंत्र भारतांत ह्या काव्याची निमाणी वळ 'सत्यमेव जयते' भारताचें अधिकृत घोषवाक्य जालां. गुजरात आनी भारत हांचेकडेन पळयताना कवी तोखणायेन आनी अद्भूत भावनेन पळयता. ह्या विशयावयल्या कवितांनी अशेतरेचे भाव घडये आपसूक येतात जावये.

## व्यक्तिगत कविता

व्यक्तिगत कवितेचे वळेरेंत कवीन आपले शिक्षक आनी गुरू काशिराम दवे, इश्ट अमृतलाल पढियार, बापूय दलपतराम आनी तांची घरकान्न माणेकबाय हांचेर बरयिल्ल्या कवितांचो आसपाव जाता. 'पितृतर्पण' ही कविता म्हळ्यार नानालालांनी आपणाल्या बापायक गौरवान ओपिल्ली आर्गां. उल्कट अशी ही रचना काळजाक पिवळ घालता. बापूय–पुता मजगतचे वेगवेगळे प्रसंग आनी अणभव तातूंत वर्णिल्यात. तातूंत उपाट आदर आनी आपलेपण भल्लां. भूतकाळ जिवो तट्टीत जावन उबो रावला. तातूंत दुःखां आनी हुंडके हांची अतितायेची भरताड ना. भुरगेपणांत बापूय–पुताच्या संबंदांत कळटां नाकळटां ज्यो चुको घडल्यात तांचेविशींची खंत, खर रितीन प्रगट जाल्या. ज्या 'चित्रदर्शनो' काव्य–संग्रहांत ह्या काव्याचो आसपाव जाला तातूंत ते विशी नानालाल म्हणटात, हीं 'चित्रदर्शनो' उतरांनी बरयल्यांत खरीं, पुण तीं रंगीत चित्रांइतलीं सत आसात. बापायचें शब्दचित्र रंगोवपी तागेली कविता वाचतकूच तागेल्या म्हणण्याचें खरेंपण पटटा. कारण व्हड आदरान आनी उल्कट मोगान चितारिल्ल्या त्या काव्यांतले रंग चित्रांत भरिल्ल्या रंगांइतलेच उठावदार आनी नदरेंत भरसारके उतरल्यात.

आपली घरकान्न माणेकबाय हांकां लेखून रचिल्ल्या व्यक्तिगत कवितांचो अेक वेगळोच विभाग थरता. तातुंतल्यांत अेका अखंड सुखी संवसारीक जिविताचें चित्र अुबें रावता आनी बायलेविशींचो मोग आनी आदरभाव अुकतो जाता. मोगाचे पुराय जाणिवेंतल्यान घडिल्ल्यो ह्यो कविता म्हळ्यार कवीच्या प्रेमकल्पनांचे दाखले आनी कवीन वर्णिल्ल्या आदर्श संवसारीक जिविताच्यो देखी जातूंत घोव बायलांचो संबंद म्हळ्यार अेका आत्म्याचें दुसऱ्या आत्म्यालागीं जाल्लें मीलन. ह्या काव्यांत प्रणय जरी आसलो तरी लेगीत ह्यो कविता कुडीची ओड वा आकर्षण हातूंत गुंथून पडिल्ल्यो दिसनात. घोव बायलांचे पुर्विल्ले भारतीय आदर्श मानून कवी अेके कवितेंत आपले बायलेक 'जीवनसाथीनी' आनी 'प्राणेश्वरी' अशें लेखता आनी बायलेन आपल्या जिवितांत मोगाची ऊब आनी उजळण हाडली देखून तो तिजो गौरव करता. कवीन १९०३ वर्सा अुजवाडायिल्लो पयलो कवितासंग्रह तिका ओंपलो. ती पुनव आसली आनी कवीन आपले एके कवितेंत पुनवे रातीचें जें सूरबूस शैलीन वर्णन केलां तातूंत पुनवेच्या चंद्रिमाचें वैभव आनी सोबितकाय, कापशी कुपांत ताची भोंवडी, शीतळ, धव्याफुल्ल, म्हौंवाळ अमृतावरी चांदण्याचो शिंवर हांचें चित्रण आसा :

आयज पुनवेची सुखदिणी रात
पळय, कोगळाच्या म्हौंवाळ गितान
कुपांची सावळी कुशीक सारल्या
आनी काळखांतल्यान उदेता
मळबाच्या उकत्या दोळ्यां–
पुनवेचो चंद्र पुराय
शिंवरीत अमृताचो पावस

१९०५ वर्सा गुजराती साहित्य परिषदेंत एक श्रेष्ठ कवी कांत हांणी नानालालांचो काव्याच्या मळार जो उदेव जाला ताका येवकार दितना म्हळें, "पुनवेचो पुराय चंद्रीम अमृताचो शिंवर करीत उदयाक येता."

हो एक योगायोगूच म्हणपाक जाय.

अशे तरेचे शैलीन नानालालांनी जायत्यो काव्यरचना केल्यो. अुतरां, कल्पना आनी घडणुको बदलल्यो तरी कवीक बायलेविशीं दिसपी मोग आनी आदर केन्नाच बदल्लो ना. कवीचो बायलेविशींच्या अुत्कट मोगाचो आनी आदराचो परिणाम म्हणून अतितायेची आनी कल्पनाविलासाचीं वर्णनां नदरेक पडटात ही गजाल खरी. देखीक, केटलांग काव्यो (कांय कविता) ह्या संग्रहांतल्या 'मुकूट,' 'व्हाडिकेचो वाडदीस' आनी 'व्हाडिकेचो दीस' ह्या काव्यांनीं कवी आपले मोगिकेच्या माथ्यार ताज्या फुलांनी सजयिल्लो आनी लखलखीत



हिऱ्यामाणकांनी नटयिल्लो मुकूट चडयता आनी तांचे मजगतच्या अतूट नात्याचें वर्णन करताना म्हणटा, "अुज्याच्यो दोन ज्योती अेकामेकांत भरसून अेकरूप जाल्यात."

अर्थातूच अशा काव्यातलों प्रामाणिकपणां आनी अुत्कटताय काळजाक भिडपी आसता हातूंत दुबाव ना.

### प्रेमकविता

नानालालांनी आपणाले कवितेंत आनी नाटकांत मोगाची वैश्वीक तत्वां आनी ताचे वेगवेगळे प्रकार लयबद्ध आनी नाट्यपूर्ण रितीन चितारल्यात. तातूंत अमूर्त ते मूर्त मेरेन मोगाची पयलीच सुखदिणी अस्वस्थताय दाखोवपी भावना आनी तरनाट्या प्रेमिकांचो अुदेतो मोग, अेकामेकांक मेळपाक अुत्सूक आनी वेगळी जातना निराश, लग्न जाल्ल्या मोगींचो निष्ठावान मोग हांचें वर्णन केलां. नानालालांचे मोगाविशींचे विचार चडकरून शृंगारिक पुण मुळापासून आदर्शवादी तशेंच नैतिक सिद्धांताकडेन बांदून अुरिल्ले. नानालालांच्यो प्रेमकविता कितल्योय शृंगारिक तरेन रचिल्ल्यो आसल्यो तरी तातूंत अनैतिक प्रेमाक मातूय थारो नासलो. तेचभशेन तांचे कवितेंत 'शाश्वत त्रिकोणाचो' आसपाव नासलो आनी आत्मक्लेश जावपी भंगलेल्या प्रेमाचेंय दर्शन नासलें. नानालालाचे नदरेमुखार जो मोग आशिल्लो तो 'जया–जयंत'च्या अेका गीतांत 'परम प्रेम परब्रह्म' हातूंत दिश्टी पडटा. मोग म्हळ्यार देव. मोग ही पवित्र वस्त. जो धर्माआड ना तो खरो मोग. नानालालांचे मोगाविशीचे विचार अुखलापे, अश्लील वा वासनेन भरिल्ले ना. पवित्र, निर्मळ आनी अत्मिक प्रेमाचेर आदारून आशिल्ले तांचे विचार पळोवन ते 'सनातनी' आसात अशें दिसता. नानालाल खऱ्यानिशीं निर्मळ म्हळ्यार प्यूरिटनच (शुद्धतावादी) आशिल्ले. असफळ, भंगिल्ले मोग तांचे कवितेंत ना. तेखातीर नानालालांच्या कवितांचेर मर्यादा पडल्या. हें नदरचुकीन घडूंक ना. काळखे जिणेंत आनीक दुःखाची भर घाल्ची न्हय हो सिद्धान्त ताणी आपणायिल्लो. मानवी जिवितांत खोस आनी अुमेद पसरावप, नव्या आशांक आंकऱ्यो फोडप, उंचेले हावेस आनी दर्शन लोकांमुखार मांडून तांका स्फूर्त दिवप हें कवीचें कार्य अशें ते मानताले.

नानालालांचे लग्नाविशींचे विचार लेगीत अशेच आदर्शवादी. शारीरिक वा भौतिक गजालींक प्राधान्य दिवपी लग्नांचे विशय ताणी टाळ्ळेनात तरी अेकामेकांचें समजिकायेन जाल्लें लग्नूच ते आदर्श मानताले. ताकाच ते खरें मोगाचें लग्न वा प्रेमविवाह म्हणटाले. सर्वसाधारणपणान 'प्रेमविवाह' हे संज्ञेचो समजून वा ना समजून आपणायिल्लो अर्थ कितेंय आसू.

प्रेमाचे आनी लग्नाचे असंस्कृत आनी दुखेस्त अशे प्रसंग ताळ्ळे तरी नानालालांनी बाकीचे सगळे प्रसंग मोटे कुशळतायेन काव्यमय आनी लयपूर्ण रितीन हाताळ्ळ्यात.

तो वाजलो अप्रूप वेणू
आनी खळून गेली न्हीद
तें ल्हारेवन आयलें संगीत
आनी पोशेवन गेलें काळीज
तो वाजलो अप्रूप वेणू
आनी खळून गेली न्हीद

( न्हाना न्हाना रास – १ )

हांगासर कळून येता तें म्हळ्यार वेणू हें एक प्रतीक आनी श्रीकृष्णाचो वेणू गोपिकांक कसो मोहीत करतालो हें वापरिल्ल्या कल्पनावरवीं दिसून येता. वसंतोत्सवांत नायकाच्या हातांतल्या वेणूचो प्रभाव नायिकेचेर पडटा तशेंच हांगाय जाता– मोगाची सुलूस आनी मोगाक आयिल्लो फुलर, तातुंतल्यान रुपकाराक आयिल्ले दोन अत्म्याचें 'लग्न'– मीलन.

अशे तरेची सूक्ष्म भावना अुतरांनी गुंथपाक खूब कठीण. ते खातीर अणभवांची गरज भासता. अेखाद्रें फूल दिसता पुण सभोंवतणीं पसरिल्लो वास दिसूंक शकना अशे तरेची ती आसता.

दाखयशात म्हाका,
सहस्त्र पाकळ्यांच्या साळकांतलो परमळ
जर तुमी पळयला आसत ताका
दर एका फुलांत ताचो वास
दर एके पाकळेंत ताचो आसपाव
अुडट्या वावांत
काळजाचो म्होंवाळ गंध कसो

( अर्धशताब्दींना अनुभवबोल )

'जयाजयंत' ह्या नाटकांतल्या गितांत कवीन मोगी आनी मोगिका अेकामेकांच्या दोळ्यांत नदर मोखून अेकरूप जाल्ले उपरांत ब्रह्मानंदांत कशीं पावतात ताची वर्णना केल्या.

मळबांतली खर वीज
तशी तुज्या दोळ्यांतली ज्योत
हांव देखतां



तो दिव्य परजळ
मान बागोवन लेखतां
पयसाव्याची अदंकुटी रात
तातूंत काळखाचें साम्राज्य
पुण आतां भंय ना
मुखार दिसता उजवाडाचीं किरणां.
तुज्या दोळ्यांत मोगाची भावना
दोन नदरांचो मेळ
हो तर दोन आत्म्यांचो संमेळ
भाग्याक आयिल्लो फुलर
तुज्या दोळ्यांत उजवाडाची झर
हांव देखतां
तो दिव्य परजळ
मान बागोवन लेखतां.

नानालालांचे नदरेन प्रेम ही एक पवित्र भावना. दादलो आनी बायल हांचेमदली भावनिक संबंदांची तासां आनी वृत्ती, अपेक्षा, तृप्ती, अुणाव, वियोग आनी पुनरभेट आदी गजालींनी चितारताना ताणी आपणालो पवित्रनिष्ठ दृष्टीकोण राखून दवल्ला. काव्य परंपरेक धरून ह्यो भावना चड करून बायलांच्या तोंडातल्यान येतात. नानालालांच्या मताप्रमाण प्रेमाची परिणती सभाविकपणान लग्नांत जाता तरी लग्नाक सदांच शारीरिक मीलन गरजेचें आसता अशें ना. देखीक तांच्या 'जया–जयंत' नाटकांत ताणी नायक आनी नायिका हांचो निजाचो मोग चितारला. पुण संवसाराक अध्यात्मिकता लाबपाखातीर तीं फकत अध्यात्मिक नदरेन लग्न जातात. मोग आनी लग्नामदली अध्यात्मिकता स्पश्ट करून दाखोवपाचो प्रणय आनी आदर्श हाचो एक यत्न ह्या नमुन्यांतल्यान दिश्टी पडटा आनी वेगळ्या प्रसंगांत नानालालांनी मोग आनी लग्न हांचें चित्रण कुटुंबीक पावंड्याचेर अेकवट साधून केलां. मात ताणी पावित्र्य आसा तशेंच दवल्लां आनी वासनेचेरूय भर दिवंक ना. नानालालांच्या अुतरांनी सांगपाचें जाल्यार 'विलासनी शोभा' (कांय कविता–२) हे अेके दीर्घ कवितेंत बायलांचे संबंदित चडानचड मोलाचो प्रश्न हाका ताणी स्पर्श केला. तो म्हळ्यार जीणेचें सौंदर्य आनी खोशी हें फकत खऱ्या मोगांतूच मेळटा. ताणी तातूंत म्हळां, बायल जावं ती लग्न जाल्ली, आंकवार वा विधवा, ती सदांच आदराची म्हूर्त आनी आपणांक जाय ते स्थितींत रावपाचें तिका पुराय स्वातंत्र्य आसा. हे विचार काव्यांत वर्णन करपाखातीर कवी तीन तरनाट्या बायलांची काल्पनीक अुदारणां दितात– आंकवार, लग्न जाल्ली

आनी विधवा. त्यो तिगीय चान्याचे राती मळबा बटेन भोंवडी करताना दाख-यल्यात. आंकवार आसता ती ' स्वर्गगंगा ' जाता, लग्न जाल्ली ' चंद्रिका ' आनी विधवा ' तारिका ' जाता. तिगीय जाणी आपल्या गजालींनी आपली सामाजिक सुवात, जिवितांतल्यो आशा हांकां अुजाळो दितात.

समारोप करताना कवी भर दिवन सांगतात, बायलांच्यो ह्यो अवस्था सोबितायेन भल्या तरीकेभीत जीणेचो खरो आनंद, मोगाचें रुपांतर लग्नांत जावपातूंच आसता.

नितळ मनाच्या मोगी पुतांनो आनी धुवांनो
विसरूं नाकांत कुळाचार
मोगाच्या लग्नांत खोशी भरून रकता
लग्नाउपरांतच्या मोगांत वैभव घरात नंदता

पुण दादले आनी बायलांनी खरो आनी फट मोग जाणून घेवंक जाय.

सुख आनी दुःख
उजवाड आनी काळोख
हांच्यो जिवितांत सदांच लटाफटी
जिविताची कथा रेखल्या
काळी आनी धवी
जिणेच्या ह्या सरोवरांत
अमृत आनी वीख आसा
कडेक सारून वीख
घोंटपी अमृत
तो हंस जावन आसा–विवेक

खरें आनी फट हातूंतलो फरक–वास्तविक आनी अुखलाप्या मोगाचो फरक नानालालांच्या पुराय काव्यांत मेळटा. नानालालांचे नदरेन तोच खरो मोग जो शारीरिक सीमा बलांडटा आनी फट मोग म्हळचार जो तरनाटयांक वासनेचे भकीक घालता. नानालालांनी मोग आनी लग्न ह्या दोनाचें वर्णन आपले लयबद्ध रितीन प्रणयी आनी आदर्श तरेन रंगयलां आनी ताचें अुत्कृष्ट अुदारण, ' चित्र–दर्शनो ' हातूंतली तांची ' ताजमहाल ' ही कविता.

' ताजमहालांत ' नानालाल मुमताज आनी शाहजहान ह्या अप्रतिम प्रेमी युगुलांची खंत करीना पुण अेका मोगीन आपले मोगिकेच्या सासणाच्या अुगडासा-खातीर निर्मिल्ल्या संगमरवरी यादस्तिकाचे प्रेमभावनेचो संदेश दिता. कवीचे नदरेन ताजमहाल हें अजरंवर मोगाचें प्रतीक, तेचवरी अप्रूप असो कलेचो नमुनो :



लग्नांत अेकठावल्ल्या
अखंड मोगाची ही बाग
काय मोगी जिवांच्या
हुल्पल्ल्या सपनांची रास

शाहजहानाचो मुमताजविशींचो अखंड मोग दाखोवपी ताजमहाल हें भव्य स्मारक :

कृष्ण–वेणूच्या नादा वांगडा
वृंदावनसून व्हांवता यमुना
आनी न्हंयेचे देगेदेगेचेर
फुलून येता सोबिताय
विरून काळोख मळबांत
उजवाडाची पसय पडटा
खर मोगाचें नखेत्र पेटून
उजवाडाची घडटा रसणाय

संगमरवरी फातरांत कोरांतिल्लो हो मोग, ज्याचो अेकान अेक फातर मोनेपणीच अजरंवर मोगाचो संदेश दिता तो काळाच्या क्रूर चपक्यांत सांपडचो ना. कारण–

सोबिताय आनी मोग
मर्णाच्यानूय जिखूं नजो

आनी देखूनच

सूर्य उदेता आनी अस्तंमता
यमुना व्हांवत येता आनी वता
पुण हो ताजमहाल–
मोगाची अखंड जोत
परजळत रावता मोगी मनांत

नानालालांक ताजमहाल हें लग्न जाल्ल्या मोगाचें प्रतीक कशें भासता. हें शिल्प म्हळचार संवसारांतली अजापाची वस्त. तेचबरोबर ती मनातलो आदरभावय जागयता.

पुराय चंद्रिम–चान्याची पसय
तातूंत उबो ताज
मोगाच्या संगीताची मदलस
दोन सुरांचो मेळ

ताजमहाल खासा संवसारांतलें एक अजाप हातूंत कायच अजाप करूं नजो. ताचें कवीकूय अशेंच आकर्षण दिसूक जाय, ज्या कवींनी ताच्या सौंदर्याचेर आनी अमर मोगाचेर उत्कटतायेन काव्यरचना केल्यात. हेर कवीभशेनूय नानालाल त्या भव्य सौंदर्याचेर भाळ्ळयात. पूण तांची नदर हेरांपरस वेगळी आसा. तांचेलेखीं ताजमहाल म्हळ्यार फक्त मोगाचेंच न्हय तर लग्नाउपरांतच्या मोगाचें प्रतीक जावन आसा.

## वीर काव्य

प्रेमकविता रचपांत आनी गावपांत नानालाल श्रेष्ठ आसले तशेंच ताणी चड भर कायदेशीर प्रेमलग्नाचेर दिल्ली, तरी मनशाच्या काळजाच्यो हेर भावना नाजूक रितीन आनी कुशळतायेन चितारताना तांच्या काव्यांत आनीकूय रंग भरून येताले. हातुंतल्या विचारांक आनी भावनांक वीरभाव म्हणूं येत; नानालालान त्यो चड विशाल करून आपल्या 'कुरूक्षेत्र' ह्या महाकाव्यांत चितारल्यात. पूण तरी आसतना कांय कांय कडेन मोगाचीं गीतां आनी बारीक बारीक लयबद्ध कवितेंत आपले लेखणेचें कसब दाखयलां. तरी आसतना खूबकडेन अशें घडटा कि, नाना–लालांच्यो वीर भावना नकळटाना प्रेमभावनेत मिसळटात. देखीक तांची 'विरनी विदाई', म्हळ्यार 'वीराक निरोप' ही कविता.

मध्यकालीन रजपूत शौर्याचे पार्श्वभूमीचेर बरयिल्ली तांची ही कविता. एक तरनाटो रजपूत सैनिक सुद्धाचें रणशींग आयकून युद्धभूमिचेर वचपाक भायर सरता आनी ताची बायल ताका समारंभासयत निरोप दिता अशें चित्र ताणी सुंदर रितीन हे कवितेंतल्यान उबें केलां. नानालालांचें लेखणेंतल्यान रुपकारा आयिल्ली ही सुंदर रचना, जातूंत मोगान न्हिम्नळपी ती शूर रजपूत बायल आपल्या भावनांचो तोल वचूंक दिनासताना, घोवाक यश आंवडेवन म्हणटा :

म्हारो केसर भीनो कांत  
सिधावो जी राणावत

( केटलांक काव्यो–२ )

'केसर भीनो कांत' अशें दाखोवन दिता, कि एक झुजपी घोव (कांत) जो युद्धभूमिचेर वचपाक तयार जाला, तांचें कपल शुभ समजुपी केसर वा कुकमान माखलां–

कपलार कुकुम सोबयिल्ल्या म्हज्या घरकारा  
आतां झुजामळार चलात

प्राचीन कालांतल्या मध्यकालीन वातावरणांत झुजामळार वचपाक सदांच



तत्पर आशिल्ल्या रजपूत सैनिकांखातीर जें रजपुताना प्रसिद्ध आसा ताचें कवीन आपले कवितेंत कांय प्रसंगांनी वर्णन केलां.

वीर सैनिकाची बायल म्हणटा–

मळब थरथरता धर्तरी घुमता,  
शंखांचो गंभीर आवाज गाजता  
रणशिंगाचो आवाज येता,  
म्हज्या राजासारख्या दिसपी  
घरकाराच्या जैताची घोशणा करीत  
आंगणात बावटो हत्तीमुखार घोलता  
आनी बंदखणींत पडिल्ल्या बंदयांच्या  
आवाजान किल्ल्याचो वांठार घणघणून वता.

रजपुताचे बायलेकडेगीत झुजपाचें गिन्यान आसता आनी घोवाची इत्ता आसल्यार ती ताचेबरोबर वचपाक तयार आसता. जेन्ना तिचो वीर घोव वचपाक भायर सरता, तेन्ना ती ताका सांगता, जैतिवंत जावन घरा परतुपाची ती वाट पळयत रावतली आनी मागीर ताचेबरोबर जैत मनयतली. ती ताका अशेंय सुचयता कि, जर झुजामळार झुजताना तो पडलो तर ती, एक निजाची रजपूत बायल कशी जोणेचो अंत करतली आनी स्वर्गांत ताका मेळटली. हांगासर, वीरभावना कवितेंत अशेतरेन मिसळ्ळ्यात कि, तातूंत तरनाटया रजपूत वीराचो आनी ताचे बायलेचो मोग प्रगट जाला. तिका पुराय भरवंसो आसा कि, तिचो घोव जितलो स्वतःच्या जैताचेर मोग करता, तितलोच मोग तो तिचेर करता.

शौर्याचें वर्णन करपी आनीकय कांय कविता आसात, 'शूकन नी घाडीयो' (शुभ वेळो) जी कवीच्या युद्ध कविता संग्रहांत (रणगीतो) आसा. ही कविता भारताच्या स्वातंत्र्य चळवळीच्या अहिंसक आंदोलनाच्या पयल्या पर्वाच्या संदर्भांत बरयल्या. देखीक गांधीजी म्हळ्यार शस्त्राविना शस्त्रान झुजपी असो वर्णिला. हांगा वीरभावना ह्यो देशभक्तीचे चौकटींतल्यान वर्णन जाल्यात तर 'संग्रमचौक' ह्या चार कवितांच्या संग्रहांत ज्यो दुसऱ्या संवसारीक झुजावेळार बरयल्यात तातूंत वैश्वीक दुःख चितारलां. क्रूर शक्ती ज्यो मनीसपणाची मुल्यां काबार करूंक फुडें सरल्यात आनी सभ्यतायेचेर जें संकट कोसळ्ळां ताचेविशींची कवीची चिंता कवितेंत दिश्टी पडटा. 'कुरूक्षेत्र' हें नानालालाचें महाकाव्य पुराय नदरेन आनी सभाविकपणान वीरभावना दाखोवपी सुखेल. पूण तातूंतले कांय अंश वेगळे लेखल्यार स्वतंत्रपणान वीरगीतां जांव येतात. तातूंतलें एक 'काळाचो आवाज,' जीण म्हळयार एक आकांताळें झूज अशें तातूंत सुचयलां आनी तें स्वीकारपाचें झुजप्यांक आवाहन केलां.

रात भुलगली, फांतोड तेकली
एक युग सोंपलें, नवें उदेलें
काळाचो आवाज कानार सादलो
उठ वीरा, आव्हान स्वीकार,
हो नशिवाचो भुलो
हो काळाचो सोद

वीरगीतांचे वळेरेंत नानालालांचे लेखणेंतल्यान रुपकारा आयिल्लें एक गीत आसा तातूंत कुंतीमातेन अर्जुनाक प्रेरणा दिवपी संदेश दिला.

[ पार्थाने कहो चाडवे बान (कुरुक्षेत्र) ]

सांगा वचून पार्थाक, ओडून प्रत्यंचा
धोणवाचेर चडय बाण
आतां झुजाबगर पर्याव ना
ही कुंतीची आज्ञा
पार्था, धोणवाचेर चडय बाण
आमी भीक मागली, हांगा थंय जळपले
आमी शांतीकायेखातीर मागलें
आनी पराधिलें
आमकां तांकता तें केलें
पुण आमचें खालतेंपण
मानलें ताणे दुबळेपण
आता अन्यायाक वाचा फोडपी
झूज होच मार्ग
स्वाभिमानान चलपाची अेकूच अेक वाट
सांगां वचून पार्थाक, ओडून प्रत्यंचा
धोणवाचेर चडय बाण
कुपां गर्जतात, वारो रंवरंवता
म्हज्या शिवाच्या पुतांनो
तशीच मारात गरड
म्हज्या वीर पुतांनो
चडयात शिरस्त्राणां माथ्यार
सांगां वचून पार्थाक, ओडून प्रत्यंचा
धोणवाचेर चडय बाण



पांडवांक तांच्या राज्याचो वांटो मेळचो म्हण श्रीकृष्णान कौरवांकडेन केल्ली भुलोवणी जेन्ना फिसकट्टात, त्याभुपरांत परततना वाटेर श्रीकृष्ण कुंतीक मेळटा. ती हो प्रेरणा दिवपी संदेश आपलो सर्वश्रेष्ठ भुरगो, अचूक नेम धरपी धनुर्धारी अर्जुन हाका धाडून दिता. कुंतीची अुतरां म्हळचार आदेशूच. नानालालाक हांगा कुरुक्षेत्र कथेचें मर्म सांपडलां. हांगाच पांडव आनी कौरवांच्या झगडयांचो अंतिम निर्णय थरता. हे कवितेक ओडलायणी लय आसा, आनी सोप्या अुतरांनी ती व्यक्त जाल्या. तिका कवित्वाचो बरो स्पर्श मेळ्ळा जो नानालालांच्या बऱ्या काव्याचें वैशिष्टच जावन आसा.

**सैमाच्यो कविता**

कवीक सैमाची ओड स्वाभाविक. नानालाल हे सैमाच्या सौंदर्याचे मोटे भक्त आशिल्ले. पुण ताणी खासा सैमाच्यो कविता अशो थोडयोच बरयल्यो. ताणी जीणेंत पळयिल्लें आनी भोगिल्लें सैमाचें सौंदर्य आनी म्हूडपण अेकामेकांत भरसून गेल्यांत. न्हंयो, बझरे, दोंगर, दोंगुल्ल्यो, तळी, सरोवर, दर्याच्यो विशाल वेळो आनी सागर, वसंत, शरद, शिशिर, ग्रीश्म आनी वर्षाऋतु; सबणी, फुलां आनी वालींच्यो बागो, मोर आनी कोगुळ– गुजरातांत, आपले मायभुंयेंत रावपी ह्या सगळयांचें चित्रण नानालालांनी आपले कविकल्पनेन रंगयलां. ताचो केन्नाच विसर पडचोना.

नानालालांक मनीस आनी सैम केन्नाच अेकामेकांच्या आड दिसलेना. ताणी दोनाकूय अेकामेकांचे सांगाती लेखले. सैमाकडेन पळोवपाची तांची नदर ही एका अर्थान नानालालांक टेनिसनापरस वर्डस्वर्था–कडेन चड लागीं व्हरता आनी तेखातीर टेनिसनान सैमाचें चित्र ' रक्तान माखिल्लो पोचको आनी जवडो ' अशें जें भयांकृत रंगयलां ताका नाना–लालांचे काव्यजिणेंत सुवात ना. नानालालांचे नदरेन वसंत हो जिणेचो आनी सैमाचो संदेश दिवपी खासा दूत. ताचेवयलें तांचें काव्य खूब संगीतमय, रंगरंगयाळें आनी चित्रपुराय. वसंताची सोबिताय चितारपी दीर्घ काव्यावांगडा ताणी आनीकय कविता रचल्यात. त्यो म्हळचार ' वसंत राणी ' (गोपिका), 'वसं-ताक येवकार,' ' वसंताचे येवप' (न्हाना न्हाना रास). तशेंच तांच्या 'वसंतोत्सव ' हे दीर्घ कवितेंत वसंतगीत ह्या म्होवाळ गीताचो आसपाव आसा. नानालाल कवी म्हण वयर सरता आसतनाच तांकां पुराय चंद्रिम म्हण येवकार मेळ्ळो. आनी खऱ्यानिशी तांची चंद्राविशींची ओड पळोवन तांकां ' चंद्रपिसो ' अशेंच म्हणपाक जाय; कारण तांच्या काव्यांत आनी गद्य बरपावळींत अदीमदीं चंद्र आपलें दर्शन दिता. तांच्या काव्यांत चंद्रीम आनी चान्ने अुपमा, रूपक आनी अुत्प्रेक्षा हांच्या रूपान येता. अेक इंग्लीश समीक्षक म्हणटा, सगळे कवितेचो इति–

हास अशें सांगता कि, वर्सासंकोनी चंद्रिमाक नव्यो नव्यो अुपमा दिवपाचो प्रयोग अखंड चालू आसा. (जे. आईजैक्स The Background of modern Poetry p. 30 ) नानालालांनी लेखनांत खऱ्यानिशीं चंद्रिमाक नव्यो नव्यो उपमा दिल्यात आनी जायते फावट खासा चंद्रिमूच तांच्या कवितेंतल्या खूबशा सुंदर गजालींच्यो प्रतीमा आनीं प्रतीकां जातात.

चंद्रिम – पुराय चंद्रिम – हो 'चित्रदर्शनो' ह्या कवितासंग्रहांत आसपाविल्ल्या ' शरद पूनम ' हे चित्रपूर्ण कवितेंतलो अेक विशय. हातूंत नानालालांनी चित्रिका–भशेन (जाणे केन्नाच हातांत ब्रश घेतलोना) पुराय चंद्रीम क्षितिजांतल्यान अुदेता हें दृष्य सुंदर रितीन चितारलां. हांगा पुराय चंद्रीम आनी चान्ने हांकां सुंदर अुपमानी आनी रूपकांनी नटयलां. ल्हवूल्हवू वयर चडपी चंद्रीम आनी येवकाराक तयार राविल्ल्या संवसाराचेर आपलें वैभव शिंवरपी चंद्रिका हांची तुळा कवीन लजेन बागोवन दोळयांच्यो पापण्यो ल्हवपीकपणी अुगड–धांप करपी ' लजेस्त चलवे 'कडेन केल्या. कलांचो शिंगार केल्लो पुराय चंद्रीम मळबाच्या दरवटयांत येवन चोंयबशीन अुजवाड फांकयता तेन्ना तो ' घराचे गच्चीर अुबी रावून मोनेपणी हांसपी सुंदर चलये ' सारको दिसता अशें कवी म्हणटा. कवीच्या म्हणण्याप्रमाण मळबांत पसरिल्ल्या चान्न्यांत अुफेवपी चंद्रीम म्हळयार ' समुद्राचे छातये वयली काळजाच्या आकाराची बोट ' आनी मळबांतलो अेकसुरो चंद्रीम म्हळयार बागेंत आपल्या मोगीक मेळपाक आयिल्ली मोगिका. आयजैक्सच्या म्हणण्याप्रमाण हांगां कवीचो यत्न हो नव्यो अुपमा दिवपाचो प्रयोग आनी नानालालांनी अशेतरेन खूब कवितानी त्यो दिल्यात. इतलेंच न्हय तर पुराय चंद्रीम, चान्ने, सांजवेळ, रात आनी दर्यो हांचे मेळावण सोबीतपणी जालां. चड करून, जेन्ना पुराय चंद्रीम हें पुराय विकसित मोगाचें प्रतीक मानलां तेन्ना कवितेच्या शेवटाक कवीचें भरतवाक्य जावन आसा, ' रातीच्या वेळार मळबांत पुराय चंद्रीम जशे परी परजळटा तेचवरी मोगाचो पुराय चंद्रीम समेस्तांच्या काळजांत अुजवाड फांकू आनी सगट संवसार परजळीत जांव.' सैमाचेर रचिल्ल्यो अुल्लेख करपासारक्यो तांच्यो आनीकूय कांय कविता म्हळयार ' धुमकेतूचें गीत ' (इंदूकुमार). धुमकेतू म्हळयार अपशकूनी, संकश्टां हाडपी अशेतरेचे जे अपसमज आसात ते हांगां नात. अुरफाटें धुमकेतू म्हळयार पवित्रतायेचें प्रतीक मानून रूढीच्या आड ताचें वर्णन केलां. धुमकेतूक चालंत जिणेतल्या सुखाच्या आनी आडखळींच्या पैलाडी पाविल्लो योगी कसो लेखला. ' धुमकेतूचें गीत ' हाचेचसारकें दुसरें गीत म्हळयार 'विहंगराज'. हातूंत प्रतिकाच्या रूपांत योगीचेंच दर्शन घडयलां. सगळया शेवण्यांतलो श्रेष्ठ असो तो विहंगराज अुंच मळबांत अुडटा, जशे परी एक योगीराज धर्तरेवेल्या सामान्य मनशाच्या सुखदु:खाच्या गजालींकडेन ओडनासतना ब्रह्मलीन जाता. ताका तान



लागता पुण ती भौतिक न्हय. तो वयर आनी वयर अुडटा तेन्ना ताका ब्रह्मानंदाची; ब्रह्मसाक्षात्काराची तान लागिल्ली आसता.

## गिरनार पर्वत

वर्डस्वर्थान म्हळां – जंय स्वातंत्र्याच्या अस्तित्वाक भिरांत निर्माण जाता थंय दर्यो आनी दोंगर ह्यो दोन गजाली त्या स्वातंत्र्याचे बुरुज जावन अुरतात. नानालालांक दर्यो आनी दोंगर हाचेविशीं खूब आदर आसा. पुण नानालालांची नदर वेगळी आसा. ' गिरनार पर्वताचेर ' ( कांय कविता–२ ) वरयिल्ल्या कवितेंत दोंगर म्हळयार काळाचें बोलकें रूप मानलां. तांतलो अेक्कानअेक फातर इतिहासाची गवाय. इतिहासाचो अेक मोलादीक कालखंड गिरनार पर्वताच्या मूळसांत आसा तो म्हळयार सम्राट अशोकाच्या धर्माच्या आदेशाचो शिलालेख. हें पळोवन कवीक इतिहासाचो अुगडास जाता. तांची कल्पनाशक्त सम्राट अशोकाच्या भव्य युगांत आनी ताणे भगवान बुद्धाचो अहिंसक संदेश पसरायिल्ल्या जाग्यांनीं पावता. सम्राट अशोकान बुद्धाचो संदेश समुद्रापलतडी श्रीलंकेंत आनी हेर पयसुल्ल्या देशांनी पावयिल्लो. सुंदर सकाळचें वर्णन आशिल्ल्या कवितेच्या पयल्या कांय कडव्याअुपरांत कविता अशोकाच्या धर्मचक्राचेर केंद्रीत जाता आनी बुद्धाविशीं कवीच्या मनांत कितलो खोल आदर आसा तें दाखयता. तेचपरीं बौद्ध धर्म स्वीकारल्या अुपरान्त बुद्धाचो संदेश सगळेकडेन पावोवपी सम्राट अशोकाविशीं तांचो आदर व्यक्त जाता.

## दर्याच्यो कविता

नानालालांनी एक फावट अेके गजालीकडेन लक्ष ओडलां. तांचे म्हूणणे गुजराती कवीनी दर्याकडेन फावो तितलें ध्यान दिवंक ना, जो तांचेमुखार आपलें सौंदर्य आनी भव्यताय पसरून बसला. आविल्ल्या गुजराती कवितेंतलो हो अुणाव ताणी आपणाल्या कांय दर्याबयल्या कवितांनी भरून काडला.

कवी कांत हाचेवांगडा नानालालांनी सौराष्ट्रांतल्या गोपनाथालागी आशिल्ल्या दर्याक भेट दिल्ली. थंय कवी कांत हाणी ' दर्यो आनी चंद्रीम ' ही कविता बरयली जाल्यार नानालालांनी सामकी वेगळे धाटणेन ' दर्याक ' ( कांय कविता–२ ) ही कविता रचली. हांगा कवी दर्याक ' अुदात्त आनी अंत नाशिल्लो ' लेखता. आनी चान्न्यांत ताच्या सौंदर्याचें चित्रण करता आनी ताका असो संदेश दिवपाखातीर विनयता कि तुजी ल्हारां जशीं मेकळेपणी खेळटात वो जोरगतीच्या वेळार तूं जसो अुचंबळीत दिसता तसोच एक सोबीत, खोल, भव्य आनी अुदात्त असो संदेश सरभोंवतणी पसरावन तूं मनशाचें जिवीत जगपाक योग्य अशें कर.

'मेहरमान ना मोती' (दर्याचीं मोतयां) ह्या शिर्षकाखाला तयार जाल्या गीतांची आनी गीत कवितांची माळ म्हळ्यार कवीच्या १९३८तल्या मुंबय हांगा सुंदर जुहू किनाऱ्याचेर स म्हयन्याच्या राविल्याची एक देणगी म्हणून जाय. काळजाचे पिडेन तळमळपी कवीक दर्याविळेनयल्या प्रवासान नवी जीण मेळ्ळी. कविता रचनेखातीरय तें लाभदायक थल्लें. कारण कवी खासा आपुण प्रस्तावनेंतूच म्हणटा, 'आत्म्याची वाद्यां, महाकाव्य आनी गीतकाव्य अशा दोनूय प्रकारची गीतां लयसूरान वाजूंक लागलीं. दर्यान तांकां फक्त बरी बलायकीच दिली अशें न्हय तर, दर्यासांगाताक रावतसान ताणीं 'कुरूक्षेत्र' ह्या महाकाव्याचीं तीन पर्वा रचलीं, 'कवीश्वर दलपतराम' हो तांच्या बापायच्या चरित्राचो निमाणो अध्याय, आनी २५ गीतां, जाकां ताणी सभाविकपणान 'दर्याची मोतयां' अशें म्हळां, ही गीतां बरोवपाची प्रेरणाय तांकां हांगाच मेळ्ळी. (ही जीणे कथा बरोवपी लेखकाक, कवीच्या तोंडातल्यान कांय कविता आयकूपाचें भाग्य लाबलां). हें आसा नानालालांनी केल्लें दर्याचें चित्रण–

दर्याचीं आकांताळीं ल्हारां गाज काडीत देगेकडेन धांवतात, कवी तांकां भुरग्यां सभावान अजापभरीत जावन देगेर रावन नियाळटा आनी आपणाम्हऱ्यांत खेळूंक आपयता.

येयात ल्हारांनो येयात .  
खेळूंक म्हज्यालागीं येयात  
सोशेन म्हजें काळीज  
अुपाट भरून रकयात  
येयात ल्हारांनो येयात  
वालींवरी आंग तुजें  
वयर अुसळटा विरून वता  
तूं दोळे मिचकायता  
शेल घेता,  
अुंच वता सपसप सकयल येता,  
भांगर–चांदीच्या झोपाळयावरी  
येयात ल्हारांनो येयात,  
अेकदीस हांवूय येतलो तुमच्या सांगाताक,  
पेंव पेंव पेंवतलो  
त्या अनंत सागरांत  
येयात ल्हारांनो येयात  
म्हजेलागीं खेळूंक येयात.



'जुहू ना जलधी जल आरे' हे दुसरे अेके कवितेंत कवी महाकाव्यावरी दर्याची सोबिताय, भव्यता आनी ताचें रहस्य हांचें वर्णन करता.

हे म्हासागराचे वेळेर  
मनीस–बाळकां शंखशिपयो पुंजायतात  
आपलीं–आपलीं रेंवे घरां अुबारतात,  
पतंग वाऱ्यार हुबयतात;  
हांगा सागराक मेळटा धरित्री,  
सागर भिडटा मळबाक;  
हांगा पुराय चंद्र अुदेता  
आनी सागर आनी धर्तरेक  
धव्या रंगान न्हाणयता;  
दुसरे वटयां  
सागराच्या पैलाडीं  
जंय फक्त कल्पनेचे पांखाटे लावनूच पावूं येता  
थंय सागराचो आवाज  
दिव्य कवीच्या स्वराभशेन  
अेका दिव्य मनोऱ्यांतल्यान  
भायर सरता गीत  
म्होवाळ, खोल घुमपी आनी दीर्घकाळ अुरपी

नानालालांच्या कवितांचो अणवाद करप सोपें न्हय–चड करून इंग्लीशसारखे भाशेंत. पुण ही आडखळ फक्त नानालालांच्याच काव्याचे बाबतींत आसा अशें न्हय. अेके भाशेंतल्यान कवितेचो दुसरे भाशेंत अणवाद करप खूब कठीण. (आनी जाणी असो यत्न केला तांकां हें चड बरें खबर आसतलें) सामकी तोंकाची भूमिका घेवन आमी जरी म्हळें, 'काव्य म्हळ्यार कितें ?– तर जें अणवादांत काबार जाता तें' वो 'अणवाद करपी हे काव्याकडेन फटींगपणा करपी आसतात' अशें जरी म्हळें तरी अुमाशंकर जोशीनी केल्ल्या अभ्यासपुराय विधानाप्रमाण (कम्युनिकेटर, इंडियन इंस्टीटयूट ऑफ मास कम्यूनिकेशन ऑक्टोबर १९७४). बरो अुतरिल्लो अणवाद हो लेगीत मूळ कवितेचो आभासूच आसता. पुण हें काम जरी कठीण आसलें तरी काव्यमोगी निराश जावंक ना. मूळ कविता वाचूंक न मेळिल्ल्यान तांकां आनंद मेळना खरो, पुण ते कवितेच्या अणवादान जो कवितेचो आभास निर्माण जाता त्या आभासाचेर ते समाधान मानून रावतात.

प्रकरण तिसरें

# महाकाव्य

१९२६ ते १९४० ह्या काळांत नानालालानी कुरुक्षेत्राचे बारा अध्याय रचले. महाभारताचे कथेचेर बरयिल्लें हें अेक महाकाव्य. हांगा कवी, ताणीच सांगिल्याप्रमाण ‘ काव्यगीताची बांसरी ’ कुशीक सारून ‘ महाकाव्याची तुतारी ’ वाजयता. कुरुक्षेत्र ही रचना आपणाल्या काव्यरचनेचें शिखर असो तांचो खर विश्वास आसल्लो. नानालालांचे आदीं नर्मद आनी अशाच दोन कवींनी महाकाव्य रचपाचो वेगवेगळो यत्न केलो पुण तातूंत तांकां यश आयलें ना. प्रत्येक काळाची आपली अशी वीरकथा आसता आनी प्रत्येक काळाचो अेक कवी आसता जो ती सांगता. (प्रस्तावना पान २१) हें सांगून ताणी ‘इलियड’, ‘शहनामा’, ‘रामायण’, ‘महाभारत’ आनी ‘श्रीमद्‌भागवत’ हांकां ‘विश्वकाव्य’ अशें लेखलां. मुखार ते बरयतात, आपणालें महाकाव्य हें संस्कृत शैलीसारखें न्हय, तर मिल्टनच्या ‘ पॅरेडायज लॉस्ट ’ शैलीसारखें आसा.

नानालालांच्या मुखार दोन प्रश्न आसले– महाकाव्याखातीर योग्य असो विशय आनी योग्य अशी शैली सोदप. जे तालबद्ध शैलीन (दोलन शैली) ताणी नाटकां बरयलीं आनी कांय दीर्घ कविता रचल्यो ते शैलीचेर आपुण खोशी आसां अशें ते मानताले. योग्य विशय सोदून काडपाक मात तांकां बरोच वेळ गेलो. जीझस आनी बुद्ध हांचे जीणेचेर महाकाव्य बरोवपाचो विचारय ताणी केलो. पुण अखेर ‘कुरुक्षेत्राची’ कथा वेंचून काडली. नानालालांनी म्हळां, ‘ मनीसकुळयेच्या इतिहासांत सगळयांत चड आंगार कांटो फुलोवपी अुतर म्हळयार ‘कुरुक्षेत्र’, जंय मनीसकुळयेच्या सवव्या वांटचान पांच फावटीं युद्धभुंयेचेर आपणाल्या नशिबाक कौल लायलो. अशेतरेचो इतिहास आनी युग आनी खंयच्याच युद्धभुंयेचेर घडिल्ल्याची देख ना.

मिल्टनचे ‘ पॅरेडायज लॉस्ट ’ हें पारंपारिक रूपापरस वेगळें अशें साहित्यिक प्रकाराचें महाकाव्य. नानालालांचें ‘कुरुक्षेत्र’ लेगीत ह्या महाकाव्यांत बसता. नानालालांच्या महाकाव्यांत महाभारताची कथा आनी पात्रां आसात पुण मिल्टनान

बायबलाची कथा घेतल्या. कुरूक्षेत्राचे प्रस्तावनेंत 'महाकाव्य रचपा फाटली म्हजी कल्पना' सांगताना नानालाल महाकाव्याची व्याख्या अशी दितात; 'महामनशाच्या पराक्रमांची आनी साहसांची वर्णना करपी कथा' आनी आपले कल्पनेकडेन प्रामाणिक रावून ते आपल्या काव्यांत महायुद्धाची कथा गुंथतात आनी तातूंत श्रीकृष्ण, अर्जुन, भीम, भीष्म, कर्ण हांचेसारख्या मनशांची आनी झुजाऱ्यांची धाडसी साहसां आनी पराक्रम हांची कमी–अदीक प्रमाणांत वर्णना करतात.

नानालालांचे 'कुरूक्षेत्र', १०७०३ ओळींचें आसा. तें बारा अध्यायांत वांटलां. मिल्टनच्या प्रत्येक पुस्तकाचे सुरवेक 'आरग्युमेंट' आसता तेच धर्तेचेर हातूंत दर एका अध्यायाचे सुरवेक ते कथेचो सारांश दिला. घटनेची रूपरेखा, तशेंच ताची पार्श्वभूंय जी सदांच कवितेंत येना तें सगळें जाणा जावपाक ह्या सारांशाचो खूब फायदो जाता.

नानालालांच्या कुरूक्षेत्राच्या पयल्या अध्यायाचो अुपमाथाळो 'युगबदल' असो आसा. श्रीकृष्णाचे बांसरीन हाची सुरवात जाता आनी तातूंत संगीत आनी सुरबूस काव्य अुपाट भरिल्लें दिश्टी पडटा. ह्या अध्यायाचें मुखेल प्रयोजन म्हळ्यार श्रीकृष्णाक 'सुंदर पासून अुदात्तमेरेन रूपकार' चितारप (पा. ९) आनी तो मथुरा सोडून गुजरातेंत वचून रावता हें दाखोवप. हें करपाची प्रेरणा ताका सुभद्रेकडल्यान मेळटा म्हणपाचें श्रीकृष्णावांगडा घडिल्ल्या लांवचे लांव आनी वेगवेगळ्या संवादांतल्यान दिसून येता. आदींच थारायिल्लें आसूं वा नासूं पुण हे समजावणेचो खोलायेन परिणाम जाल्लो दिसता तो थंयच्या अद्‌भूत आनी काव्य–मय रंगांनी चितारिल्ल्या फांतोडेच्या मनभुलायण्या दर्शनान. जेन्ना रात अुलगता आनी दुसरे दिसाची फांतोड अुदेता तेन्ना जसो अेक काळ सोंपून दुसरो सुरू जाता. हो काळाचो बदल श्रीकृष्णाच्या अेका दुसऱ्या आंगाचेर अुजवाड घालपी आसा जेन्ना तो अद्‌भूत मुरली कुशीक दवरून वीरांच्या चक्राक हात घालता आनी गोपियांचो पंगड सोडून झुजामळार वीर जाता.

८९५ ओळींच्या दुसऱ्या अध्यायाचो आरंभ बारा वर्सांच्या काळाअुपरांत सुरू जाता. हातूंत श्रीकृष्ण पांडवांच्या राज्याचो वांटो मागपाखातीर हस्तिनापुरांत कौरवांकडेन अुलोवणी करपाक वता तें दाखयलां. श्रीकृष्णाचो हो यत्न कौरवांच्या हट्टामुखार निष्फळ जाता. कौरव तांकां सुयेच्या तोंकाअितली लेगीत सुवात दिव–पाक न्हयकारतात. युधिष्ठिराकडेन फांशाचो खेळ जिकून हक्कान तें राज्य मेळयलां अशें तांचें म्हणणें आसलें. मागीर निराश जाल्लो कृष्ण परतताना कुंतीमातेक मेळटा तेन्ना ती निर्वाणेचो संदेश कृष्णावरवीं अर्जुनाक धाडटा. तो म्हळ्यार, 'धोणवाचेर बाण चडय आनी झुजाक तयार राव' कारण आतां होच एक स्वाभिमानाचो मार्ग बाकी अुल्ला. पांच पांडव आपणाभितर विचार करतात



अश ह्या अध्यायांत दाखयलां. झुजाबगर दुसरो अुपाय ना अश ते अंतीं अेकमतान थारायतात.

९६३ ओळींच्या तिसऱ्या अध्यायाचो पोटमाथाळो 'निश्चेव' असो आसा. हातूंत पांडवांनी आनी कौरवांनी आपणाभितल्ले मतभेद झुजामळार सोडोवपाचो कसो निश्चेव केलो ते दाखयलां. ताणी तंबू अुबाल्ले. पुण झुजाच्या पयल्याच दिसा कौरवांक मळबांत नकलामी घडिल्ल्याचें दिसलें. लौकिकापरस वेगळी ही तरा महाकाव्याचे परंपरेचो अेक भागूच जावन आसा. ह्याच अध्यायांत द्रौपदीन पांड–वांक होरावणी केल्या. द्रौपदीक आनी पांडवांक कौरवांखातीर कशे तरेचे अपमान आनी अन्याय सोंसचे पडल्यात ते पूर्वप्रसंगचित्रणाच्या तंत्रान प्रभावी रीतीन व्यक्त जाल्यां. द्रौपदीचे होरावणेन पांडवांचें रगत तापता आनी कौरवावांगडा जैत झोमून हाडपाचो तांचो निश्चेव बळिश्ट जाता.

चवथ्या अध्यायाचो पोटमाथाळो आसा 'झूज'. हातूंत जिणेतल्या 'असत' ची विसकाटावणी भगवद्‌गीतेच्या रूपान जाता जी अर्जुनाक तातूंतल्या मुळाव्या नैतिक समस्यांखातीर द्विधा मनस्थितींत वडयता. कुरूक्षेत्राच्या झुजामळाक कवीन अेक वेगळीच व्हड अुपमा दिल्या– काळाचें विशाल तायट. तायटावेल्यो रेगो म्हळ्यार दोन महाशक्तींच्या सैन्यबळाचे मार्ग. ह्या भिरांकूल सैन्य नाटकाच्या मुखेल पात्रांचीं वर्णनाय चितारल्यांत. ह्या सगळ्याचेर जाणट्या भीष्माच्या काव्यमय भाशणाची सया पडल्या.

संहार करपी अस्त्र, केन्नाच ना अुखलपाचो श्रीकृष्णान सोपूत घेतिल्लो पुण ताका हातांत शस्त्र धरचें पडटा हें फुडल्या अध्यायांत दाखयलां. तो रथांतल्यान अुडी घेता आनी आपलें शक्तीमान चक्र घेवन भीष्माच्या आंगार जुडून वता. कारण भीष्म रागिश्ट जावन आपली सेना घेवन पांडवांची झोड काडीत आसता.

सवो अध्याय हीच कथा फुडें व्हरता. शक्तिवान भीष्म जखमी जावन बाणांचे शय्येचेर न्हिदला पुण श्रीकृष्णान सोपूत मोडलो म्हूण तो खूब प्रसन्न दिसता. झुजपी राजपुत्र आनी राजा हे भीष्माभोंवतणी अुबे आसात हें चित्र खूब काव्यमय आनी परिणामकारक. सातव्या अध्यायाचो अुपमाथाळो 'चक्रव्यूव्ह रचना' आनी आठव्या अध्यायाचो अुपमाथाळो 'सांजभास' असो आसा. तातूंतल्या वर्णनाची ओज गती आनी कथा सांगपाची तरा अुल्लेख करीसारखी आसा. अवेळा केल्ल्या सांजेच्या घोळाक फसून द्रोणाचार्य परंपरेप्रमाण झूज थांबोवपाचो आदेश दिता आनी अश्वत्थामाच्या मर्णाची फट खबर आयकता –ह्यो दोनूय घटना द्रोणाचें काळीज हाल्यतात.

भीष्म आणि द्रोण हे दोन अणभवी झुजपी झुजामळावयल्यान ना जातकच रागिश्ट कर्ण झुजामळार येता. णवव्या अध्यायाचो हो माथाळो 'भावाचे बाण' असो आसा. नानालालांची काव्यप्रतिभा कर्णाच्या वीर मर्णाचेर केंद्रीत जाता. कर्णाच्या चरित्राचें चित्रण कवी थोडयाशा काव्यस्पर्शान करतात; पुण तातूंत खरायेची कविकल्पना दिश्टी पडटा. 'काळाचो गजर' हो धावो अध्याय म्हळ्यार झुजाच्या निमाण्या दिसाचें वर्णन तर 'बाणाची शय्या' ह्या अकराव्या अध्यायांत भीष्माचीं अखेरचीं अुतरां आसपावतात. हातूंत तत्वज्ञानाचो भाग आसा. हातूंत मर्णाक तिरस्टत दवरून तो वीर झुजारी संवसाराक संदेश दिता ताचें चित्रण केलां.

'महासुदर्शन' ह्या बाराव्या अध्यायांत महाचक्राचें वर्णन करताना कवी काव्याचे तेंगशेर पावता. आनी चड करून कुरूक्षेत्रांतलो होच सगळयांत अुत्कृश्ट आनी प्रभावकारी अध्याय. हातूंत झुजाचे अखेरेक जैतिवंत पांडव आपल्या हातांतल्यान जाल्लो विनाश पळोवन दुःखान न्हिबळटात आनी पश्चातापान वळवळटात. अितलें मोल दिवन जोडिल्ल्या जैताचो अुपेग कितें ? तांका जैताचेंच मार्णें लागता. खंतीन पिश्यार पडिल्ल्या पांडवांक सत्याचें गिन्यान होलमूचें म्हणून मुनिवर्य व्यास तांकां अेक दिव्य दर्शन घडयता, ताचें भोव सुंदर वर्णन नाना–लालांनी केलां. ह्या दिव्य दिश्टाव्यान पांडवांक कळून येता कि, निर्मणी आनी विलय हे परब्रम्ह्याच्या विश्वनिर्मणेच्या खेळाचेच भाग आसात आनी ते संव–साराच्या अंतिम भल्याखातीरूच आसात. बाकीच्या मनीसप्राण्यांवरीच आमी ते परमशक्तीच्या हातांतली निमित्तमात्र साधनां आसात देखूनूच हे गजालींत सुख आनी दुःख मानपाचें कारण ना. ह्या दिव्य दिस्टाव्या वरवीं नानालालांनी अेक अध्यात्मिक कूटप्रश्न निर्माण केला. हाचेआदीं चवथ्या अध्यायांत जीणेंतल्या वायट प्रवृत्तींचो प्रश्न सोडयताना ताणी हेंच प्रमेय मांडिल्लें. गीतेचे सुरवेक अर्जुना–मुखारय होच प्रश्न आशिल्लो आनी तो सुटावो करपाखातीर श्रीकृष्णान अर्जुनाक 'विराटदर्शन' म्हळयारच विश्वदर्शन घडयिल्लें. नानालालांनी आपणाल्या 'महासुदर्शन' ह्या विभागांत श्रीकृष्णाच्या सुदर्शन चक्राचो प्रतीक म्हण वापर केला आनी तेवरवीं अशें सुचयलां कि, विश्वाचे निर्मणेची आनी विलयाची प्रक्रिया ही पूर्णतायेन वेगळी आनी संबंद नाशिल्ली घटना न्हय तर संवसाराच्या भल्या–खातीर अखंडीतपणान चलिल्ल्या महाचक्राचोच तो अेक भाग.

अध्यायाच्या ह्या भागांत नानालालांनी घडयिल्ल्या विश्वरूप दर्शनांतल्यान भव्यतेचो दिश्टावो घडटा. हें महाचक्र दिगंतरांतल्यान सर्गाच्या दारांत पावता आनी सगळें मळब अजापभरीत अुजवाडान लखलखून वता :



आनी अचकीत जाली कुपांची गरड
सगट ब्रम्हांडांत जालें त्या भयांकृत
आवाजाचें पर्तावण
आनी मागीर
खोल खोल पाताळांतल्यान
वयर आयलें
खर खर अुजवाड फांकारपी महाचक्र
यज्ञांतल्या अुज्याचे जाळयेवरी
वयर वयर गेलें
मळब भेदीत

तेन्नाच महाकवी व्यासाचीं अुतरां कानार सादतात. खंतीन पिचवतल्या पांडवांक सत्य होलमूंचे देखून ते सांगतात –

धर्मराज, पळयात हें महाचक्र !
कुरूक्षेत्राचें हें प्रतिफळ.
तुमच्या काळजांत साठवलां
खंतीचें वीख
पळयात, आतां हें महाचक्र
विश्वाचे निर्मणेचे आनी विलयाचें
सुपुल्ले अणु–तांचे घडटा फातर
फातरांचे दोंगर
फातरांचीच जाता धर्तरी
आनी फातरांचोच जावन चुरो
परत भड्डून वयर सरतात धुल्लाचे कण
हेंच तें महाचक्र
निर्मणी आनी विलयाचें
जल्म आनी मरण ह्या जिविताचो खेळ;
गरड घालपी हें महाचक्र सांगता,
भूपती,
जल्म आनी मरण हांचे पैलाडी
नदर लावन तेळात
थंय आसा अजरंवर आनंद–लोक !

अुपरांत त्या विराट देखाव्यान पांडव दादले आनी बायलां कशी दिपून गेल्लीं आनी अजापभरीत जाल्लीं ताचें वर्णन करून जातकूच कवी फुडें सांगतात–

धर्तरेच्या वाळकांनो,
हें महाचक्रूच जावन आसा
सृष्टीचक्र
पळयात,
ह्या चक्राचो केंद्रबिंदू
तातूंत कोण जाला बिराजमान ?
साक्षात चक्रधारी श्रीकृष्ण

तेन्नाच पांडवांक श्रीकृष्णाच्या त्या रूपाचें दर्शन घडटा, कुपांक चिरून भायर सरपी तेजस्वी सुर्याभशेन आनी ह्या विश्वदृष्टीच्या गिन्यानाचो अुजवाड तांच्या काळ्जांतली खंत बिरगळावन वडयता.

'महाप्रस्थान' ह्या समारोपांत, द्रौपदीबांगडा पांडव हिमालयांत वता तें दाखयलां. नानालालांचें कुरुक्षेत्र हांगांच सोंपता.

हें काव्य बरयताना नानालालांक महाभारतांतली कथा, पात्रां, प्रसंग, घटना आनी वातावरण आपशूंक लाबलें. फक्त अभिव्यक्ती मात तांची स्वताची आसा. नानालालांनी अधिकारान म्हळां, हें महाकाव्य मिल्टनच्या 'पॅरेडायज लॉस्ट' सारकें आसा, पारंपारिक संस्कृत काव्यासारकें ना. कवितेच्या विस्तृत प्रस्तावने–वयल्यान अशें दिसून येता कि, नानालालांक महाकाव्याच्या स्वरूपाची पुराव जाण आशिल्ली. ताणी भारतीय आनी विदेशी महाकाव्यांचो अुल्लेख केला ताचेवयल्यान कळून येता कि, ताणी कांय काव्याचो अभ्यासूय केल्लो तरीलेगीत तांची ही निर्मणी टेनिसनच्या 'इडिल्स'कडेन खूबशा प्रमाणांत जुळसारकी आसा; मात ती कथानकापरस भावकाव्याकडेन चड ओडिल्ली आसात. महाकाव्याविशीं तांचो विचार म्हळ्यार, 'इतिहासाचें स्तवन, महान पराक्रमाचें गायन.' हातूंतल्यान अशें दिसता कि, वीरकाव्य आनी महाकाव्य हांचेमदलो फरक तांका पुरतो खबर नासलो. फिशाल कथनकाराचें काम नानालालांक केन्नाच जमलें ना आनी महा–काव्यांत गरजेन भासपी कथनाचें कसब कुरुक्षेत्रांत सामक्या अुणावान दिसता आनी हे गजालीचें खरेंपण वाचप्यांक कळटा.

काव्याचें वर्गीकरण करप हें अध्यापकांचें आवडीचें काम; आनी कवीन आपणाले रचनेसंबंदी कितेंय जरी सांगलें तरी तें जशाक तशें मानून घेवपाकूच जाय अशें ना. नानालालांनी कुरुक्षेत्र हें आपलें महाकाव्य अशें म्हळां, पुण ताका आमी महाकाव्य मानलें ना तरी कुरुक्षेत्र अेक गीतकाव्य म्हण वाचूंक शकतात– आनी तशेंच वाचूंक जाय. तशें केल्यारूच तातूंत आस्पाविल्लीं खूबशी सुंदर गीतां जीं महाकाव्यांत येतात तीं वाचताना



खटकचीं नात, आनी तांचो रस गीतकाव्यांच्या अुदारणाच्या रूपान पळोवंक मेळटलो. नानालालांची दोलन शैली हातूंत प्रामुख्यान दिश्टी पडटा आनी तांच्यो कविकल्पना हांगा बरेतरेन विकसित जाल्यात. निमाणच्या कांय अध्यायांत तर तांची प्रतिभा सामकीच तेंगशेर पावल्या. पद्य रूपांत महाकाव्य आतां दुर्मिळ. विश्व साहित्यांतल्यान तें ना जालां. नानालालांनी ह्या काव्यप्रकाराक परतून जितेपण हाडपाचो यत्न केलो. घडये नानालाल आपणाक महाकवी लेखचो हे अुमळशिकेन महाकाव्याचे रचनेक लागले आसूंये. 'कुरुक्षेत्रा'क ताणी महाकाव्यच म्हळां. संस्कृतांत दीर्घ स्वरूपाच्या कथानक काव्याक महाकाव्य अशेंच म्हणटात आनी ह्या महाकाव्याचे धर्तेचेर दीर्घ रचना करपी प्रतिभावंत कवीकूच संस्कृतांत महाकवी म्हणटात. आतां बदलिल्ले परिस्थितींत व्हड महाकाव्याक जर 'महाकाव्य' मानलें जाल्यार तातूंत कांय गैर ना. कुरुक्षेत्र वो नानालाल ह्या दोनीच्या बाबतींत तांच्या व्हडपणाविशीं दुबाव ना. कारण नानालाल हे गुजरातेंतल्या म्हान कवींमदले अेक श्रेष्ठ कवी आनी तांचें कुरुक्षेत्र हीवूय अेक श्रेष्ठ कलाकृती– मागीर ताका महाकाव्य म्हणात वो दीर्घ कविता म्हणात.

प्रकरण चवथें

# नानालालांचीं नाटकां

१९०९ ते १९४३ ह्या काळांत नानालालांनी अेका डझनावयर नाटकां बरयलीं. तांच्या नाटकांचे विशय इतिहास, पुराण आनी तांच्या स्वतःच्या कल्पनांचेर आधारीत आशिल्ले. सैम, शार आनी गांव, आदर्श आनी वास्तवताय हाचें चित्रण करपी तांच्या नाटकांनी फाटलो अितिहासकाळ आनी मुखावयलो भविश्यकाळ आसपावन घेतला. तातूंतल्या पात्रांचे सोपेपणी दोन विभाग करूं येतात. कांय नैतिक आनी सामाजिक आदर्श तातूंत दाखयिल्ले आसात. आनी तातूंत साधू, पातकी, सपनपारखी, दृष्टे, सुवार्थी तशेंच आदर्शवादी अशे सगळे वेगवेगळ्या सामाजिक, बौद्धिक आनी अध्यात्मिक थरांचेर वावुरतात. मोग, लग्न, धर्म, सामाजिक आनी मनीसजातीचें कल्याण हांचेर तांचे कथाविशय आटापिल्ले आसात आनी मनीस, समाज आनी संवसार ह्या सगळ्यांचो विकास सादप हो तातूंतलो हेतू आसा. कथा, प्रसंग आनी वातावरणांत गुंथल्या पुण मुळांत कथा–नकाची फास्कीच विस्कटल्या. 'जिणेचो नियाळ' करपी ह्यो कथा अद्भूतरम्य शैलीन वर्णिल्यात. मदीं मदीं गीतां येतात तीं स्वतंत्र आसलीं तरी संदर्भाक सोडून आसात. अभिजात नाटकांतल्यासारको काळ, थळ आनी घटनाक्रम हांचो अेकठांय विचार जावंक ना. मात ह्या नाटकांनी सगळ्याक भावना अेकवटल्यात आनी त्यो प्रभावी तरेन दिसतात. हीं नाटकां कवीन आपल्या भावनापुराय लयबद्ध शैलीन बरयिल्ल्या कारणान परंपरेप्रमाण पद्यनाट्य वा गद्यनाट्य अशें तांचें वर्गीकरण करूंक मेळना.

नाटकां समर्थ नासलीं तरी नानालालांनी प्रस्तावनेंत जीं मतां मांडल्यात ताचेवयल्यान तांच्या नाट्यकल्पनांचेर बरो अुजवाड पडटा. आपलें पयलें नाटक 'इंदुकुमार' हें गीतनाट्यांत पडटा अशें ताणी प्रस्तावनेंत म्हळां. ते शिटकायतात कि, तांच्या नाटकाची तरा शेक्सपियराच्या नाटकांसारकी न्हय, तर शेलीच्या 'प्रोमिथियस अनबाउंड' आनी गेटेच्या 'फाऊस्टा' कडेन ती जुळटा. नाटककार म्हूण शेली आनी गेटेकडेन नातें

जोडपाचो तांचो विचार लटीक न्हय. शेलीसारके नानालाल अद्भूत आदर्शवादी आशिल्ले तशेंच गेटेसारकी नैतिक गंभीरतायेची तांकां जाण आशिल्ली. नानालालांनी कॉलेजांत आसतना शेक्सपियर वाचिल्लो, पुण अिंग्लडचो हो म्हान कवी तांका रूचलो ना. नानालालांचो नैतिक दृष्टीकोण आनी सुधारणावादी हावेस पळयतकूच अशें कित्याक घडचें तें कळपाक लागता. कारण शेक्सपियरामदलें नैतिक सैलपण, मनीसजातीकडेन पळोवपाचो तांचो म्होवाळ दृष्टीकोण ह्या गजाली आदर्श कवीक सोबा दिना अशें ते लेखताले. नानालाल तर आदर्श कवीकडेन अुपदेश करपी, मार्ग दाखोवपी, प्रबोधनकार, प्रेरणा दिवपी म्हण पळयताले.

'बॅक टू मॅथुसेला' ('विश्वगीता' प्रस्तावना पान ११) हाच्या अुल्लेखावयल्यान दिसता कि, बेर्नार्ड शॉ चें नाटयक्षेत्रांतलें काम नानालालांक खबर आशिल्लें. पुण शॉ चो बुद्धिनिष्ठ अद्भूत-विरोधी आनी मोग वा लग्नाकडेन पळोवपाचो जीवशास्त्रीय दृष्टीकोण नानालालांचेर प्रभाव घालूंक शकलो ना. कारण नानालाल ह्या दोनूय नियमांकडेन नैतिक, अद्भूतरम्य आनी आदर्शवादी नदरेंतल्यान पळयताले. हाच्या अुरफाटें, शेलीचो अद्भूतरम्य आदर्शवाद, तांचे मोगाविशींचे विचार, ताचो प्रेषितासारको आवेश, सुधारणावादी अुमेद आनी काव्याची वृत्ती नानालालांच्या दृष्टीकोणाकडेन आनी भूमिकेकडेन जुळप सामकें सभाविक आसलें.

टेनिसनाविशीं नानालालांक आकर्षण आशिल्लें. 'ब्रह्मांडांत प्रेम-लग्नांची सुवात' ह्या लेखांत तें दिश्टी पडटा. नानालालांच्या नाटकांतले प्रेमविवाह आनी दादले आनी बायलो हांच्यामदल्या नात्यांचे विचार टेनिसनाच्या विचारांकडेन खूब लागीं जुळटात. टेनिसनाचे विचार नानालालांक मानवले कारण प्रेमविवाह आनी दादलो आनी बायल हांच्यामदल्या नात्याविशींचे तांचे नैतिक विचार टेनिसनच्या विचारांसारकेच आशिल्ले आनी वैदिक काळापासून ऋषींनी आनी अुण्याअदीक फरकान संस्कृत कवींनी आपणाविल्या प्राचीन भारतीय संस्कृतीच्या संस्काराचेरूच ह्या विचारांची घडण जाल्ली.

शेलीसारकेच नानालाल सपनरंगी आशिल्ले आनी तांच्या सगळ्या नाटकांक सपनरंजनाचो गुण आशिल्लो-सोबीत, अद्भूत आनी कल्पित ! सपनांक काळ, थळ आनी कृती हांचें बंधन नासता, आनी ताची खोलायेन छाप आनी भावनांचो प्रभाव मनाचेर पडूंक शकना. नानालालांनी मार्लोव, शेक्सपियर आनी शॉ हांचो अुल्लेख काळ, थळ आनी कृती हांचो मेळ जाणूनबुजून करूंक ना हें दाखोवपाखातीर केला. खासा कवीन पारंपारिक शैली पयस सारून आपली सुटकावाट केली म्हण त्या म्हान साहित्यिकांमदीं आपणालो आसपाव आसा हाचें



तांका समाधान आसलें. आनीक अेक पावल फुडें वडोवन ताणी नाटकांत फक्त अेकूच छाप घालपी वा अेकूच प्रभाव घालपी अेकतेचें रूजवण केलें. 'विश्वगीता' ही ताची बरी देख.

नाटकांतलो विशय सामाजिक, अितिहासिक, नैतिक वो धार्मिक हातूंतलो खंयचोय आसूं, नानालालांचीं नाटकां अुच्च मनोभावाचीं आदर्श धरतात. पारंपारिक नाटकांनी जशे क्रमान आरंभ, विकास, अुच्चबिंदू आनी फोडणीशी अशे भाग आसतात तशे तांच्या खूबशा नाटकांनी दिसना. आपली कल्पना वो आदर्श मांडपाखातीर अेखादो कवी जसो कथा, पात्रां, संवाद आनी गीतां हांचो आधार घेता तेभशेन तांचें निवेदन. हें सगळें अेकामेकांत अशे गुंथतात कि, तांची रचना तशी पक्की जायना. नानालालांचीं नाटकां शक्य अशक्यतायेचो विचार कडेक सारूनूच पळोवंची पडटात. खरें पळयल्यार नानालालांच्या नाटकांक सदचे नाटकांचे कस लागू पडनात. अेक दोन नाटकांचो आडवाद सोडलो जाल्यार आपलीं नाटकां रंगमंचाचेर कितलीं जैतिवंत जातलीं हाचेविशीं खासा कवीकूच दुबाव आसलो. नानालालांचीं नाटकां शेली आनी टेनिसन हांच्या नाटकांसारकीं रस घेवन वाचूं येतात. कविता आनी नाटक हांचेमदलो तो अेक प्रकार. त्या प्रकाराक अेकुणिसाव्या शेंकड्यांत इंग्लडांत काव्यनाटक वो श्रव्यनाटक म्हणटाले. तांचीं चडशीं नाटकां प्रयोगक्षम जातलीं जाल्यार तांच्यो संहिता परत बरोवन, रूपांतरीत करून संपादीत करच्यो पडटल्यो. नानालालांचें 'शहंशाह अकबर' हें नाटक अशेचतरेन रूपांतरीत करून चंद्रवान सीमलाल मेहता हाणी रंगमंचार यशस्वीपणान सादर केलां. कितेंय आसूं, तांच्या नाटकांचे प्रयोग जावूं वो ना जावूं काव्याच्या रूपांत तांचे मोल अजरंवरूच अुरतलें.

नानालालांच्या नाटकांचे तीन विभाग करूं येतात- सामाजिक, अितिहासीक आनी पौराणिक.

## सामाजिक नाटकां

### १) इंदुकुमार

मोग ह्या विशयाचेर नानालालांनी खूब नाटकां बरयलीं. हातूंतलें 'इंदुकुमार' हें तांचें सगळ्यांत बरें आनी प्रातिनिधीक अशें नाटक. तें १९०९, १९२७ आनी १९३२ ह्या काळांत खिस्तिखिस्तिनी तीन भागांनी अुजवाडाक आयलें. हो विशय कवीन ह्याआदीं आपल्या पयल्या 'वसंतोत्सव' ह्या दीर्घ काव्यांत वापरिल्लो आनी अुपरांत 'ओज अणे अगार' हे अेके दोलन शैलींतले कवितेंतूय ताणी ताचो वापर केल्लो. सगळे नदरेन पळयल्यार 'इंदुकुमार' ही नाटचकृती म्हळचार नानालालांच्या लयबद्ध दोलन शैलीचें अद्भूतरम्याचें,

आदर्शाचें, मोग आनी लग्नसंबंदीच्या आनी सर्वसादारण जिणेविशींच्या विचारांचें सगळ्यांत गुखदिणें अशें अुदारण आसा. कवीची शक्त आनी ताच्यो मर्यादा हाचोय हांगा बरो होलम लागता.

इंदुकुमार हो ह्या नाटकाचो नायक. हो कलाकार नायक खूब वरसां पयस आशिल्लो तो आपल्या जल्मगांवांत परतता. सगळो संवसार परतून पळोवपाचो, तारवान क्षितिजापलतडीन वचपाचो, नवे अणभव जोडपाचो, मनीस आनी शारांचें गिन्यान मेळोवपाचो हावेस ताका लागता. विदेशांत भोंवडी मारून आपणांक जे मोलादीक अणभव लाबल्यात तांचो आदार घेवन जिणेचे नवे आदर्श लोकांमदीं रूजवणा घालचे आनी हो संवसार सुदारचो अशी अुत्कट अिल्ला तो मनांत बाळगिता. नानालालांचो हो नायक नवजागरण करपी शिपायक म्हण वेगळें सांगचें लागना. तातूंतल्या अेका अुलोवपान हे चळवळीचो अुल्लेख ताणी युरोप आनी आफ्रिका ह्या खंडांक व्यापून वडोवपी वादळ असो केलो. ( पा. १३–१४ ). नायक इंदुकुमार ( तरुण चंद्र ) हो कांति ( सोबिताय ) हिच्या मोगांत पडटा आनी ताका फावो तो प्रतिसाद मेळटा. कारण लग्नाविशींचे तिचे मनापासूनचे आदर्श तेच आसतात, आवय–बापायचे पसंतीन न्हय तर ज्या मनशाक आपलें काळीज आनी आत्मो अर्पण केला ताचेचकडेन लग्न जावप. मोग आनी लग्न हाचेकडेन पळोवपाचो दृष्टीकोण ह्या नाटकाक सामाजिक रंग दिता. कारण मोग आनी लग्न हांचेकडेन पळोवपाची ही नवी नदर म्हळ्यार अेक आव्हानूच. हें गुजरात आनी भारतांतले परंपरेआड आसलें. पश्चिमेंत जातभेदां विरयत समाजांत मोग करून लग्नां जावप ही सदचीच गजाल आसली तरी आमच्या देशांत अशें आडवादूच म्हणपाक जाय. हांगचीं लग्नां चड करून आवयबापायचे मान्यतायेनूच जुळटालीं. जातीचें कडक बंधन आनी सवतीनें वैधव्य हाचेआड नवें सामाजिक जागृतायेचें वारें घोळूंक लागनाफुडें गुजरातेंतल्या विचारवंत कवीनी मोग आनी लग्न हाचेर नव्यान विचार करपाक सुरवात केली. तरनाटे चले आनी चलयांचें जिवित आनी तांचे अेकामेकांकडले संबंध हाचेर विचारमंथन चालू जालें. हाचो परिणाम म्हण जावंये, साहित्यांत मोग आनी लग्न हाचें अेक नवें समीकरण मुखार आयलें. स. गोवर्धनराम त्रिपाठी हाणी गद्यांत, आनी कांय काळाअुपरांत नानालालांनी कवितेंत बायलांची प्रतिष्ठा, तांच्या सामाजिक आनी विवाहीक जिणेचो दर्जो हाचेर पोटतिडकेन बरयलें.

नवे जागृतायेसंबंदीची दुसरी गजाल म्हळ्यार बायलांच्या शिक्षणाचो प्रश्न; जाका लागून तीं रूढीच्या बंदपासांतल्यान मेकळीं जातलीं आसलीं. सामाजिक बिचार म्हळ्यार आदर्श प्लेटोनिक मोग, पयल्याच दर्शनांतलो मोग, आपले पसंतीचें लग्न, दादल्यांचे आनी बायलांचे अेकाच विचाराअंतीं जाल्लें आत्मिक



मीलन हांचें चित्र नानालालांच्या नाटकांत आनी कवितांत पडबिंबीत जालां. 'इंदुकुमार' नाटकांत हे अुद्देश नानालालांनी आपल्या पात्रांवरवीं अुबे केल्यात. पुण हीं पात्रां म्हळ्यार नानालालांची मतां पटापट अुलोवन दाखोवपी बावलीं कशीं जाल्यांत. 'जंय जंय मोगाचें लग्न जुळटा थंय थंय धर्तरेचेर सर्ग देंवता' ( भाग १, पान ६० ) हाचो आपरोस असो : 'सामाजिक विचारवंतांनी मोगाच्या लग्नाचो पुरस्कार केलो ना जाल्यार तातूंतल्यान आडेचीं कागदी फुलझाडां निर्माण जातलीं आनी तांची संतत सत्वहीन, जीव नाशिल्ली म्हणजेच कागदी फुलांसारकीच निपजतली' (भाग १ पान ६१). तेखातीर नानालालांच्या नाटकांतले नायक आनी नायिका मोगाच्या आधारान 'धर्तरेचेर सर्ग फुलोवपाक' वावुरतात. कारण 'सगट संवसारांत मोगाचेंच राज्य फांकलां' ( भाग १, पान १०९ ).

ह्या नाटकांतलें नेपाळी जोगिणीचें पात्र म्हळ्यार कवीच्या विचारांचें माध्यम. भारतांतल्या राजकीय आनी सामाजिक परिस्थितीविशीं ती येवजीत आसता आनी तिच्या मनांत भारत, युरोप आनी अमेरिका तेचवरी आंतरराष्ट्रीय अितिहास आनी राजकारण हेविशीं मंथन चालू आसता. 'संवसाराच्या इतिहासाचें केंद्र आशिया आनी आशियाच्या इतिहासाचें केंद्र भारत', अशें म्हणत नेपाळी जोगीण भारताची तोखणाय करपी लांबचें लांब अुलोवप करता आनी हेंच पालूपद नाटकाच्या दुसऱ्या अंकांतूय घोळयत रावता ( भाग २, पान ६०–६५ ). पयल्या संवसारीक झुजाअुपरांत जे बदल घडले ताचेंय वर्णन ती करता. कारण नाटकाच्या पयल्या आनी दुसऱ्या भागाच्या अुजवाडावणे मजगतीं हें झूज जावन गेल्लें आसता. ह्या संवसारीक झुजाक लेखून कवीन नेपाळी जोगिणीच्या तोंडांत अुतरां घातल्यांत तीं अशीं 'विनाशाची मस्ती कशेंपरी ना करची हो आयच्या संवसारामुखाबयलो व्हड प्रश्न !' (भाग २, पान ७४). हो विचार आपणायिल्लीं ह्या नाटकांतलीं पात्रां 'संवसारातल्या दोंगर–पर्वतार भोंवतात आनी थंयच्या जुनाट कोयराच्यो राशी लासून गोबर करतात' (भाग २, पान ७९). पोरणे आनी काळाभायरें लासून गोबोर करपाची घटना म्हणजे सगट संवसार सुदरावपाच्या वावराचो प्रतिकात्मक असो आरंभूच. ह्यावेळार नायिका कांति अुदेत्या वसंताचें गीत गायता, हें गीत म्हळ्यार अर्थातूच पुनरजागृतायेच्या आगमनाचें प्रतीक रूप.

नाटकाच्या तिसऱ्या अंकांत अेका साधूचें पात्र आयलां. तो साधू अेके दोंगुल्लेर 'वसंत मंदिर' नावाचें अेक देवूळ अुबारता. ह्या अंकाचो सबंद चवथो प्रवेश वसंताच्या तत्वगिन्यानान भल्ला. नाटकाचो नायक इंदुकुमार अेका 'नव्या मंदिरा'चो मुखेली जाता आनी 'समजिकायेचें युग' निर्मुपाखातीर, तो 'विश्वाच्या विकासांत अुपनिषदां आनी पुर्विल्ल्यो परंपरा हातूंत आविल्ल्या विचारांचे बीं रूजवणा घालता' (भाग ३, पान १२६).

'इंदुकुमारा'तलीं पात्रां मुळांत अेकविचार, वो भाव वो आदर्श हांची प्रतिकां जावन येतात आनी तीं आपणालीं खाशेलेपणा दाखयतात. नाटकाच्या रूपान सनातन आनी मुळावे प्रश्न मांडपाचो यत्न जाला. आपलो देश आनी काळाची फास्की सांबाळून कवी विशयाक व्यापक रूप दिता. ताका लागून देश आनी काळ हांच्यो सीमो हुपून वचपांत हें नाटक जैतिवंत जालां.

'इंदुकुमार' नाटक 'मोग' ह्या विशयाचेर रचलां. कुडीची ओड ते मोगाच्या अुदात्त रूपामेरेनचीं विंगड विंगड तासां तातूंत दाखयल्यांत. मोगाचे अुंचेले आदर्श नायक आनी नायिका मजगतीं दाखयल्यात. लग्ना अुपरांतचो सुखदिणो मोग 'यश' ह्या पात्रावरवीं चित्रायला. 'विलासू' हें पात्र वासनेचें दर्शन घडयता तशेंच 'प्रमद' पात्र लग्नाबगरच्या वासनेच्या संबंदाक लागून जावपी प्रेमाचो विद्वाट दाखयता. संवसाराचो त्याग केल्ली 'नेपाळी जोगीण' वैश्विक मोगाची कुरू जावन वावुरता. भौतेक सुवातेर ती वेगळ्या रूपांत कवीचें व्यक्तिमत्वच मुखार हाडटा. आनंद भगत ह्या पात्राच्या नांवावयल्यानूच ताचो सभाव भक्ति आनी खोस हांचो पुरस्कार करता हें दिसता. हांतून खूब किरकोळ पात्रां आसपावतात. तातूंत खेळकर सभावाची ल्हान चली, तिच्या पिरायेच्या मानान आडेची समजिकायेची दिसता. चड करून नानालालांच्या काव्यांत आनी नाटकांत जिणेंतल्या काळ्या आनी अभद्र गजालींक सुवात नासता. पुण 'इंदुकुमारां'त हें 'कोडूकाम' ते टाळूंक शकले नात. वासनेचे भकीक पडिल्ले दादले आनी बायलो हांकां भोगाची लालसा, जनावरासमान कशी वागयता ताचें चित्रण बारीकसाणेन आनी फोडणिशी करून ताणी पात्रांवरवीं रंगयलां. पुण आयच्या काळांतले बरेंचशें लेखन ज्या अर्थान वास्तववादी साहित्य म्हण खपून वता त्या अर्थान नानालाल वास्तववादी लेखक केन्नाच नासले. नानालालांचे जिणेचो आदार म्हळ्यार नीत आनी जिणेचीं बुनयादी मुल्यां आनी देखूनच तांच्या नाटकांतलें विलासू पात्र सदांच भोगांत बुडून अुरना तर अखेरेक तें बरी चलणूक आपणावन 'आनंदिनी' जाता.

नायिका कांति नितीभायरी कशी जाता आनी दुबळ्या खिणांक प्रमादाचे भकीक पडून कशेंपरी भोगाच्या जाळ्यान घुसपता ताचें चित्रण बेसबरें जालां आनी तें वास्तवतायेच्या कसाक अुतरता. ह्या नितीच्या भश्टकाराखातीर कांतीक खूब व्हगडावचें पडटा. इंदुकुमार कांतीचेर मोग करता. कांतीय ताचेर अुपाट मोग करता. पुण तो अेक हावेसान भरिल्लो तरनाटो. अेकेवटेन व्यापक अशे सामाजिक लागणूकेखातीर गरज तो आत्मसंयम आनी दुसरेवटेन व्यक्तीगत भाग्याखातीर मोग करून लग्नाअुपरांतचें जिवित सारपाची कल्पना ह्या विचारान तो हुमकळणेक लागता. पुण अखेरेक तो सगळ्याचेर अुदक सोडटा आनी अेक नवें



मंदिर रचून विश्वाच्या आध्यात्मिक वावराक लागता. हें मंदिर वसंताच्या अजरंवर चैतन्याक ओपिल्लें आसता. नायकाचे मर्दीं हो बदल अचकीत घडटा आनी नायिकेची नितीआड चलणूकय तितलेच अचकीतपणी घडटा. अकस्मात घडिल्ले हे घडणुकेचो परिणाम म्हण नायिका खंतीन आनी पश्चातापान हुलपता आनी मनशाचे कुडीकडेन संबंदीत आशिल्ल्या मोगाकडेन आनी लग्नाकडेन तिरस्कारान पळयता. आपलेमदीं निरखून पळयल्या अुपरांत नायिका संवसाराचो त्याग करता आनी जिवितांतल्या अतिअुंचेल्या हावेसाखातीर नायकावरोबर आपणांक समर्पित करता. अशे तरेचो नाटकाचो शेवट घडये वाचप्यांचे रूढ 'गोड शेवट' कल्पनेंत बसचोना. ह्या प्रेमनाटयांत नायक–नायिकेचें मीलन अद्भूतरितीन जावन शेवट सुखान्त जांव येतालो आनी वाचप्यांक संतोस लावूं येतालो पुण नानालालांक प्रेमांतली अेक वेगळी आनी नवी शक्यताय मांडपाची आसली. ती म्हळ्यार व्यक्तिगत आनी शारिरीक थरापरस अुंचेली अशी प्रेमभावना.

ह्या नाटकांत खूब गीतां आसात. अेकाच तिसऱ्या अंकांत आठ्ठीस गीतांचो आसपाव केला. ह्या गीतांक लागून नाटकांक फाव ती गती मेळटा अशेंय ना. मूळ नाटकाकडेन तांचो लागींचो संबंदूय येना. मात काव्य आनी संगीताचे नदरेन तीं गीतां आकर्षक अुतरल्यांत. २३ वर्सांच्या काळांत हें नाटक तीन भागांनी पसरट स्वरूपांत बरोवन जालां. नाटकातलीं पात्रां खंयच्याखंयच्यातरी विचारांचें समर्थन करता आनी त्या वेगळेपणावरवीं तांकां वळखुपाक सोपें जाता. कवीचे खाशेले दोलन शैलींतले संवाद आनी स्वगत अुलोवपां केन्ना केन्ना तातूंतल्या अुपाट काव्याक लागून ओड लायतात. नायक आनी नायिकेचीं कांय स्वगत अुलोवपां आनी संवाद हेच पद्धतीचे आसात. तातूंत दोगांयचें आत्मचिंतन आनी मंथन आयलां. 'इंदुकुमार' नाटक रंगमाचयेर केन्नाच आयलें ना. भौतेक तें प्रयोगाचे नदरेन चड व्हड आनी पसरट आशिल्ल्यान कडेक पडलें आसूं येता पुण शेलीचें 'प्रोमिथियस अनबाअुंड' वो गेटेचें 'फाऊस्ट' हीं नाटकां रंगमाचयेर येनाआसतना लेपीत वाचप्यांक काव्यनाटकाचो आनंद दितात तशेच तरेचो आनंद हांगा 'इंदुकुमार' वाचप्यांक दिवंक शकता.

२) **जया–जयंत**

नानालालांच्या नाटकामदलें 'जया–जयंत' (१९१४) हें नाटक ताणी आपणाल्या अेका अिश्टाचे सुचोवणेवयल्यान रंगमाचयेर हाडपाखातीर बरयिल्लें. तांगेले पुतणयेन आजल्म ब्रम्हचर्यव्रत अपणायिल्लें ताचेचवयल्यान तांकां ह्या नाटकाचें कथाबीज सांपडलें. हें नाटक रंगमाचयेर आयलें. तेखातीर ताणी खूबूच कश्ट घेतले. नाटकाचो आकृतीबंध बरो जावंचो देखून ताणी मुखेल कथावकाक

समांतर अशें दुसरें कथानक जोडलें. उपकथानकूय घातलें आनी कांय नाटयमय घटना, प्रसंग आनी काव्यमय गीतांचोय आसपाव केलो. संस्कृत नाटकांचे धर्तेचेर तांणी कांय अ–सैमीक पात्रां आनी आवाज हांचीय योजना केली. तांच्या बाकीच्या नाटकांकडेन ह्या नाटकाची तुळा केल्यार ह्या नाटकांक ओग आनी गती बरी आसा म्हणपाचें दिसून येता. तेचवरी पात्रांच्या सभावाचें रेखाटपूय अुजवें थरलां. नाटकाचो विशय मोग आनी लग्न होच आसा. ह्या विशयाच्यो विकृतपासून अुदात्त मेरेनच्यो सगळयो अवस्था तातूंत आयल्यात. हो विशय मांडटाना नानालाल भर दिवन सांगतात 'सूक्षीम मानसीक सत' हांगा मांडला. 'मोग म्हळयार निखटी शारिरीक संवेदना न्हय तर तातूंत आत्मिक रूपान नीतळ आनी अतिअुंचेले तत्व आसपावलां.' कवी मुखार म्हणटा 'दोनूय मोगी जीवांच्या मीलनाची अखेर कुडीच्या भोगांतुच जावपाक जाय अशें सैमीक बंधन थंय ना.' (प्रस्तावना, पान ६). नायक 'जयंत' आनी नायिका 'जया' हांच्या रूपान हीच कल्पना नाटकांत रंगयल्या. 'इंदुकुमार' नाटकांत ह्या विशयाक नाटककारान हात लायिल्लोच, पुण हांगां तोच विशय कांय वेगळया तासांनी मांडला.

नाटक घडटा अेका दोंगराळ वाठारांत. थंयची राणी येवजिता, आपले धुवेचें लग्न गिरेस्तकायेन भरिल्ल्या राजकुंवर काशिराज हाचेकडेन जुळचें. राजाचो हे गजालीक विरोध आसता पुण राणी त्या विरोधाक लेखिना. जया, जयंताच्या मोगांत पडिल्ली आसता. आपणावयली लग्नाची बळजबरी तिका टाळपाची आसता देखून ती घर सोडटा. ही खबर कानार येनाफुडें जयंत तिचे सोदीक लागता. भोंवतां भोंवतां ताका अेक देवरुशी भेटटा. ते ताका सांगतात, जें तुकां धर्तरेर मेळूंक ना तें सर्गांत लाबतलें. जयंत तांगेल्या—हरिकुंज आश्रमांत ध्यानमग्न जाता. आत्मीक गिन्यानाचो लाब मेळून लेगीत जयंताक दिसता, आपुण अदंकुटो आसा, आनी त्याखातीर आपुण विश्वाच्या अुद्बोधनाचो वावर मुखार व्हरूंक शकचोना.

त्याच वेळार अेक सुखदिणी गजाल घडटा. आश्रमांतले कांय लोक जयाक न्हंयेंत बुडटा आसताना वांटायतात आनी सुदबूद नाशिल्ले अवस्थेंत तिका जयंता मुखार हाडटात. सावुद्धीर येतकूच दोगांय अेकामेकांक मेळटात. जयंत कांय खीण जयाचे कुडीचे सोबितायेन भुल्लूलता. पुण तेच घटकेक भानार येवन तोल सांबाळटा आनी आपणाल्या आत्मीक वावराचो निश्चेव प्रगट करता. तो जयाक आपली आत्मीक सांगाती मानता. तेन्ना जयंत आनी जया शारिरीक लग्नाचो विचार कडेक सारून आत्मीक लग्नाचो विचार घट करतात. न्हंयेचे अैलाडीं, पैलाडीं दोगांयचे दोन वेगवेगळे आश्रम अुबारून विश्वाचें आध्यात्मिक कल्याण सादपाचो तीं संकल्प सोडटात.



नाटकाच्या समांतर कथानकांत अशें घडटा : जयाकडेन जाचें लग्न जावपाचें आसलें तो काशिराज, मार्गांतल्यान वतना शेवती नांवाचे अेके सोबीत ब्राम्हण कन्येकडेन ताची भेट जाता. ती अेका तीर्थस्थळार पुजारीपण करपी तीर्थगोर नांवाच्या ब्राम्हणाची धुव. काशिराज तिच्या मोगांत पडटा आनी तिका लग्नाचें अुतर घालता. शेवती बापायचे घर सोडून पळून वता आनी मागीर ताचेकडेन लग्न जाता. ह्या नाटकांत काशिराज राजधर्माचें रूप मानलां, जशेपरी जयंत हो आत्मीक अुद्बोधन आनी ब्रम्हचर्याच्या नीतीतत्वांचो अवतार मानला. काशिराज क्षत्रीय जाल्यार शेवती ही ब्राम्हणकन्या. तांगेलें हें आंतरजातीय लग्न म्हळयार भारतभूयेक अेक शुभशकून अशें दाखयलां. कारण दोगांयचे लग्न म्हणजे अेकामेकांवयल्या नीज मोगाचें फळ.

अुपकथानकांत वामाचार्य, तीर्थगोर आनी अेक नाचपीण हांच्यो कथा आसात. तीर्थांचे सुवातेर जीं पापां आनी भश्टकार जातात तांचे नमुने म्हळयार हीं पात्रां. समाजांतल्या नश्टया प्रवृत्तीचें दर्शन घडोवपाक वो त्यो आसा म्हण सांगपाक नानालाल मातलेगीत बाडगना पुण अखेरेक नश्टया आनी पाडया प्रवृत्तीचें जैत जाता अशें मात ते दाखयनात. आघात सोंसून आनी पश्चातापाक पावून मन आनी सभाव बदलून वायट पात्रां अुजूमार्गार येतात म्हणपाचें ताणी दाखयलां. अशेतरेन वायट वृत्तीच्या पात्रांचो अुद्धार जाता. शेवटाक वामाचार्याक समजूंक पावता कि, आपणें आपणायल्लो मार्ग हो पापाचो मार्ग. आपणाले धुवेक काशिराजान पळोवन व्हेली हे गजालीचो तीर्थगोराक पयलेच खेप जबर धक्को बसता. पुण ताचेंच मन ताका खावपाक लागता. कारण आपलेच भयणीकडेन तो बांकडे नदरेन पळयतालो. नाचपिणीक आपणाल्या हळशिकावण्या जिविताचो वीट येता आनी तिच्यांत मनबदल जावन ती अुजू मार्गाक लागता.

अशेरितीन अेका 'नाटकाक' फावो त्यो सगळयो गजाली हातूंत आसात. संस्कृत नाटकांनी आनी अभिजात महाकाव्यांनी जशीं अतिमानवी तत्वां आसतात तींवूय हांगा वापरल्यांत. दिव्य अशी आकाशवाणी जावप, जयंताची अजापभरीत सर्गींची भोंवडी, देवरुशींकडलें ताचें झूज आनी देवर्षिवरवीं भूत, वर्तमान आनी भविश्य अशा त्रिकाळाचें घडयिल्लें विराट दर्शन तातूंत दाखयलां.

नाटकांतल्या पात्रांचें सोपेपणी दोन विभाग करूं येतात— सत आनी असत प्रवृत्ती. नश्टया प्रवृत्तींचो मनबदल जाता आनी सत प्रवृत्ती जैतिवंत जातात. नाटकाचे नैतिक फास्केंत तें बेसबरें बसता. कारण नाटकाचो संदेशूच असो— दादलो आनी बायल हांच्या संबंदाचो शेवट कुडीच्या मीलनांतुच जावपाक जाय अशें ना तर अेका आत्म्याचें दुसऱ्या समान सभावाच्या आत्म्याकडेन जाल्ल्या मीलनांक चड म्हत्व आसा. हें नाटक लग्नाच्या आड ना. फक्त तें अेक नवें तास दाखयता, इतलेंच.

चड करून ‘ जया–जयंत ’ हें नाटक  नानालालांचें सगळयांत चड नांवांजतें आसूंक जाय. मनाची पकड घेवपी बरेच संवाद आनी स्वगत अुलोवपां तातूंत आसात. जया–जयंत अेका हंसाचे जोडयेकडेन मजेंत खेळटा तो देखाव मनभुलायणो जाला. त्रिकाळ दर्शनाचो प्रसंग तर कांय वेळार ‘ कुरूक्षेत्रां ’ तल्या ‘ महासुदर्शना ’ च्या देखाव्याची वा गीतेंतल्या ‘ विश्वरूप दर्शना ’ ची अुंचाय गांठटा. नाटकांत काळजाचो थाव घेवपी जायतीं गीतां आसात. कांय थोडीं अुखलापी ‘ नाटकी ’ य आसात. नाटकांत जीं बरीं गीतां आसात तातूंतलें बऱ्यातलें बरें गीत म्हळयार आदीं अुल्लेख जाल्लें जयंताच्या तोंडातलें गीत. जया ल्हवू ल्हवू सावुद्दीर येता येतां ल्हवपीकपणी दोळे अुचते करूंक लागता तेन्ना तिज्या तेजस्वी सुंदर दोळयांकडेन पळयत पळयत जयंत गीत गावपाक लागता.

मळबांत वीजेचें जोगूल
तशी चमक तुज्या दोळयांत
अजापीत हांव, नतमस्तक तुज्यासामकार.

हांगा मोग शारिरीक आनी ऐहिक शिमो हुपता आनी ताका अेकेतरेचो आध्यात्मिक अर्थ लावता. ‘ जया–जयंत ’ नाटकांत सुंदर गीतां, मनाक थरथरो हाडपी आनी अलौकीक घडणुको, अभिनयाक संद आनी नाटकाक गती दिवपी कथानक ह्या सगळयांचो मेळ जरी आसलो तरीलेगीत रंगमाचयेर हें नाटक सादर करपाक कितलें योग्य आसा हाचेविशीं खासा नानालालांकूय दुबाव आसलो ( ‘ जया–जयंत’ प्रस्तावना, पान ६ ). ‘जया–जयंत’ नाटक खूब व्हड आशिल्ल्यान रंगमाचयेर हाडपाक खऱ्यानीच कठीण; पुण प्रयोगाचे नदरेन ताचेकडेन पळयनासतना अेक काव्यनाटच म्हण वाचलें जाल्यार तातूंतलें सुरबूस काव्य, नाट्यमय घडणुको आनी देखाव, मन ओडून घेता.

३) प्रेम –कुंज

नानालालांच्या अैतिहासिक नाटकांचेर नदर मारचेपयलीं तांगेल्या हेर तीन सामाजिक नाटकांचो अुल्लेख करप गरजेचें. ह्या तीनातलें पयलें ‘ प्रेम–कुंज ’ (१९२२). ह्या नाटकाचे प्रस्तावनेंत नानालालांनी म्हळां, ‘ ह्या संवसारांत जिणेतलो अुखलापो मोग हो चलनी नाण्यासारको चलत आशिल्ल्यान जीवनांतलो खरो मोग म्हळयार कितें हें परत अेक फावट सांगपाची गरज अुप्रासल्या. देखुनूच अेखादी नीजमोगाची कथा सांगून वाट चुकिल्ल्यांक सारकी दिशा दाखोवन दिवप आयच्या काळाची गरज. ’ हें नाटक तातूंतले प्रेमकथेवरवीं ‘ पालवलेली मोगाची जोत कशेतरेन परतून पेटोवन ती मोगाच्या मंदिरांत कशेतरेन परजळीत अुरता, ’ तें सांगूंक सोदता. अशेतरेन आपलो अुद्देश आनी हावेस दाखोवन दिवन नानालाल



मुखार फोडणिशी करून सांगतात कि, जायत्या तरेच्या लोकांक आनी प्रदेशांक भेट दिवन हॉली ग्रेलच्या सोदाक भायर सरिल्ल्या सर गलहडप्रमाण आपलो नायक आपलो हावेस पुराय करून जैतवंत जावन परतता. अेखादे नितिकथेसारकें वा रूपककथेसारकें हें नाटक अखेरेक मोगाच्या तोखणाय गीतान सोंपता. अशेतरेन मोगाच्या मंदिरांत, मोगाची जोत परत परजळपाक लागता आनी प्रतीकरूपान सगळे धर्तरेचेर निजाच्या मोगाचें राज्य चलपाक लागता.

नायक आनी नायिका अंकवार रावपाचें स्वीकारूनय अेकामेकाच्या मोगाक ओंपून घेतात. नाटकांतलो राजकुंवर अेके गांवगिरे चलयेचो मोग करता आनी तिचेलागीं लग्न जाता. तो फकत जातीचे बंदपासूच न्हय तर गरीब आनी गिरेस्त हांचेमदलो भेदूय तोडून वडयता. मोग करून लग्न जावपाच्या आड नानालालांचे विचार नाशिल्ले म्हणपाचें ह्या कथानकावरवीं दिसून येता. ‘ जया–जयंत ’ आनी ‘ प्रेम–कुंज ’ ह्या दोनांयचो मुदलचो विशय अेकूच आसा हें खरें पुण प्रेम–कुंज नाटकाक खाशेलें कथानक आसा. तातूंत कवित आसा आनी कवीन काळजाचे अुत्कटतेन अुबी केल्ली खरीखरी सैमाची पार्श्वभूंय आसा.

४) गोपिका

‘ गोपिका ’ (१९३५) हें रंगमाचयेर प्रयोग जाल्लें नानालालांचें आनीक अेक नाटक. तांगेले धुवेनच ह्या नाटकांत मुखेल भूमिका केल्ली. सैमाचे पार्श्वभूंयेचेर निर्माण केल्ल्या ह्या नाटकांत नानालालांक युरोपांतल्या बागवगीच्यानी सजिल्ल्या शारांवरी दिसपी अेक आदर्श गांव अुबें करपाचें आसलें. नानालालांनी ह्या नाटकांत शारांतल्यो अडेच्यो गजाली आनी संघर्ष हांचेर भर दिला आनी गावांतली दर्शेक पाविल्ली आर्थिक स्थिती, शेताची वायट अवस्था, शिक्षणाचो अुणाव हाचें दर्शन घडयलां आनी अशें सुचयलां, हें शार आनी गांव हांची वायट अवतिकाय जर सुदरावपाची आसत जाल्यार शारांतल्यो बऱ्यो गजाली गांवांत आनी गांवांतली तत्वां शारांक लागू करून सगळयांची पुनरर्चणूक करची पडटली.

५) जगत् – प्रेरणा

‘ जगत्–प्रेरणा ’ (१९४३) नाटकांत मनशाच्या जिविताफाट्ल्यान जो अज्रंवर प्रेरणेचो झरो व्हांवता ताची चिकित्सा आनी वळख घडयल्या. ‘पराक्रम ’ नांवाचो नायक सगळो युरोप, अमेरिका आनी जपान हांगा भोंवडी मारता आनी थंय नितिमत्तेचो सामको अिबाड जाल्लो पळयता. ‘ मनीसपणाची अेकूच सुवात आनी ती म्हळयार भारत ’ हाचो दिस्टावो जावन तो घरा परतता. नायक परत ‘ काळण्या संवसारांत अुजवाड दाखोवपाच्या ’ साहसाक लागता. अखेरेक

तो अुपाट गिन्यानी जावन परतता. मागीर तो नायिका 'ज्योतिका'कडेन लग्न जाता. कवी हांगा परतून सुचयता कि, दादलो आनी बायल वेगवेगळीं रावन जीवनांतले हावेस पुराय करपाक पावना. नाटकाचो संदेश असो आसा– संवसारांतल्या सगळ्या लोकांनी कूड आनी आत्मो, बायल आनी दादलो, अुदेंत आनी अस्तेंत, भौतिक आनी अध्यात्मिक, भोग आनी त्याग हे सिद्धांत समजून घेवंक जाय आनी तांचो अेकवट आनी फोडणिशी करपाक शिकूंक जाय. नाटकांत खूब गीतां, कांय रंगीत देखावे आसात, तातूंत अेका सिंहाचोय देखाव आसा आनी गिरनार पर्वताचें सोबीत वर्णन आसा.

## इतिहासिक नाटकां

नानालालांच्या अितिहासिक नाटकांत, 'जहांगिर–नूरजहां' (१९२८), आनी 'शहंशहा अकबर' (१९३०) हीं सगळचांत अुजवीं. अितिहासिक नाटकांतले प्रसंग आनी पात्रां अितिहासाकडेन प्रामाणिक आसूंक जाय अशें नानालाल मानताले पुण हांगा तांचो उद्देश अितिहासाच्या सत्याचो कवितेंतल्या सत्याकडेन मेळ सादपाचो आसलो. अितिहास हो नानानालांच्या विद्यापीठांतल्या शिक्षणाचो विशय आसलो आनी ताणी मोगल काळांतल्या अितिहासिक घटनांची वरीच म्हायति खूब जतनायेन अेकठांय केल्ली हें दिसून येता. ह्या रचनांत नानालालांनी फारसी अुतरांचो मेकळेपणी वापर करून फावो तें वातावरण तयार केलां आनी शिवाय चित्रमय तरेन अितिहासाकडेन फटींगपणा करीनासतना कल्पनाशक्तीच्या बळार मोगल दरबारांतलो थाटमाट आनी वैभव अुबें केलां. मोगल अितिहास वा मुस्लिम संस्कृतींत कवीचें पावल म्हळ्यार तांचेखातीर अेक नवें क्षेत्र आसलें. ताका ते 'अिस्लामी संस्कृती आनी धर्म समजून घेवपाचो आनी दुसऱ्यांक समजावपाचो अेका भारतीयाचो अेक प्रामाणिक यत्न' अशें लेखताले.

हे बाबतींत नानालालांचें प्रामाणिकपण आनी योग्यताय हांचेर दुबाव्ं नजो. अितलेंच न्हय, नानालालांक जहांगीर आनी नूरजहां हांचेविशीं पुराय आपलेपण आसलें. कवीचे नदरेन तें अेक आदर्श अशें मोगी जोडें. तांचे नदरेन अुपाट गिन्यानी अकबर हो सांस्कृतीक अेकचाराचो पुरस्कर्तो आनी हो विशय नानालालांच्या सामको आवडीचो आसलो. नानालालांचें म्हृणणे, 'सत्य आनी काव्य हांची फोडणिशी सगळ्या संवसारात दुर्मिळ', पुण ते भर दिवन सांगतात कि, आपणाल्या ह्या नाटकांत ही दुर्मिळ वस्त दाखोवपाचो यत्न जाला ('जहांगीर–नूरजहां' पान २१). अितिहास आनी काव्य वा घटनांतलें सत्य आनी कल्पनेंतले सत्य हांचो संमेळ सादपाचो नानालालांचो अुद्देश आशिल्लो जाल्यार तो ह्या अितिहासिक नाटकांनी दुबावाविरयत सादला. हांगां फक्त अितिहासूच न्हय तर काव्यूय दिसता वा नानालाल खासा म्हणटा तेप्रमाण 'अितिहासाचें काव्य' आसा.



### 'जहांगीर – नूरजहां' आनी 'शहंशहा अकबर'

नानालाल सांगताले, 'काश्मिरच्या सैमीक सोबितायेअितलीच जहांगीर आनी नूरजहां हांच्या शाही मोगाची काणी अपूर्व आसा.' 'ताजमहाल' कवितेवरवीं कवीन अेका शाही मोगी जोडयेक आपली श्रद्धांजली ओंपिल्ली. ह्या नाटकांत जहांगीर आनी नूरजहां हांचें चितारप समर्पित मोगी अशा रूपांत जालां. आदले श्रद्धांजलीचें हें व्हड रूप. नाटकाची कल्पना आनी सादरीकरण शृंगारीक पद्धतीचें आनी कवीन हो शृंगारीक प्रेमाचो सुपुल्लो संवसार झगडीं झुजां आनी वास्तवांतली पाडीं कर्तुपां हांचेपासून कडेक दवल्ला. दरबारी कारस्थाना आनी झुजाच्यो गर्जना हांचे काळे सावळेंत हें सोबीत शृंगारीक वातावरण दुशीत जावंचें न्हय म्हण घडये नानालालांनी अशी जतनाय घेतल्या आसत.

आपणाल्या अितिहासिक नाटकांनी नानालाल महामनशांच्या आत्म्याचें, तांच्या युगाचें आनी समस्त अितिहास संचलीत करपी 'कालतत्वाचें' चित्रण करपाक सोदताले. ('जहांगीर – नूरजहां' प्रस्तावना, पान २१–२२.) नानालाल चड करून 'अकबर' रचनेंत हें दाखोवपाक शकल्यात. हांगां 'महान' अकबराचें व्हडपण दाखयतना फकत अितिहास ग्रंथांत दिल्ल्या प्रसिद्ध प्रसंगाची लांबचेलांब वळेरी दिवंक ना तर अकबराची संवेदनशीलता, तागेलें दृष्टेपण आनी धर्मांकडेन ताची जातीविरयत नदर दाखयल्या. ताचें खरेपण तागेल्या धर्माचो आसपाव आशिल्ल्या 'दिनेइलाही' च्या स्थापनेतल्यान दिसून येता. नानालालांनी ह्या चित्रणाचेर भर दिला. 'टेनीसन'ची कविता 'अकबर्स ड्रीम' आनी 'फ्लोरा स्टील'ची नवलकथा 'अे प्रिंस ऑफ ड्रीमर्स' ह्यो दोनूय रचना नानालालांच्या आदल्यो. अेका विभूती पूजकाची आपले विभूतीकडेन पळोवपाची भावना आसता तशेतरेन नानालालांचो दृष्टीकोण हांगां ह्या रचनांकडेन जुळटा, घडये ह्याच दृष्टीकोणाक लागून नानालालांनी अेका अितिहासिक नाटकांतूय अकबरासंबंदी चमत्कारीक गजाली भरशिल्यात. अकबराच्या जल्माची काणी आनी योग्याकडेन तांची भेट ह्यो अितिहासीक आदार नाशिल्ल्यो गजाली दंतकथेचेर पातयेवन नाटकांत घातल्यात. वेगवेगळ्या संस्कृतींचो, धर्मांचो, कलांचो, साहित्याचो आनी जमातींचो संमेळ अकबरामदीं जालां म्हृणपाचें नानालालांक दिसून आयलें. अकबराचो अुद्देश आनी नदर पळयतकूय नानालालांच्या मोगाक अितलो ओतो आयलो कि, हें नाटक म्हळ्यार अकबराचे यादस्तीक रचिल्लें अेक गीतूच कशें जालें. खरेपणीं हें नाटक म्हळ्यार अकबराची व्हडपणां गावपी अेक गीतांची श्रद्धांजलीच. नानालाल एच. जी. वेल्स हांचो अुल्लेख करून सांगतात : 'अकबर अितिहासाच्या मूळ आदारांतलो अेक,' भात नाटकावरवीं अकबराच्या अितिहासिक वावराचेर खास अुजवाड पडना. सगळें लक्ष अकबराचें व्यक्तित्व आनी मनीसपण हावेळच ओडलां. आनी तेच

खातीर जावंये अकबराच्या निर्वाणाचें भावपुराय चित्रण केलां. नव्यो गजाली निर्माण करपाची तांक नानालालांचे प्रतिभेक नासली. पुण हें अुणेपण ताणी ह्या दोनूय नाटकांत दाखयिल्ल्या अितिहासिक प्रसंगानी आनी पात्रांनी भरून काडलां. ह्यावूय नाटकांत कवीचे मुठींतल्यान कथानक गळसणलां. नाटकाचे बांदावळीची सगळीं अुणेपणा मतींत घेवनूय ह्या नाटकांत कांय देखाव आसात जे वेगळे काडून रंगमाचयेर सादर केल्यार अुठून दिसूंक शकतात. देखीक ' जहाँगीर–नूरजहाँ ' नाटकांतलो जहाँगीरच्या ' न्यायदाना'चो अेक देखाव.

देखाबाच्या आरंभाक अुदयपुरचे दोन राजकुंवर शाहजादा खुर्रमच्या सांगातान जहाँगीरच्या दरबारांत प्रवेश करतात. खुर्रमान मेवाडांत बरें घणघणीत जैत जोडलें म्हण जहाँगीर ताका शाबासकी दिता. अुदयपुरच्या राजकुंवराक तो आपले बरोबरीन लेखता आनी जिखिल्ली भूंय परत महाराजाक दिवपाचो आदेश दिवन आपणालें अुदारपण दाखयता. जहाँगीराचो प्रधान मंत्री म्हणटा, ' ह्या निर्णयान सिकंदरचे कबरींत सासणाखातीर न्हिदिल्ल्या अकबराच्या आत्म्याक खुशालकाय भोगतली.' अितल्यांत भायर कोणतरी जहाँगीरच्या न्यायदानाचे घांटीची भांगराची सांखळ ओडटा आनी घांट वाजयता.

जहाँगीर – शाहजादा, पयली काम न्यायाचें
मागीर दरबारी कामां
आं, जैताच्यो गजालीय अुपरांत
आयकात दरवजार कोण
न्यायाची मागणी करता
पळयात, म्हजी प्रजा
न्यायाविणे खळूंक जायना.

( अेक मडवळण येवन दरवाजाच्या मदें अुबी रावता.)

मुखेल वजीर – बादशहाचे रयतेक कोणे त्रास दिल्यात ?

मडवळण – पारखी वजीर सायब,
तुमी बुदवंत आसात
मागीर सांगात, खंयच्या कायद्यान
अशें दाखल केलां
गुन्यांवकाराक सोदपाची जापसालदारकी,
अन्यायान पडिल्ले रयतेची जावन आसा ?
हांवें गुन्यांवकाराक दाखयल्यारूच
ताका भोगतली ख्यास्त ?
तशें जाल्यार अुगडात
राजमहालाचे दरवाजे
गुन्यांवकारी राजमहालांतूच आसा.



जहाँगीर – (न्यायाधिशाचे गंभीर मुद्रेन )
अस्तुरे, तुजी गजाल सांग.

मडवळण – आमी मडवळ
दिल्ली आनी आगऱ्याची घाण आमी धुतात.
फाटल्या सप्तकांत अेके राती
जेन्ना मळबांत नखेत्रां लिकलितालीं
मध्यरातीच्या काळखांत यमुनेच्या
अुदकांतल्यान अुफेत आयले दीपघट
महालांतल्यान सुटलो गुळयांचो शिवर
अचकीत अेक गुळी आयली
म्हज्या घरकाऱ्याचो घात घेवन गेली
जहाँपनाह,
गुन्यांवकारी महालांत आसा.

जहाँगीर – तुजो घरकार ? आनी राजमहालांत गुन्यावकारी ?

मडवळण – हय जहाँपनाह, म्हजो घरकार सोंपलो.
म्हजो आलाशिरो हुबलो
आनी म्हजे पोर भुकेक बळवळटा

जहांगीर – आसफखान, महालाचे खांची कोंयडे सोदात.
गुन्यांवकाराक हांगा हाजीर करात.
म्हजे प्रजेचो घात घेतल्यांक
म्हज्या महालांत काडयेची सुवात मेळचीना.
( बादशहाच्या सिंहासनाफाटसून बुलबूलच्या आवाजासारको म्होवाळ आवाज कानार पडटा. )

आवाज – रावात, जहाँपनाह रावात.
( सिंहासनाच्या फाटलो पडदो हालता आनी अस्मानी रंगाचो बुरखो घेतिल्ली आनी माथ्यार रत्नांचो मुकूट घातिल्ली नूरजहां येता आनी मडवळणीचे कुशीक अुबी रावता. सगळो दरबार अजापभरीत जाता, असफखान काचाबूल जाता आनी खूंट कसो अुप्रोच रावता.)

नूरजहाँ – आयकात, संवसारातल्या लोकांनो आयकात
जहांगीरच्या न्यायदानावेलो विश्वास उडलो जाल्यार
नूरजहाँचो नूर अिबाडून वतलो.
भर दरबारांत गुन्यांवकारी हाजिर आसा,
मध्यानरातीर निमाणी गुळी हांवें सोडिल्ली.

जहाँगीर – आरे, म्हज्या काळजाच्या अुजवाडा,

संवसाराच्या उजवाडा !
जहाँगीराचो न्याय तुवें परजळीत केलो !
ह्या राजमहालाची तूं प्रतिष्ठा,
बादशहाच्या न्यायदानाची तूं सोबा;
खऱ्यांनीच हो खून नूरजहाँच्या हातसून घडला ?
नकसूद हातांचे हें सैतानी काम ?
चान्याची पसय सुरी कशी जावंची ?

नूरजहाँ – संवसाराच्या धनया, घोव नाशिल्ल्या अस्तुरेच्यो वेदना हांव भोगतां,
कोणाचेरच असलें अद्रूष्ट येवंचे न्हय.
म्हजे गुळयेन मडवळाचो जीव वेतलो,
पुण खऱ्यानिशीं तो म्हजो तीर नासलो,
ल्हारेतालें यमुनेचें उदक
आनी ताचेर उफेताले लखलखीत दीपघट;
राजमहालांतल्यान
आमी तीर जोखून ते दीपघट फोडले,
मळबांत नखेत्रां लिकलिकता
तशे यमुनेच्या उदकांत ते उफेताले,
मडवळाक लागली आसूये गुळी,
कोणाकूच कोणाचो घात घेवंचो नासलो,
निमणी गुळी हांवेच सोडली.

जहाँगीर – असफखान – हाड तें तुबक जातूंतल्यान गुळी सुटली,
( असफखान काचाबूल जावन फकत पळयत उरता. )
परमेश्वराच्या आनी बादशहाच्या फर्मानाचो उच्चार दुसरे फावट जायना.
आसफखाँ, हाड तें तुबक जातूंतल्यान गुळी सुटली.

नूरजहाँ – शयदा, हाड तें तुबक.
ही राजाची आज्ञा;
ह्या तुबकाकूच घेवंदी गुन्यांवकाराचो बळी.
( ह्या भयांकुत उतरांनी राजदरबार काचाबूल जाता. )

सुरंम – दोळयाचे बदली दोळो, कानाचे बदली कान
न्यायाची हीच परंपरा आव्वाजान.

जहाँगीर – शहाजादे, न्यायाच्या भांगराची साखळ जर तुटली जाल्यार
फुटून कुडके कुडके जातले साम्राज्याचे.



अकबराचो विजय – स्तंभ
बादशहा बाबराच्या वंशाची बुनियाद
न्यायाचें रूप तिगून आसा.

(शयदा तुबक हाडून महाराणीकडेन दिता तें घेवन नूरजहाँ सिंहासनाकडेन वता. काचाबूल जाल्लो दरबार विचार करता–जहाँगिराचे गुळयेची शिकार कोण जायत ! )

जहाँगीर – नूर, तूं तीर धरपांत फिशाल,
ना दुसरो संवसारात तुजेभितल्लो हुशार;
दी तें तुबक मडवळणीच्या हातांत,
( नूरजहाँ मडवळणीमुखार तुबक धरता. बादशहा सिंहासनावयल्यान देंवून मडवळणीम्हन्यांत येवन उबो रावता. )
अस्तूरे भियेवं नाका,
तुबक घे,
जहाँगिराच्या तोंडातल्यान उतरां येवंक शकनात–
' नूराक मार '
पुण, तुका न्याय मेळूंकच जाय.
नूरान सोडिल्ले गुळयेन तुज्या घोवाक मर्ण आयलें.
अस्तूरे, हांव नूरचो धनी,
हेंच तें तुबक,
धर तीर आनी चलय तुबक,
ह्या नूरच्या घोवाचेर !

( राजा मडवळणीच्या मुखार उबो रावता बादशहाच्या न्यायदानान मडवळणीचें काळीज पाझरता. ती बादशहा आनी महाराणी हांच्या पायाचेर घालून घेता. )

मडवळण – हजारांचे बळी गेल्यार उपकारता.
पुण हजारांच्या राखणदाराचो बळी वचूंक फावना.
संवसारांत हेरकडेन मेळचोना असो न्याय म्हाका मेळ्ळो;
म्हाका योग्य तो न्याय मेळ्ळा म्हाराज,
बादशहाचें न्यायासन हे धर्तरेचेर अज्रंवर उरूं.
जहाँगीर-नूरजहाँची प्रेमजोडी
चंद्र सूर्य आसमेरेन
सासणाखातीर अभंग उरू.

जहाँगिराच्या व्यक्तिमत्वाचें हें अेक नाटयपूर्ण तास. हातूंतल्यान ताचो न्यायाचो आग्रो, आनी नूरजहाँविशींचो मोग दिश्टी पडटा. आनी नीतीक फाट करीनासतना तशेंच नूरजहाँचो त्याग करीनासतना कुशळतायेन ताणी हो प्रश्न सोडयिल्ल्याचें दिसता. ह्या देखाव्यांत नाटयमय सस्पेंस दाखोवन क्लायमेक्स सादला जो मडवळणीचे अुदारतेंत सोवता.

## संघमित्रा

संघमित्रा ( १९३१ ) हें नानालालांचें आनीक अेक अितिहासिक नाटक. मनांत खास हेत बाळगून ताणी ताची रचना संस्कृत क्लासिकाचे धर्तीचेर केल्या. पुण हें सारकेंपण फक्त लेखन, शैलीपुरतेंच मर्यादीत अुल्लां. बौद्ध धर्माच्या प्रसाराक महेन्द्र आनी संघमित्रा श्रीलंकेक वतात. नाटकाचेर प्रभाव मात सम्राट अशोकाचो आसा. तागेल्या कारकिर्दींतल्यो खूबश्यो म्हत्वाच्यो घटना बारीक माहितीवरवीं थंय दाखयल्यात. देखीक– कलींगचेर रक्ताचो शिंवर घालून जैत जोडून अशोक पाटलीपुत्राक परतता तो प्रसंग, सगळ्याक चलपी हिंसाचाराविशीं ताका आयिल्ली तिडक, ताचो मनबदल, अहिंसा आनी बौद्धधर्म आपणावप त्याचप्रमाण आपणाल्या पुताक आनी धुवेक त्या धर्माचो प्रचार करपाक धाडप आदीं गजालींचो आसपाव जाला. अेका प्रवेशांत बुद्धाक 'मदल्या मार्गा' चो दिश्टावो घडटा तो प्रसंग दाखोवपी चित्र रंगयलां.

संघमित्रा आनी महेन्द्र हीं दोन पात्रां नाटकांत आसलीं तरी तीं गौणूच थरतात. नाटकाचें नांव संघमित्रा आसूनय, केंद्रस्थानाचेर अशोकच अुरता. बिगडिल्ल्या ह्या तोलाची कवीक जाण आसा म्हण ताचें समर्थन करताना कवी सांगपाचो यत्न करता कि, अशोकाचे म्हान कथेबगर संघमित्राची कथा फुडें वचूंकच शकना. नानालाल सभावाप्रमाण विभूती पूजक आसले. जे पद्धतीन ताणी अकबराची पूजा केल्या तेंच काव्यमय आनी गीतमय पद्धतीन ते अशोकाची पूजा करतात.

## पुराणिक नाटकां

अशोक, संघमित्रा आनी बुद्ध ह्यो अितिहासिक व्यक्ती पुण 'राजश्री भारत' ( १९२२ ) हें अितिहासापरस चड पुराणिक थाटाचेंच नाटक. हें नाटक संस्कृत नाटकांचे धाटणीचेर रचलां आनी तातूंत भरत, कण्व आनी शकुंतला हीं पुराणिक पात्रां हेर मानवी आनी अतिमानवी पात्रांबरोबरूच वावुरतात. भरत– जाचेखातीर ह्या देशाक 'भारत' हें नांव पडलें तो राजा भरत वसुंधरेकडेन ( धर्तरी ) लग्न जाता. वयल्यावयर हें नाटक कालिदासाच्या शाकुंतलासारकें दिसलें तरी दोगांयमजगतीं सारकेपणां साप्प अुणीं. तरीलेगीत नानालालांच्या नाटकाक तागेलें



खाशेलें आकर्षण आसा. शिवाय कालिदासाविशीं नानालालांक दिसपी आदर हांगा प्रत्यक्ष अप्रत्यक्ष दिसून येता.

'विश्वगीता' ( १९२७ ) हें नानालालांच्या लेखणेंतल्यान भायर सरिल्लें आनीक अेक नाटक. हें नाटक खंयचेच फास्केंत बसोवंक जायना आनी ताका नाटकय म्हणपाक जमना. हाचे प्रस्तावनेंत नानालालांनी म्हळां कि, युरोपांतलीं नाटकां ग्रीक नाटकांवरी देश, काळ आनी घटना हीं तीन तत्वां अेकठांय हाडपाचेर आदारून आसतात. ताणी मुखार अशें म्हळां कि, मार्लोव आनी शेक्सपिअर हाणी ही परंपरा मोडल्या आनी हीं तीन तत्वां फक्त अेकठावपाचो आभास निर्माण केला. बर्नाड शॉं हाणी 'बॅक टू मॅथ्यूसेला' ह्या नाटकांत काळतत्वूय न्हयकारलां. अखेरेक नानालालांनी आपलें मत जाहीर केलां– "भावनिक अेकठावप हीच खरी गरज" हेंच ताणी मानून घेतलां आनी 'विश्वगीतें'त तेंच मांडटलो म्हणपाचें सांगलां.

काळाचे नदरेंतल्यान पळयल्यार 'विश्वगीता' नाटकांत खबर नाशिल्ल्या भूतकाळापासून मुखावयल्या भविश्यकाळामेरेनचे भाग आसात. नानालालांनी तातूंत बुद्ध, महमद, ख्रिस्त, राम, शंकराचार्य आनी संवसारांतले हेर ऋषीमुनी आनी प्रेषित पैगंबर हाडल्यात. धर्तरी हांचेमुखार आपणाली कैफियत सांगता ती अशी– 'तुमी सगळ्यांनी सुमाराभायले यत्न करूनय फटकिन्या आनी पाडच्या प्रवृत्तीचो प्रश्न आजून सुटावो जालो ना.' नाटकांतले पंदरा देखाव कवीच्या म्हणण्याप्रमाण भावनीक अेकचाराखातीर वापरल्यात. जिवितांतल्या सत आनी असत तत्वांचें चिंतन करपाबगर हेर दुसरे कसलेच गजालीकडेन तांचो संबंद जुळना. हे देखाव म्हळ्यार अेका सालांत लायिल्लीं चित्रां कशीं वो अेका नाटकांत अेकठांय केल्ले आपलेपरीन पूर्ण अशे गीतांचे खंड. द्रौपदीचें वस्त्रहरण ही ह्या नाटकाची केंद्रीय घटना. नरट्यांच्या हातसून सत्प्रवृत्तीच्या लोकांक पिडापीड भोगता तो प्रश्न हांगा दाखयला. महाभारतांतलो हो सगळ्यांक खबर आशिल्लो प्रसंग प्रभावीपणान अुबो केला. 'विश्वगीता' रंगमाचयेर येवपाची शक्यताय सामकी अुणी तरी लेगीत नानालालांनी ह्या नाटकावरवीं अेक सात्विक समस्या नाटकाच्या रूपान सादर केल्या. तातूंतल्यान तांची विशाळ दृष्टी तितलीच विशाळ कल्पनाशक्त आनी नितीच्या जीवनमुल्यांविशीं तांकां दिसपी तळमळ जाणवता.

## प्रकरण पांचवें

# प्रेमभक्ती

नानालालांनी प्रेमभक्ती हें आपणालें ध्येय मानिल्लें. केन्ना केन्ना तर ते बदल म्हण 'प्रेमभक्ति' हें आपणालें टोपणनांवूच वापरताले. नानालालांचो आवडटो कवी नर्मद हांचें ध्येय जावन आसलें प्रेम आनी शौर्य. नानालालानी ताचेंच वेगळें रूप प्रेम आनी भक्ती आपणायिल्लें. प्रेम आनी भक्ती हे भाव नानालालांच्या काव्यांत वेगवेगळे वो जोडून येवपी प्रभावी असो भाव. नरसिंह मेहता आनी मीराबाय हांच्या रचनांत प्रेम–लक्षण भक्ती अुपाट भल्ल्या.

नानालालांची प्रेमभक्ती तांच्या साहित्यांत प्रेम आनी भक्ती अशा रूपांत सामाजिक आनी आध्यात्मिक पावंड्याचेर प्रकट जाता. सामाजिक संदर्भांतलें 'प्रेम' ताणी आपल्या कवितांत, गीतांत, रास–रचनांत, नवलकथांत आनी नाटकांत रंगयलां. आत्मिक अर्थाची भक्ती नानालालांच्या 'प्रेमभक्ति भजनावली' हातूंत आनी 'हरिसंहिता' ह्या अपूर्ण दीर्घकाव्यांत दिसून येता. हरिसंहिता काव्याचो पयलो भाग सर्गेस्त जवाहरलाल नेहरू हांचे हस्तूकीं २८ नोव्हेंबर १९५९ ह्या दिसा अहमदाबाद हांगा अुजवाडायिल्लो. अशा तरेच्या भक्तिगीतांचो तांच्या नाटकांत आनी काव्यसंग्रहांत आसपाव आसा. आपणाक गावपाक आनी वाजोवपाक जमना अशें नानालालानी 'गीतमंजरी 'चे प्रस्तावनेंत बरयलां तरी ते घरांत हातांत तंबोरो घेवन भजना म्हणटाले. अेकदां युरोप आनी अिंग्लंडचे भोंवडेर वचपाची तयारी करता आसताना, अेक नवो तंबोरो ताणी तयार करून घेतलो आनी तो बरोबर व्हरपाक जाय असो आग्रो धल्लो. तांकां म्होवाळ आवाजाची देण नासली. तरीलेगीत ते जे तळमळीन आनी निश्ठेन खाजगी वो जाहीर बसकांनी गायताले तेन्ना आयकुप्यांक प्रसन्न करून सोडटाले. राजकोटाक सरकारी अधिकारी म्हण नेमणूक जाल्ली आसतनाय ताणी प्रेमानंद कवीचें 'मामेरू' हें काव्य जाहीरपणी म्हणून दाखयलें. मुखावयल्या जिवितांत ते दर वर्सा चुकनासतना डाकोर क्षेत्रांत वताले आनी थंय देवळांत 'हरिसंहितां 'तले कांय भाग गावन दाखयताले. नानालाल स्वामी नारायण पंथाच्या धार्मिक वातावरणांत वाडिल्ले आनी गुजरातेंतल्या त्या पंथाचे संस्थापक श्री सहजानंद अुर्फ श्रीजी

महाराज शिकवणेचो आनी तत्वगिन्यानाचो खर प्रभाव तांचेर जाल्लो. भुरगेपणा-सावन तांची आवय अमृतबा हिच्या तोंडांतल्यान कृष्णाच्यो लीला आनी गीतां तांच्या कानार पडटालीं आनी ते तीं सामके गुल्ल जावन आयकताले. महाविद्यालयांत शिक्षणाच्या काळांत तर्कशास्त्र आनी नीतिशास्त्र शिकता आसताना ' मार्टीनो 'चें ' टायप्स ऑफ अेथिकल थिअरी ', ' स्टडी ऑफ रिलीजन ', ' सरमन्स ' हे ग्रंथ ताणी वाचले आनी तांच्या विचारांचेर आनी मनाचेर तांचो खोल प्रभाव पडलो. अुपरांतच्या काळांत ब्राम्हो समाज आनी प्रार्थना समाज हांचेवटेन ते ओडले आनी केन्नाकेन्नाय आयतारची प्रवचना दिवपाक लागले. नानलालांनी अुपनिषदां आनी भगवद्गीता हांचो अभ्यास केल्लो आनी तातूंतल्या कांयचो गुजराती अणकारूय केल्लो.

नानालाल संकुचित वो पारंपारीक अर्थान धार्मिक वृत्तीचे नासले. धर्मा-संबंदीची तांची नदर सनातनी वो एकांगी स्वरुपाची नासली. ' धर्माचे बाबतींत हांव समन्वयवादी आसां ' अशें ताणी आपल्या ' वैष्णवी षोडश ' ग्रंथाचे प्रस्तावनेंत म्हळां. ही सहिष्णु वृत्ती ताणी आपणाल्या नाटकाखातीर अकबराची निवड करताना दाखयल्या आनी महाकाव्याखातीर खंयची विभूती दाखोवची हाचो विचार करताना ताणी येशू ख्रिस्ताच्या नांवाची निवड केल्ली. मात प्रत्यक्ष महाकाव्य बरयलें तें मात ' कुरूक्षेत्रा 'चे कथेचेर. धर्म आनी तत्वज्ञान ह्याविशींची नानालालांचीं मतां पळयतकच अेक गजाल स्पश्ट जाता. ती म्हळ्यार तांकां श्रीकृष्ण हे विभूतीविशींचें सुमाराभायलें आकर्षण आसलें. श्रीकृष्ण हो तांच्या खूबशा कवितांचो, गीतांचो, रासगीतांचो विशय तशेंच ' कुरूक्षेत्र ' आनी ' द्वारिकाप्रलय ' हांचो नायक. आनी ' हरिदर्शन ' आनी ' वेणुविहार ' ही तर ताकाच ओपल्यांत.

नानालालांच्या ह्या गीतांमदलो हो अेक अुत्कृष्ट नमुनो : ( गीताचो भावार्थ )

कसली ही दोळ्यांची आळसाय !
हरीचें दर्शन ना घडलें
धांवती झळकूय देखली ना
दुःख आनी भ्रमाच्या अुज्यांत
हुलपत अुल्ले म्हजे दोळे
प्रभुवटयां वळ्ळेच ना
दर्शन घडलेंच ना
प्रभु सगळ्याक सृजनाक व्यापून
कणाकणांत ताचें अस्तित्व



सगळ्या चेतन अचेतनांत भरून
प्रभु मळबावरी
सदाकाळ म्हज्या माथ्यार सावळेवरी
प्रभु स्वासावरी
सदाकाळ म्हज्याच सांगातांत
दोळ्यांच्या कवडुलांतल्यान देखलो जाल्यार
प्रभु दिसता साक्षात
ब्रम्ह आनी ब्रम्हांड
अेक खिणभरूय जायना
अेकमेकापासून वेगळीं
भूंयेवयल्या फांतरापोंदा
कशी येवंची जाण चैतन्याची
शंबर वर्सां जगलें घुवड
जाण खंयची ताका दिसा-अुजवाडाची
प्रभु सागरावरी
जाका पावना दोळ्यांचो आवाठ
' विराट विराट ' अुतरां घोळयत
जीब थकल्या
प्रभु, केन्ना अुक्तायशी
अंतस्कर्णींतलो दोळो ?
केन्ना ना करशी
हो गुपाट काळोख ?
हे प्रभु,
हांव प्राथितां
म्हज्या दोळ्यांवयली
ही मोहाची साय पयस सार
पळयात– पळयात
म्हज्या दोळ्यांत खोल पळयात
साक्षात प्रभु !
आळसाय सोडात
आनी म्हज्या दोळ्यांनो
थीर नदरेन प्रभुक नियाळात
अंतस्करणंत आसपावन संतोस पावात.

( कांय कविता – २ )

ह्या गीतांत प्रभूचें दर्शन घेवपाक आत्मो कसो तळमळटा आनी तडफडटा तें बरेतरेन व्यक्त जालां. फक्त अव्यक्त अशा तात्विक ईश्वर भक्तीचेरूच नानालालांचो विस्वास आशिल्लो अशें न्हय तर रुपांत दिसपी देवाचेरूच तांची श्रद्धा आसली. पुण शारिरीक आनी मानसीक अिंद्रियांचीं प्रतिकां आशिल्ले दोळे अितले आळशी आनी मंद आसात कि, तांका अंतस्कर्णांतल्या प्रभूचो साक्षात्कार घडूंक पावना; ते दोळे अुक्ते जाल्यार हें दर्शन घडटा.

परम आनंदाची स्थिती आपणावपाखातीर आत्म्याची जी खर धडपड चल्ल्या ती आनीक अेका गीतांत अशीच अुत्कटतायेन प्रगट जाल्या. तेखातीर व्हडयाचें रूपक वापरलां. तातूंतले पालूपद अेका पारंपारीक गीतांतल्यान घेतलां.

व्हलय व्हडें तारया
तार पैलाडीं लाय
म्हाका पैलाडीं पाय
अुजव्या कांठार मथुरा शार
दावेवटयां गोकूळ गांव
अैलाडी कूड म्हजी
पैलाडीं जीव
मळब सॅमिदरांत अुदकच अुदक
तातूंत सूर्य– चंद्र
मृत्युलोक आलतडीं
पडतडीं सर्ग
विश्वाच्या बावांत
जिविताचीं ल्हारां अुसळटात
ह्या तटार आशेची बाग
त्या तटार प्रेममंदिर
व्हलय व्हडें तारया
तार पैलाडीं लाय
म्हाका पैलाडीं पाय

(‘ जहाँगीर – नूरजहाँ ’)

आनी अेका गीतांत आळसाय पांगुरिल्ले दोळे, प्रभुक पळोवंक शकनात आनी आत्मो परमानंदनाचो सोद घेवपाक कसो तळमळटा ताचें अेक वेगळेंच दर्शन घडयलां–

येयात, शूर वीरांनो येयात,
नदर थिरावन पळयात हें अनंत रूप !



दोंगराचे तेंगशेर हांव अुबो आसा नियाळीत,
सरभोंवतणी विस्वाचो आवांठ,
खळखळपी सागर आनी रानां,
पळयतां हांव तारवां.
क्षितीजाच्या पैलाडीं ना जायत वचपी.
मळबाचे बाल्कनींत हांव अुबो आसा अेकटोच
पळयत लाख नकेत्रांची दिंडी
तेजवंत पेल्ल घुंवतात अंतराळांत,
आनी थंयच म्हाका दिसता नाचपी प्रभु
म्हज्या मनाच्या पाश्टार हांव अुबो आसां अेकलोच
विस्वाच्या खोल काळजाचो सोद घेत.
म्हज्या अंतस्कर्णांत तेजमय कुपांचो स्फोट जालो,
आनी रितें भाशिल्लें तें ब्रम्हांड
प्रभूच्या चैतन्यान अुपाट भरून गेलें

(‘ जगत् – प्रेरणा ’)

काव्यकल्पनेची तांक, व्याप्ती आनी अलौकीक नदर हे बाबतींत नानालालांचें ‘ विराट नो हिंडोलो ’ हे कवितेक दुसरी तोड ना. ही कविता नरसिह मेहताच्या भक्तिकाव्यांतल्या कांय अुत्कृष्ट नमुन्यांकडेन सर्त खेळूंक शकता.

विराटाचो झोपाळो तेजान लकलकत झेल घेता;
मळबाच्या पाश्टाक बांदल्यात ताचे दोर.
पुण्य आनी पाप हेच ते दोर,
झेल घेता तिनी लोकांत,
दर झेलांत आस्पावला
सृष्टीच्या आदी अंताचो मंत्र
विराटाचो झोपाळो तेजान लकलकत झेल घेता

(‘ विस्वगीता ’)

नानालालांचे जिणेंत आनी साहित्यांत विसंगती ना. साहित्यांत ताणी म्हणिल्ल्याप्रमाण ‘ अेक अुंचेलो नैतिक अुद्देश ’ आपणायिल्लो जो तांकां बापायचें दायज म्हण लाबिल्लो. अुपरांत मिल्टन, टेनिसन आनी मार्टीनो हांच्या साहित्याच्या अभ्यासाअुपरांत आनी अुपनिषद, पुराण आनी भगवद्गीता हांच्या अध्ययनाअुपरांत तांचो हो ‘ अुद्देश ’ अदीक बळिश्ट जालो. जिणेंत ते देवाचेर भावार्थं दवरपी आसले आनी मनशाचें प्रामाणिकपण आनी नीत हाचेर तांचो विस्वास आसलो. तांकां शुद्धत्वाची आकांत ओढ. तेखातीर ते खांपे शुद्धतावादी

आसात अशें दिसतालें. पुण जिवितांतलो आनंद आनी सुखाचो भोग घेवपाच्या ते आड नासले. तांची नाटकां, गीतां आनी रास रचनांतल्यान जीवनाची चेतना खऱ्यानिशीं अुचंबळून आयिल्ली दिसता. देवाबयली तांची श्रद्धा धार्मिक अुद्देशान नासली तर आत्मिक नदरेन. नानालालांक ( आनी तांची घरकान्न माणिकबा ह्यांकाय ) कांय आत्मिक अणभव आयिल्ले अशें मानतात. अशे तरेचे चमत्कारां-सारके दिसपी अणभव नानालालांनी सुरवेच्या गद्य साहित्यांत आनी अुपरांतच्या काळांत ' हरिदर्शन ' आनी ' वेणुविहार ' ( १९४१–१९४२ त अुजवाडायिल्ल्या ) काव्यरचनेंत वर्णिल्या.

सगळ्या अवतारांत नानालालांक श्रीकृष्णाविशीं चड ओड. श्रीकृष्ण तांच्या कविता, नाटक, गीतांत तर आसाच, ' कुरूक्षेत्रांत'ल्या दर सर्गांत आसा. ' द्वारिकाप्रलय ' हातूंत तर तो केंद्रच. नानालालांनी चाळीसांपरस अदीक वर्सां कृष्णाचेर चिंतन आनी मनन केल्लें. १९३५ वर्सा सतत तीन फांतोडेर, नानालालांक श्रीकृष्णाचें प्रत्यक्ष दर्शन घडलें अशें मानतात. हो तांचो म्हत्वाचो आत्मिक अणभव ताणी ' हरिदर्शन ' आनी ' वेणुविहार ' ह्या काव्यांत व्यक्त केला. श्रीकृष्णान कवीच्या घराचें आंगण हुपून घरांत पावल दवल्लें, मागीर ताणे बांसरी वाजयली, हांसलो, कवीच्या दोळ्यांत निरखून पळयलें आनी तेसरशी कवी दिव्य आनंदांत भुल्लुसून गेलो आनी त्याच खिणाक प्रभु अंतर्धान पावले –

> अनंताचे दरवंज अुकते जाले;
> पुण प्रभु खंय – अंतःकर्णांत ? वो मळबांत ?
> आनी तो यात्रिक अुबो रावलो
> प्रभूच्या पावलांच्यो कुरवो सोदीत
>
> ( 'वेणुविहार' )

अशें सांगतात कि, मर्णाच्या कांय दिसांपयलीं, भायर श्रीकृष्ण अुबो आसा असो तांकां भास जालो. कवी आपणालें निमणें गीत घोळोवंक लागले, ' आज मोरे घर सायो कन्हैया.' ( आज म्हज्या घरा कन्हैया आयलो ) मागीर कवीन आपले बायलेक साद घालो, ' आगे, तो आयला, पुण भितर येना. ताका आपय. घडये म्हाका व्हरूंक आयला. बरें आसा, हांव चल्लों. जय श्री हरी ! ' (एस. शास्त्री : ' किशोर ' फेब्रुवारी १९४६)[1]

' आज मोरे घर सायो कन्हैयो ' हें कवीचें निमणें गीत ( २ जानेवारी १९४६ दिसा रचिल्लें आनी कवीच्या हातबरपांत मार्च १९४६ त ' स्त्री जीवन ' हातूंत छापिल्लें. ) ६ जानेवारी १९४६ ह्या दिसा नानालाल ह्या संवसाराक अंतरले.

1. हे सुचोवणे खातीर हांव प्रो. कनुभाई जानी तशेंच श्री. बच्चूभाई रावत हांचो उपकारी आसां.



नानालालांनी सांगिल्लें अध्यात्मिक अणभवाचें खरें आनी फटीपण सिद्ध करूं नज कारण तो सामको व्यक्तिगत असो अणभव. नानालालांच्या चरित्रकाराक घडये ताचें चड म्हत्व जाणवूं येता. जेन्ना जेन्ना नानालालांच्या काव्याकडेन हे गजालीचो संबंध सांपडटा तेन्ना तेन्ना त्या कवितांक साक्षात दर्शनाची अेक गाढ सया लाबता हाचेविशीं दुबाव ना. अशा वेळार कवी खासा आपुणूच आपल्या कवितेचें माध्यम जाता. जशेपरी विल्यम ब्लॅक हो गूढवादी कवी आपणाल्या ' सॉंगस् ऑफ अॅक्सपिरीयन्स ' ह्या गूढवादी काव्यसंग्रहांत आपुणच कवितांचें माध्यम जाला.

नानालालांच्या मर्णान ' हरिसंहिता ' हें दीर्घकाव्य अपूर्णच अुर्लें. ह्या काव्याचे बाबतींत नानालालांचो हावेस असो आसलो कि, भागवद्पुराणाचे धर्तेचेर श्रीकृष्णाची सगळी भोंवडी, जी ताणे बयाच्या १०० ते ११६ वर्सांत केल्ली ती ४४००० ओळींच्या व्हड काव्यांत वर्णुपाची. पुण कवी फक्त २७००० ओळीच रचूंक पावले. अपूर्ण अुरिल्लें हें ' हरिसंहिता ' काव्य १२ मंडलांत कवीच्या मर्णाअुपरांत कवी नानालाल स्मारक समितीचे वतीन अुजवाडाक आयलें. व्यक्तिगत आत्मिक अणभवासंबंदीच्या भक्तिगीतां भायर नानालालांनी जायतीं भजनां, गीतां आनी रास रचल्यांत. सुवेंक तीं तांच्या मुळाव्या दीर्घकाव्यांत, नाटकांत आनी गद्यग्रंथांत आस्पावल्यांत आनी मुखार तींच स्वतंत्र संग्रहाच्या रूपान अुजवाडाक आयल्यांत. नानालाल अेक गीतकार म्हण सिद्ध करपाक तीं पुरो जाता. मागीर तांचो विशय निधर्मी आसूं वो धार्मिक आसूं, भोग आसूं वो भक्ती आसूं वो दोनूय आसूं. हातूंतल्या भौतिक गीतांत आनी रचनांत कवीक श्रीकृष्ण आनी ताची मुरली हेविशीं दिसपी आकर्षण स्पश्टपणी दिसता. नाना-लालांची ही जिविताच्या निमण्या खिणामेरेन चलिल्ली प्रेमभक्तीच आसली. फक्त ती विगड विगड भावकाव्याच्या वो हेर स्वरुपांत चलिल्ली अितलेंच.

# समारोप

नानालालांनी आपणाल्या काव्यजिविताचो आरंभ १८९८ वर्सा ' वसंतोत्सव ' ह्या दीर्घ काव्यान केलो. ' केटलांग काव्यो ' ( कांय कविता ) भाग १, हो १९०३ त अुजवाडाक आयिल्लो आनी ताका आदले कवितेवरीच अुमेद वाडोवपी अभिप्राय लाबिल्लो. तरी लेगीत कसलीय नवी गजाल आपणायताना वा तिका मान्यताय दितना जे खाकुडटात अशा पोरणे पाथावळीच्या लोकांनी ताचेर बरयताना म्हणिल्लें : ' हां, बरोबर आसा. हातूंत ' कांय ' कविता आसात खऱ्यो ! ' तांच्या विरोधाचें मुखेल कारण जावन आसलें तें म्हळचार नानालालांनी छंद-शास्त्र कुशीक सारून तेवदलीं अेक लय आशिल्ली ' दोलन शैली ' आपणायिल्ली, जे शैलीविशीं कवीन म्हणिल्लें, ' दोन हजार दोनशीं वर्साच्या ' छंदशास्त्राच्या दोकांतल्यान ' कवितेक मुक्त करपाच्या हेतून ती घडयल्या.'

आपणाली नवी कविता नर्मद वो दलपतराम हांचे कवितेभशेन लोकप्रिय जाली ना ही गजाल नानालालांनी मानून घेतिल्ली आनी १९०८ वर्सा अुजवाडाक आयिल्ल्या ' केटलांग काव्यो,' भाग २ ह्या संग्रहाचे प्रस्तावनेंत अशे कवितेची अदीक बरी समजावणी आनी मोलावप करपाची सुचोवणी केल्ली. तातूंत ते म्हणटात ' जशी जशी आमची कविता आत्मनिष्ठ जावचेबदला वैश्विक जावंक पावतली, जेन्ना तिच्यांत गुजरातच्या, भारताच्या आनी संवसाराच्या नव्या सामाजिक जाणिवांचें, अिरसा हावेसांचें, नवे जागृतायेचें पडबिंब पडटलें तेन्ना आमचे कवी संवसारातल्या मुखेल कवींचे पंगतीक बसूंक पावतले आनी पुर्विल्ल्या प्रेषित पैगंबरावरी नवनिर्माणेचो संदेश व्हडा अुमेदीन आनी अुत्स्फूर्तपणी सांगीत तांचीं गीतां गायतले; तशें घडटकूच आमचे वाचपी आनी आयकुपी नवे कवितेक मनःपूर्वक येवकार दितले हाचेविशीं म्हाका खात्री आसा.'

नवी कविता लोकप्रिय करपाचो नानालालांचो हो अुपाय न्हय पुण तो तांचो हावेस. कवी आनी कविता हेविशींचो तांचो अुदात्त आदर्श हातूंत आसपावला आनी त्या आदर्शाप्रमाण ताणी आपलें पुराय बळ आपणाले दीर्घ काव्यजिणेंत निमण्या खिणामेरेन वापरलें. ते गुजराती भाशेन बरयताले. पुण तांची नदर

संवसारातल्या अुत्कृष्ट काव्याचेर आसताली. थळाव्यो शिमो हुपून वैश्विक साहित्याच्या कसाक अुतरपी रचना करपाचो तांचो हावेस आसलो. 'अपेश हो गुन्याव न्हय पुण क्षुद्र हावेस बाळगप हो मात गुन्याव' हे म्हणणेप्रमाण अशें मानून घेवूं येता कि, ताणी खरेपणी कांय जोडलें ना; पुण तांचो साहित्यिक हावेस केन्नाच क्षुद्र नासलो. आपणाल्या काव्याक वैश्विक साहित्याचे कस आपणायताना ताणी आपणाल्या रचनांत व्यक्त केल्ले विचार लेगीत आंतरराष्ट्रीय दृष्टीकोनांतल्यान मांडल्यात. तांकां संवसारभर नामना मेळत तेन्ना मेळत पुण तांचे भाशेंतल्या व्हड साहित्यिकांमदली तांची सुवात थीर हें नक्की.

'हावें अदर्या शेंकड्यापरस अदीक काळ काव्यसाधनेंत घालयला तरीपुण आज लेगीत म्हज्या अुद्देशाविशीं कोणाक दुबाव आसा ?'– नानालालांनी आपले षष्टब्दिपूर्ती निमती हो प्रश्न केल्लो आनी खासा आपणेंच ताची जाप दिल्ली– 'म्हजे अुद्देश दोन : पुनरजागरणाचो संदेश घरानघर पावोवप आनी म्हज्या काव्याक वैश्विक कस लावप.' १८९८ त नानालालांनी वसंताचे दूत जावन वसंतोत्सव काव्यावरवीं गुजराती काव्यांत पावल मारिल्लें. नानालालांचे कल्पनेंतलो वसंत म्हळ्यार निखटी सैमिक घटना नासली पुण पुनरजागरणेची कुरू आसली. शेलीच्या काव्यांतल्या चैतन्यासारकोच म्हणजेच संवसाराच्या आनी मनीसकायेच्या पुनरजीवनाचे तें प्रतीक आसलें. वसंत म्हळ्यार सोबिताय, खोस आनी अज्रंबर आस हांचे प्रतीक जावन आसा. 'शियाळो आयलो जाल्यार वसंत येवपाक कळाव लागचोना.' नानालालांनी वसंताचे सोबितायेचें आनी खोशयेचें गीत गायलें आनी आपल्या सांगाती मनशांक याद करून दिली कि, खूब थंडेन काकुडल्याअुपरांत वसंत ऋतु तांगेल्या देशांत आयला. 'वसंतोत्सव' मनोवपाक ताणी फुडाकार घेतलो आनी सगळ्यांक तातूंत वांटो घेवपाचें आमंत्रण दिलें.

सामाजीक सुधारणा ही कवीची लागणूक अशें नानालाल मानताले पुण आपल्या आदल्या कवींवरी ताणी त्या बाबरांत सक्रीय वांटो घेतलो ना. आपणालें काव्य आनी गद्य बरपावळ, चड करून 'संवसार मंथन' हातूंत ताणी समाज सुधारणेचे विचार व्यक्त करून ताचेरूच समाधान मानलें. त्या काळार जातीपातींची बंधना, बाल–विवाह आनी विधवांची दुर्दशा हे प्रश्न समाज सुधारणेमुखार आसले. नानालालांनी तिनूय प्रश्न हातांत घेतले आनी सुचयलें, तरनाटे चले–चलयांनी वीस–पंचवीस वरसां पिरायेच्या आदीं लग्न न करपाचो नित्शेव करचो. अशें केल्यार तांगेले आवय बापूय तांचो सांगाती वेंचून काडपाचे बाबतींत तांचेर बळजबरी करूंक पावचेनात आनी ताकालागून मोगाच्या लग्नाचें बळ वाडूंक पावतलें. ताणी शिटकायलें कि, 'जर सामाजीक विचारकांनी मोगाच्या लग्नाक अुत्तेजन दिलें ना जाल्यार परंपरागत लग्नां नकली झाडांभशेन श्ररतलीं



आनी तांगेर जावपी भुरगीं गंध नाशिल्ल्या नकली झाडासारकींच जातलीं.' मोगाचें लग्न हो विशय नानालालांच्या नाटकांत अदींमदीं आयलाच आनी ताका लागून ह्या प्रदेशांत मोगाच्या लग्नाक फावो तें वातावरण निर्माण जावपाक पावलें. प्रत्यक्ष समाजसुधारक जावचे परस समाजचिंतक जावप हेंच तांचे नदरेन घुरोशें आसलें तरी खासा ब्राह्मण आसुनूय नानालालांनी १९१८ त सौराष्ट्रांतल्या ढासा ह्या गांवांत भल्लेल्या अस्पृश्य लोकांच्या पयल्या वयल्या संमेलनाचें येजमानपण स्विकारलें आनी ही घटना गुजरातांत हरिजन अुद्धाराचे चळवळीक भार आयिल्लो ताच्या कितलो तरी काळ आदी घडलेली. शिवाय गुजरातांतली विद्यार्थी चळवळ पयलीं नानालालांनीच संघटीत केल्ली. अहमदाबादेंत पयली विद्यार्थी समिती ताणीच स्थापन केल्ली.

अेकदां नानालाल अेका शाळामास्तराबरोबर अुलयताले. माध्यमिक शिक्षण कशें सुदरावंचें हेविशीं त्या मास्तरान नानालालांचे मत विचारिल्लें. नानालालांनी नाट्यमयरितीन आपल्या खोमसाचे हात वयर ओडून दंड फुलयले आनी मास्तराक दंडाचे स्नायू दाबून पळोवपाक सांगले आनी मागीर म्हळें, 'तरनाट्या विद्यार्थ्यासंबंदान पयल्यान पयली गजाल करपाची ती ही.' तांच्या म्हणण्याचो अर्थ आसलो तो म्हळ्यार शारीरिक शिक्षण हो माध्यमिक शिक्षणाचो सामको गरजेचो भाग.

लोकांची शारीरिक, मानसिक, नैतिक, आत्मिक आनी मनोवैज्ञानिक पुनरवसणूक आनी पुनरजीवन हांचो आस्पाव नानालालांचे पुनरुत्थापनेचे कल्पनेंत जातालो. ह्या पुनरजीवनाचे प्रत्यक्ष रंगयाळें आनी जिवें अशें प्रतीक म्हळ्यार वसंत आशिल्ल्यान नानालालांनी सदांच ताचे सोबितायेचीं अखंडीतपणान गुणवर्णना गायलीं. अेकदां नानालाल आपले सहयोगी कवी आर. वी. पाठक हांच्यावांगडा वसंत ऋतूंत साबरमती न्हंयचे देगेर भोंवताले तेन्ना ताणी म्हळें, 'पळयात वसंत कितलो सोबीत !' आनी खीणभर थारून ताणी मुखार म्हळें, 'हांव वसंत ऋतूचो सुमाराभायलो गौरव करतां अशें लोक कांय वेळार म्हणटात हें म्हज्या कानांर आयलां. खरें तें. हांव थोडी भोव अतिताय करतांय आनी कवीक ती कांय वेळां करची पडटाच. पुण हांव जें सांगूंक सोदतां तें मुळांत खरें आसता आनी हांव खासा जें नियाळटां तेंच बरयतां.' नानालालांचें सैमाचें निरीक्षण खूबूच बारीकसाणेचें. चड करून गुजरातेंतल्या सैमाचें बाबतींत तें बरेतरेन दिसून येता. तांच्या आदल्या आनी अुपरांतच्या दुसऱ्या खंयच्याच कवीन करूंना अितले जतनायेन ताणी सैमाचें वर्णन चित्रमय पद्दतीन, रंगरंगयाळे रितीन आनी म्होवाळ शैलीन केलां. मोर आनी कोगूळ हांकां तर नानालालांच्या गीतांत आनी काव्यांत अेक प्रणयी रूपकार लाबला.

नानालालानी म्हळां कि, भारताचो अितिहास आनी कविता जगप हें आपलें ध्येय. ताणी आपल्या काव्यांत आनी गद्य बरपांत भारतीय अितिहास, तत्वज्ञान, पुराणां, महाकाव्यां आनी दंतकथा चितरायल्यो. अुजवाड आनी खोस हांचो शिंवर करपी अुंचेले आदर्शवादी नायक आनी नायिका घडयल्यो आनी गुजरातच्या लोक-गीतांतली जादू परत अेक फावट सगळथाक पसरायली. आपणाक ' पाश्चात्य शिक्षणाचे निर्मणी ' चो भाग मानपी नानालाल पश्चिमेकडल्या विचारांच्या आनी संस्कृतीच्या म्हान आंगाचे आनी आविष्काराचे तोखणाय करपी आसले. तरी लेगीत पुर्विल्ली भारतीय संस्कृती आनी तातूंत आस्पावल्लीं मुल्यां हांची ते तोखणाय करी-नासले अशें न्हय. तांचो काळ हो समन्वययुगाचो काळ आनी ते तशेंच तांच्यो रचना ह्यो त्या समन्वय युगाच्यो बर्‍यो देखी जावन आसात. नानालाल, मिल्टन, शेली, बर्क, टेनिसन आनी मार्टीनो हांचे प्रशंसक आशिल्ले आनी खंयचे ना खंयचे रूपांत नानालालांचेर तांचो प्रभाव पडिल्लो. पुण भारताचे पुर्बिल्ले संस्कृत आनी मध्य-युगांतले कवी आनी संत हांचेविशीय तांकां आदर आसलो. आपल्या मनाचीं जनेलां ताणी अुक्तीं दवल्लेलीं आनी अुदेंत आनी अस्तमतेचें जें कितें बरें आसलें ताचो आसपाव ताणी आपल्या काव्यांत आनी नाटकांत केल्लो. नानालाल खासा सांगताले कि, मार्टीनोचें तत्वज्ञान आनी टेनिसनचें ' द प्रिन्सेस ' हातूंतल्या विचारांनी ते प्रभावित जाल्ले. पुण मुखेल गजाल ही कि, ताणी पुर्विल्ली भारतीय संस्कृती आनी जीवनमुल्यां हांचेकडेन मेळ जुळपी अशाच गजालींचो स्वीकार केल्लो.

समन्वयाचें पडबिंब नानालालांच्या बरपांतूच दिसता अशें ना तर भारतां-तल्या पुनरुत्थान चळवळीच्या दुसर्‍या भागांत सगळें वातावरणूच हे स्फूर्तीन भारून गेल्लें. ' भारतीय पुनरजागरणाची चळवळ जसजशी मुखार वचूंक लागली तेन्ना समजून आयलें कि, ही फक्त विदेशी विचारांची देण न्हय तर भारतांतले पुर्विल्ले संस्कृतीचें पुनरजीवन आनी पुनरुत्थान करपाचोय हो विचार. सर विल्यम जॉन्स आनी रायडर, गेटे आनी मॅक्स म्यूल्लर हाणी भारताचें समृद्ध दायज समजून घेवन तोखेलें; अस्तमतेच्या लोकांखातीर ताची बिस्कटावणी केली आनी भारतीय मनीस आदलेवरीच आपणाले अुजळ दायजाची स्फूर्त घेवन परत तितलीच अुंचाय गाठूंक शकता असो आत्मविस्वास भारतीयांमदीं ताणी जागयलो. आमी ताका अस्तंतेची मोलादीक देण मानतात; ती देण म्हळ्यार आपलेंच अुदेंतेच्या व्यक्ति-मत्वाचें अेक आंग आनी हाची जाण कांय काळ आमी विसरून गेले हें भारतीयांक कळून आयलें.' ( वी. के. गोकाक : लिटरेचर्स इन मोडर्न इंडियन लॅंग्वेजीस. )

आपलो बापूय दलपतराम हांचेकडल्यान लाबिल्ल्या दायजाचो अुल्लेख नानालालानी केला आनी तांच्या स्वामीनारायण पंथांतल्या नैतिक आनी अध्या-



त्मिक तत्वगिन्यानाची ताका जोड मेळ्ळ्या. ' म्हजो विशाळ वैष्णव धर्म, म्हजो भक्तिमार्ग, म्हजो खर शुद्धतावाद आनी म्हजो आदर्शवाद ह्यो गजाली म्हाका बापायकडल्यान लाबिल्ल्या वैचारीक दायजाचेर आदारिल्ल्यो आसल्यो आनी ताका आमच्या स्वामीनारायण पंथाच्या धार्मिक तत्वप्रणालीचो आदार मेळ्ळो.' अशें नानालालानी बरोवन दवल्लां. महाविद्यालयांत आसतना नानालालानी अस्तेंत तत्वगिन्यानाचो विचार केल्लो आनी जिवितभर तांचो अुपनिषदां, महाभारत, रामायण, भागवतपुराण आनी भगवद्‌गीतेचो अभ्यास चालूच आशिल्लो. जिविता-विशींची तत्वदृष्टी घडपाक ह्या अुदेंत आनी अस्तेंत विचारांची तांका मदत जाली. तांच्या जिविताच्या मूल्याविशींच्यो कल्पना तातूंतल्या नैतिक आनी आत्मिक आदर्शवादाचे नदरेंतल्यान पळयल्यार त्यो पुर्विल्ल्या अभिजात साहित्यांतल्या सारक्योच आशिल्ल्यो म्हणपाचें दिसता. मात तांच्या काव्यांतले आनी नाटकांतले मुल्यांचे आविष्कार चड करून अद्‌भूतपुराय आनी स्फूर्तीदिणे आनी केन्ना केन्ना कल्पनारंगीच थरताले.

नानालालांचें खाशेलें अशें तर्काचेर आटापिल्लें जीवनाचें तत्वगिन्यान आसलें तरी ते ' तत्वगिन्यानी ' नासले आनी तांच्या बरपांत खर बुद्धीवाद आनी विचारांचो भार आसून लेगीत तांकां खर्‍यानिशी तत्वविचारक म्हणूंक जायचें ना. तांचे मोलादीकपण हें कि, ताणी कवितांत आपले विचार कवितेच्या रूपांतल्यानच मांडले. ते मुदलचे कवीच. तांच्या गद्य आनी काव्य–रचनांत परत परत येवपी विचार अशे: 'मोग' पुण अतिताय करून नांव अिबाडपी असो न्हय; ' मोगाचें लग्न,' पुण तें हालींच्या काळांत दशेक पाविल्लें मोगाचें विडंबन न्हय; ' दादलो बायल हांचेमदले संबंद,' पुण ते समतेचेर आनी अेकामेकांचो आदर सांबाळपाचेर आदारिल्ले अेखादच्या व्हड सामाजिक आनी मनीसकायेच्या आदर्शाविशींची समर्पणाची वृत्ती; सोबिताय आनी सत्य ह्या तत्वांवयली भक्ती; आनी अेका नव्या स्वरूपांतल्या विश्वाचें दर्शन.

आर्थर ओ शाव्नोसेनी ह्या अिंग्लीश कवीन म्हणिल्लेंप्रमाण कवी हे ' स्वप्नांचे दृष्टे आनी संगीताचे निर्माते ' आसतात. तांच्या सपनांत आनी संगीतांत निर्मणेची आनी विनाशाची अमर्याद शक्त आसता. ताच्या आदारान ते पोरणे, गरजेभायलें आनी वायट ना नपयत करतात आनी कितेंतरी सुंदर आनी सत्य अशें निर्माण करतात. नानालालांनी अेकेकडेन आपणाक सपनां विकपी लेखला आनी मुखार प्रश्न केला : ' सपनां जर विकेक आयलीं जाल्यार तुमी खंयचीं घेतले ?' ताणी ' इंदुकुमारां'त आपणाली प्रेमस्वप्नांची कल्पना बिस्कटावन सांगली आनी नाटकाच्या रूपान व्यक्त केली. ' जया–जयंत ' हातूंत शारीरिक मीलन हें अंतिम ध्येय न्हय तर आत्म्या आत्म्याचो संमेळ जावपी मोगाच्या लग्नाचें सपन अशें

विचार ताणी प्रेक्षकांमुखार मांडले. ' जहाँगीर–नूरजहाँ ' हातूंत संगमरवर फातरांत कोरांतिल्ल्यावरी आपल्या मोगाचें सपन ताणी निर्माण केलें. ' शहंशहा अकबर ' हातूंत ताणी धर्मासंबंदी सहिष्णुता वादाचें स्वप्न दाखोवपाखातीर सांस्कृतिक समन्वयाचो अुत्कृष्ट असो अितिहासिक नमुनो म्हण सर्वमान्य अशा पुरुषाचें चित्र रंगयलें. आपल्या ' गोपिकां 'त ताणी अशा अेका गांवाचें सपन अुबें केलें कि, जातूंत शारांतल्यो बऱ्यो गजाली आसतल्यो आनी अशा एका शाराचें चित्र रंगयलें जातूंत गांवातल्यो बऱ्यो गजाली आसतल्यो. आपणाल्या ' प्रेम–कुंजां 'त ताणी अशा मोगी जीवांची कथा गुंतली जे वरवीं जिविताच्या मंदिरांत मोगाची जोत अखंडीत परजळीत अुरची. ' संघमित्रा ' नाटकांत ताणी सगळया काळांत अुपयोगी पडूं येता असो बुद्धाचो संदेश आनी अशोकाचें ' धर्मचक्र ' हांचो आविष्कार घडयलो. आपल्या ' कुरुक्षेत्र ' ' सारथी ' आनी ' द्वारिकाप्रलय ' ह्या रचनांत धडेरेवयल्यान सगमिरेन पावता अशें अेक दर्शन अुतरायलें आनी निमाणे-कडेन ' हरिदर्शन ' आनी ' विष्णुविहार ' हातूंत ताणी खासा आपणाक जो सुखदिणो ईश्वरी साक्षात्कार जालो तो वर्णिला.

अिब्सेन आनी शॉ हे आपणालीं नाटकां रंगमाचयेर हाडून त्या काळावयले सामाजीक प्रश्न सुटावे करपाक वावुरताले. अशेतरेन सामाजीक आनी मानवी प्रश्न सोडोवपाचे बाबतींत नानालालांच्यो कांय कल्पना आसल्यो; पुण तांची नदर आनी तंत्र हातूंत फरक आसलो. नानालालांची नदर बुद्धी, तर्क वो वास्तव हांकां भिडपी नाशिल्ली तर ती तांचे कल्पनेंतल्या प्रेषित कवीभशेनूच अद्भूतपुराय, भावमय आनी आदर्शवादी आसली. तांच्या कवितांत आनी नाटकांत दादले बायलो मोगाच्यो गजाली करतात आनी तांची गुणवर्णना गायतात. नानालालांचे नदरेन मोग ही अेक पवित्र वस्त. त्याचप्रमाण मोग हीच लग्नाच्या मंदिराची बुनियाद. नानालालानी मोग, मोगाचें लग्न आनी दादले–बायल हांचे संबंद अद्भूत आनी आदर्श चितारल्यात. घडये त्या काळचे सामाजीक परिस्थितींत हें करप गरजेचें भासलां आसूंये. ( अेका समीक्षकान त्या युगाक सांस्कृतीक अपेशांचें वातावरण मानलां. ) त्या काळार विरोधी स्वरुपाच्या खोल रुजिल्ल्या कल्प-नांच्या आड प्रतिक्रिया म्हण अशें करप गरजेचें भासलां आसूंये. चड करून नानालालांनी अशें मुद्दामच थारायिल्लें आसूंये कि, ह्यो गजाली जशो आसपाक जाय तशोच दाखोवप योग्य. खरेपणी आसात म्हण त्यो तशाक तशो विकृत स्वरुपांत अभिव्यक्त करप तांकां योग्य दिसलें नासूंये.

नानालालानी अेके सुवातेर कवितेक सारंगीची अुपमा दिल्या आनी म्हळां कि, तातूंत सारंगीवरीच शंबर तारो आसात आनी तातूंतल्यो कितल्योश्योच तारो स्पर्श करीनासतना अुरतात तोच प्रकार कवितेचे बाबतींत घडटा. नाना-



लालांची कविता सगळचो तारो वाजोवंक शकल्यो ना पुण ताणी निर्माण केल्लें संगीत कितल्याश्याच काव्यरसिकांक भुलोवन वडोवपाक जैतिवंत जालें. नाना-लालांचें ' संगीत वाद्य ' हें एलीझाबेथ ब्राउनिंगच्या ' संगीत वाद्या 'परस वेगळचा थरावयलें आसलें, कारण ते ज्यो चिजो वाजयतात तांतल्या भौतेक चिजांतल्यो वेदना ताणी स्वत: अणभवूंक नासल्यो. नानालाल मानताले कि, कविता दु:ख वा वेदनेतल्यान निर्माण जायना जशे श्रृंगारीक कवी समजतात. पुण प्रशांत अशे आत्मिक खोशयेतल्यान ती वयर सरता जशेपरी थीर अुदकच थीर प्रतिबिंब दिवंक शकता. ह्या कारणाक लागुनूच नानालालांचे कवितेंत करुणा ना आनी तांच्या गीतांत शोकभावना दिसना. नानालाल हे नितळ आनंद आनी खोशयेचे कवी, जशे ताणी म्हळां, ' ह्या देशांत आनी सगळयाक मनशांची काळजांच थडीं जाल्यांत आनी दादले–बायलां सदांच तळमळे आनी दगदग काडटात. अशावेळार कवीची लागणूक–ह्या लोकांमदीं विस्वास, आस, अुमेद जागृत करप.'

तांगेली ही धारणा ताणी काव्याखातीर जे कस मानून घेतिल्ले तांचेर आदारीत आशिल्ली पुण तातूंत श्रृंगारीक कवितेची प्रतिक्रियाय आशिल्ली– जातूंत श्रृंगारीक पद्दत अेकेपरीन सामको गरजेचो भाग जाल्लो. ह्या पुरोगामी समजाक लागून ते मुस्तींतल्या श्रृंगारीक काव्यांत अेकेतरेची अद्भूतरम्य दु:खी सया पस-रिल्ली कारण अशी दु:खी सया हो ते कवितेचो घटकच जाल्लो. नर्मद कवीनी तर अशेतरेची ' दु:खी सया ' हें आपलें ' खाशेलेपण ' मानिल्लें. नरसिंहराव दिवे-टिया हाणी तर स्पश्टूच सांगिल्लें कि, ' ह्या संगीत वाद्याक ( आपणाक खासा ) खंतीचे सुरूच हेर कसल्याय प्रकारापरस चड आवडटात.' कविवर्य कांत हांच्या काव्यांत निर्शेवणी आसा आनी ती बरीच खोलायेक पावल्या. आनी कवी कलापी हाणी तर कवितेक सामकीच रडकुरी करून सोडल्या. नानालालानी श्रृंगारीक कवितेंतल्यान निर्शेवणी पयस काल्ली आनी आशा आनी खोस हांची गीतां गावन तोल सांबाळ्ळो. मेथ्यू अर्नोल्डच्या विचारांप्रमाण साहित्य म्हळचार जीणेची समीक्षा. नानालालूय तशेंच मानताले. नानालालांची ही जीवनसमीक्षा दु:ख; यातना आनी जीवनांतल्यो वायट घडणुको हांचेकडेन पुराय तरेन आडनदर करीना. तरीलेगीत दु:ख आनी यातना वैश्विक नदरेंतल्यान पळयल्यान शांत आनी थीर दिसता. आनी मागीर थंय फक्त यातनाविरयत अुजवाड तितलोच जाणवता. हाचीं अुदाहरणां तांगेल्या ' महासुदर्शन ' ' कुरुक्षेत्र ' आनी ' जया–जयंत ' मदल्या देवरुशींचे त्रिकाल दर्शन ह्या दर्शनांतल्यान मेळटात. हें वेगळेंपण मेथ्यू अर्नोल्डाक लेगीत आवडटलें आसलें. कारण मेथ्यू अर्नोल्डय अशें मानताले कि, सगळया बऱ्या साहित्यांत अुजवाड आनी माधुर्य हे गुण मुखेलपणान

आसतात. आनी नानालालांच्या साहित्यात हे दोनूय गुण खूब व्हड प्रमाणांत दिसतात. श्री. अुमाशंकर जोशी हाणी अशें म्हळां कि, गुजराती कवितेंतलो वसंतऋतु नानालालांपासून सुरू जालो तें ह्याच अर्थान आसूंये. नानालालानी जायत्या नश्टच्या रूपांचें खूब लागसून निरीक्षण केल्लें. ह्या वायट प्रवृत्तीचे प्रश्न तांच्या काव्यांत, नाटकांत आनी हेर रचनांत परत परत येतात. पुण वायट प्रवृत्तीन अुजू प्रवृत्तीचेर जैत जोडलें अशें ताणी केन्नाच दाखोवंक ना. असत आनी वायट प्रवृत्तींचो अखेरेक नाटयमय रितीन मनबदल जाता आनी संस्कृतांतल्या आनी शेक्सपियरच्या नाटकांत दाखयिल्ल्यावरी तांकां अखेरेक अुजवाड दिसता. अर्थात ह्याखातीर नाटकी कसब दाखोवचें पडटा. पुण अखेरेक नानालालांचे कल्पनेप्रमाण सत्याक केंद्रस्थानार दवरून सगलें जायार पडटा. ' जाणकारांमदीं लोकांचें बुदवंतपण पर्डाबबीत जाल्लें आसत. कवी हे लोकांची स्फूर्त. आनी कांय आडवाद प्रसंगार जाणकार आनी कवी ह्या दोगांयचेंय कार्य अेकामेकांत भरसल्लें आसता ' नानालालांनी म्हणिल्लें. नानालालांचे वडिल दलपतराम हांचे ठांय बुदवंतपण आनी कविता हांचो मेळ जाल्लो. नानालाल आपूण ' पुराय खुलिल्ले दलपतराम ' अशें लेखताले. आनी तांचेठांय ह्यो दोनूय गजाली सभाविकपणान, बारीकसाणेन आनी काव्यमय रितीन अुतरिल्ल्यो. आपणाल्या वडिलाबरीच नानालाल आपणाक अुक्तेपणी बोधवादी अशें म्हणून घेताले. पुण दलपतराम कवींची कविता ही मातयेकडेन नातें सांगताली जाल्यार नानालालांचे कवितेंत अद्‌भूतपुराय कल्पनाशक्तीची सुमाराभायली तांक आसली. नानालालांच्या कल्पनांचें भांडार मर्यादीत आसलें तरी ते जे अुमेदीन त्यो वापरताले तें पळयतकूच त्यो कल्पना म्हळ्यार खणखणीत बंदे रुपया कशेच वाजताले. नानालालांच्या साहित्याची वळख नाशिल्लो कोणूय मनीस लेगीत अेखाद्र्या लग्नसुवाळ्या वेळार नानालालांनी केल्ली लग्नाची व्याख्या सांगून म्हणटालो, ' लग्न म्हळ्यार दिव्यत्व जोडप ' आनी ही म्हणणी आयकुपी जरी खरेलो जाणकार तरी ताका हातूंत कांय अजाप दिसचेंना.

नानालालांचो दृष्टीकोण अेखाद्या वास्तववादयावरी शुष्क, थंड, बौद्धीक आनी तार्कीक नासलो, तर खऱ्या कवीमदीं आसूंक जाय असोच म्हळ्यार भाव-मंथन करपी आनी आदर्शवादी आसलो. तांच्या ' विश्वगीता 'त भगवान पतंजली म्हणटात, ' जंय बुद्धीची निसण पावूंक शकना थंय दृष्टयाची नदर पावता. संवसारांत जायते बुद्धीवादी जावन गेल्यात. आतां दृष्टयांच्या ' दर्शना 'ची गरज आसा. नानालालांच्या बऱ्याच रचनांत दर्शन आनी दृष्टे कवी दिसतात. नाना-लालांक 'कलेखातीर कला' हें केन्नाच मान्य नासलें. काव्य आनी नीत, काव्य आनी तत्वदर्शन ह्यो जोडयो तांचे नदरेन सासणाच्यो जुळिल्ल्यो. तांच्या साहित्यांत अद्‌भूत



भोग आनी लग्नाच्या कल्पनेंतली, जीणेतली पवित्रताय, चलणुकेंतले अुजूपण आनी आपखोशयेन आपणायिल्ली नितीचीं बंधना आसपाविल्ली. कवी म्हळ्यार प्रेषीत आनी अुपदेशक अशी भव्य कल्पना आपणायिल्ले नानालाल प्रेषिताचे आनी अुपदेशकाचेच भूमिकेंतल्यान लोकांक संदेश दीत रावले. कला आनी जीवनांत ते शुद्ध आसले आनी आपल्या सांगाताच्या कवींक ते सांगताले– कवितेक शुद्ध दवरात; नाजाल्यार तिका आफडुंकूच नाकात.

नानालालानी आपलें काव्य ' शुद्ध ' राखलें. ताणी जे विचार मांडले, ज्यो भावना आनी अनुभूती चितरायल्यो, ज्या आदर्शांचो पुरस्कार केलो, ते सगळे नितळ निवळ आनी नितिमत्तेक पोसवण दिवपी आसले आनी तेचबरोबर काव्याचे नदरेन ते ओडलायणे आसले. पुण नानालालांच्यो कांय मर्यादा आसल्यो. तांची शक्तीच केन्ना केन्ना तांचे दुबळेपण थल्लां. तांच्यातलो काव्यफुलर कांयवेळार अुतरांचीं नश्टी अुधळण जाल्या. भव्यता चितारताना भव्य शैली ताणी वापरली खरी पुण तीच शैली ल्हान–व्हड रचनांकूय लागू केली आनी अेकूच रुळिल्ली लकब सांपडिल्ल्यान तांच्या टिकाकारांक तांचेर टिकेची झोड अुठोवपाक बऱ्याक पडलें. अुंचेल्यो प्रतिमा आनी कल्पना विलास हीं तांची बळिश्ट अंगां पुण जायते-फावट त्या अळंकारांनूच तांची कविता जड जाल्ल्याचें दिसता. शैलीचे नदरेन पळयल्यार तांची कविता तांकां ' On honey-dew was fed ' ( मधु–मधुर दंवबिंदू पिवन वाडला ) अशे पंक्तीक वसयता जाल्यार दुसरे वटेन ते अशेतरेचे मिठायवाले दिसता, जाची मिठाय अती गोड जाल्ल्यान खाव नजो. साहित्य-प्रकारांचेर चड करून नाटक, महाकाव्य, नवलकथा आनी काणयो हांचेर तांची घट बरी पकड नाशिल्ली. तातूंत तांचे पाल्हाळीकपण नदरेंत भरता. तातूंत परत्यो परत्यो त्योच गजाली येतात, चड करून तांगेल्या अुपरांतच्या रचनांत अशें दिसता कि, लेखकाकडेन आनीक नवें कांय सांगपासारकें अुरूंक ना.

अितलें आसुनूय नानालालांची प्रतिभा तांगेल्या कांय वऱ्यांतल्या बऱ्या साहित्यांत नदरेक पडलेबगर कशीच अुरना. येतनाच ते अेक संदेश आनी दर्शन घेवन आयले. तो संदेश आनी दर्शन ' वसंतकाला 'चें. ' वसंता 'चो संदेश पावतो करपी, अितल्यापुरती जरी तांची वळख फुडाराक अुरिल्ली जाल्यार ताचेरून समाधान मानपाक ते राजी आसले. ' कविधर्म म्हणजे वसंतधर्म ' अशें नाना-लालानी म्हळां. पुण नानालालांचे ' वसंतधर्मा 'चे संकल्पनेंत वसंताकडेन संबंदीत आशिल्ल्यो सगळयोच गजाली आसपावताल्यो अशें न्हय. तांगेलो ' वसंत ' हो फक्त ' नवनिर्मणी ', ' पुनरजागृताय ' हांचोच प्रतिनिधी आसलो. ताणी आपल्या बरोबर आशा आनी खोस हांचो संदेश हाडलो आनी परलोकिकाचो सोद घेवपी नदर. नानालाल म्हळ्यार निखटें अेक कवीनाम न्हय तर गुजराती काव्याचो तो

अेक नवो हुंकार. ते जिवितांतले खोशयेचें गायन करताले पुण तांगेल्या आनंदवादी दर्शनांन भोगवादाक सुवात ना. तांगेल्या मोग आनी लग्नाच्या आदर्शांत कसलींय फटींगपणा नासलीं. तांगेली काव्य कल्पना अुंचेल्या थराची आशिल्ल्यान ती केन्ना केन्ना अुदात्त तेंगशेर पावताली. म्होंवाळपण आनी सोबिताय हांच्या मेळावणान तांची भाशाशैली अेकजीव जाल्ली. गुजराती भाशेंतल्यो बारीकसाणी आनी सोबीत थळां ताणी दाखयलीं. केन्ना केन्ना तांगेल्यो धाडसी कल्पना वाचून, वाचपी अजापभरीत जातात. ताणी काव्यांत आनी नाटकांत व्यक्त केल्ल्यो भावना आनी अनुभूती खूब प्रामाणिक थरतात. तांचो दृष्टीकोण जितलो ताजो आनी निजी आसलो कि, रचनेवयलें तांचें नांव वाचिनासतना लेगीत ती तांगेली रचना म्हूण पारखूं येताली.

नानालालानी काव्य आनी गद्य ह्या दोनूय प्रकारांत लेखन केलां. विपुल प्रमाणात बरोवपी आनी व्हड व्हड साहित्य रचना करपी नानालाल आपल्या रचनांचें शादूर रावन संशोधन करताले. तांगेलीं ९० वयर पुस्तकां अुजवाडाक आयल्यांत आनी मर्णाअुपरांत आनीकूय पुस्तकां अुजवाडाक येवपाचीं आसात. अितल्या चड प्रमाणांत बरोवपी लेखकाच्यो सगळयोच रचना अेक-सारक्यो दर्जेदार अुतरूंक शकनात हें खरें; तरीलेगीत तांगेल्या बरपांतल्यो ज्यो रचना अुजव्यो थरल्यात तांका गुजराती साहित्यांत तुळा ना. ते अेक असाधारण प्रतिभेचे कवी म्हणपाचें तांगेले ' वसंतोत्सव ' कवितेवयल्यान स्पश्ट जाल्लें. तांगेले 'उषा' नवलिकेन तरनाटया वाचप्यांक पिशें लाविल्लें. घरांतल्या सुमार सगळयाच दादल्या बायलांक तांचीं रास आनी गीतां तोंडपाठ जाल्लीं. तांगेली ' पंखडी ' ही कथा ललितगद्याची अेक अप्रूप देख. तांगेले 'सारथी' नवलकथेंत अेक विराट विश्वदृष्टी दाखयिल्ली आनी भारतीय नेतृत्वांत, विश्वाच्या पुनर-जीवनाची कल्पना मांडिल्ली. 'कवीश्वर दलपतराम' ह्या चरित्रांत ताणी बापायचें शब्दचित्र अुबें केल्लें आनी तेचबरोबर त्या काळांतले गुजरातचेंय चित्र रेखाटिल्लें. 'इंदुकुमार' आनी ' जया-जयंत ' ह्या दोन नाटकांत तांकां जें जें नाटयरूपान दाखोवपाचें आसलें तें तें भौतेक सगळें ताणी दाखयलां. मोगल राजवटीचेर आटापिल्लीं तांगेलीं दोन नाटकां तांगेल्या अितिहासिक कल्पनांची गवाय जाल्यार ' कुरूक्षेत्र ' तांगेले विश्व-दृष्टीची साक्ष.

नानालालांनी कवितेचे सगळे प्रकार वापरल्यात. गेय, नाटय आनी महाकाव्य हे विशय ताणी हाताळ्ळे; पुण मुदलचे ते गीतकार. तांगेली बऱ्यांतली बरी अभिव्यक्ती ल्हान गीतां आनी गीतकाव्यांतल्यान बरेतरेन प्रकट जाल्या. ते जरी म्हणटाले कि, आपणाक गावपाक येना आनी नाटकय करपाक जमना, तरीलेगीत तांगेल्या सगळया रचनांनी शिंपडिल्लीं गीतां जेन्ना अुंचेले पतीचीं आसात तेन्ना



अुतरांच्या म्होंवाळ स्वरांचो तो मेळूच थरता. विचार, भाव आनी कल्पनाशक्त हांकां ते अद्भूतरितीन अभिव्यक्त करतात. कांय भक्तिगीतांनी तांची काव्यदृष्टी अुदात्त अुंचायेचेर पावता. गुजरातचो ' गीतसम्राट ' अशी नानालालांक नामना लाविल्ली जशी अिंग्लंडात शेली हांकां ताच्या काळांत नामना मेळिल्ली. वेनामचो सिद्धांत साहित्याक लावन ' चडानचड लोकांक चडानचड समाधान ' हो कवितेचो मानदंड थारावप समा न्हय. तरी लेगीत नानालालानी कवितेच्या चडानचड रसिकांक कवितेचो आनंद दिलो. पुण फक्त आनंद दिवप होच तांचे कवितेचो अुद्देश नासलो. तांचे आदर्श कवितेचे संकल्पनेंत अुपदेशक आनी प्रेषक हांच्यो भूमिका आस्पावल्ल्यो. ताका लागून ' जनतेचे घाये भरून काडप आनी पालोवंक आयिल्ले चेतनेचेर जीवनदायी अुदकाचो शिंवर करप ' हें तांगेल्या साहित्याचें प्रयोजन थरिल्लें. देखूनूच कवीधर्म म्हणून वसंताचो आनी नवप्रबोधनाचो संदेश पसरावप हें तांचे जिवितकार्य जाल्लें. आनी तेच म्हणटाले, कोगूळ जर मोठयान आनी मेकळया ताळयान गावपाक लागली जाल्यार लोक खोशयेन तेवटेन लक्ष दितलेच. आनी, लोकांनी तांचेकडेन ओडीन आनी आदरान लक्ष दिलें हातूंत मात्तूय दुबाव ना.

अर्दें शतकभर अखंडीतपणान कवितेची निश्ठेन सेवा केल्याअुपरान्त नानालाल पिरायेच्या ६९ व्या वर्सा ह्या संवसाराक अंतरले. अितक्या व्हड प्रमाणांत रचना करपी कवीच्या काव्यभंडारांत कसदार धान सांपडटा तेचपरी पॉलूय सांपडप सभावीक. तो वानर आजूनय जावपाचो अुल्ला. नानालालांच्या काव्यांत शृंगारीक गीतकाव्य आनी नैतीक आदर्शवाद घडये अुंचेले तेंगशेर पाविल्लो आसूंक जाय. तांगेली निमणी रचना येवचे पयलींच गुजराती काव्याची धाटणी आनी रंग बदल-पाक आरंभ जाल्लो. काव्यान सहजसुलभ शैली, सरळ अभिव्यक्ती, स्पश्ट वैचा-रीक आशय आपणायिल्लो. काव्यांतली अद्भूतरम्य तरा अुणी जायत वताली आनी ते बदलीं चडानचड प्रमाणांत गरिबांची, दुर्बळांची आनी अडचल्ल्यांची गाराणी आनी दुःखां प्रभावीपणान व्यक्त करपी वास्तववाद मूळ धरूंक लागिल्लो. पुण सामाजिक, आर्थिक आनी राजनितीक मळावयल्या लोकांचे हावेस आजून आदर्शवादांत गुरफटून पडिल्ले. ह्या सगळया परिवर्तनाच्या काळांत नानालाल आपणालें निजी काव्य गायत रावले. काळ कोणाक सोडीना, तसो तो कवीकूय भोगशीना. काव्याची रूचीय फॅशनीवरी बदलत आसता. ' म्हूज्या बापायच्या महालाक जायतीं दालनां आसात.' तेचवरी कवितेच्या महालाकूय जायतीं दालनां आसतात आनी तातूंतलें अेक दालन म्हळयार नानालाल. ते मनीस, सैंम आनी ईश्वर हांचे गायक कवी आसले. ते मोग, सोबिताय आनी सत हांचे साधक आसले. आनी हें सगळें तांगेल्या काव्याचे रचनेंत पळोवपाक मेळटा. ' मनशाची

अुडी ताचो हात पावता ताचेपरस अदीक आसपाक जाय' अशें ब्राविनिंग म्हणटा. ते धरपाक गेल्ले त्यो सगळयोच गजाली नानालालांच्या हाताक लागल्यो अशें न्हय. पुण जें तांच्या हाताक लागलें ताचेवरवीं ते म्हान कवी म्हण नामना जोडूंक पावले. नानालाल कविता शैलीचे बाबतींत श्रृंगारीक, बुन्यादी जीवनदृष्टींत क्लासीक, अुपदेशवादांत मध्ययुगीन आनी साहित्यप्रकार आनी शैली हांच्या संदर्भांत आधुनिक थरता. अशें आसुनूय ते निखटें मिश्रण अुरनासतना सर्वंय आंगांनी अेकजीव आनी समरस जाता आनी तिचेर कवीच्या खाशेल्या व्यक्तिमत्वाची छाप पडिल्ल्यान सहजतायेन म्हणूं येता ' आरे, हे तर नानालाल !'

नानालाल हे शैलीकार आसले. आनी तांचे बाबतींत ' शैली वयल्यान व्यक्ती पारखूं येता ' ही म्हणणी जित्रूप खरी अुतरता. अस्तंतेच्या प्रवाहाविशीं तांचें मन जरी अुक्तें आसलें 'तरी भारतीय कविता आनी अितिहास हांका जिवितांत हाडप.' ह्या कार्यांत ताणी आपणांक बांदून घेतिल्ले. तांगेलें भावकाव्य, नाट्यकाव्य आनी महाकाव्य हातूंतल्या कवितेच्यो शिमो खुबूच सदळ आसल्यो आनी तांचे बरपावळीचीं कुसां हालोवन जर तीं योग्य कोनांत बसयलीं जाल्यार ते तांच्या खाशेल्या गेय शैलींतलें काव्य म्हण सहजतायेन खपून वतलें. तांच्या अेका नांवाजल्या गीताची आरंभाची वळ अशी– ' हे प्रभु, तुज्या नकसूद हातांनी तूं धंय घुसळ.' हेंच तांचेविशीं, काव्यकलेविशीं आनी तंत्राविशीं म्हणूं येता. तांचो हात केन्नाच जड नासलो. तांगेल्यो कांय सुपुल्ल्यो ल्हान कविता म्हळ्यार ' मळबांत अुफेवपी बर्फाचो कापूस वो रेशमी तंतूच ' आनी त्यो अितल्यो नकसूद कि, तांका ल्हवपीकपणीच धरचें पडटा. तांचीं कांय गीतां फक्त तातूंतले गोडयेक लागून तोंडांत सहजतायेन विरगळून वता. आनी गीत सोपल्याअुपरांतूय ताचें संगीत कानांनं सादत रावता. तांगेल्या कांय भजनांत तांची निजी आनी खोल अनुभूती दिसून येता आनी तांची परलौकीक नदर अुंचेले अुदात्ततेकडेन पावता.

१९३५ त अुजवाडायिल्ल्या आपणाल्या तिसऱ्या संग्रहाचे प्रस्तावनेंत नानालालानी दाखोवन दिलां कि, आपलो पयलोच काव्यसंग्रह समीक्षकांचे टिकेक आनी वाचप्यांचे रूचीक कसो कसो अुतल्लो, आपल्या दुसऱ्या संग्रहाक आदल्यापरस कसो अदीक येवकार मेळ्ळो आनी तिसऱ्या संग्रहाचे अुजवाडणे वेळार तर तांका सामकी खात्री आशिल्ली– ' गुजरातेंत चुकूनच अेखाद्रो शिकिल्लो दादलो वो बायल आसतली जिणे म्हजी नवी श्रृंगारीक कविता वाचलीना जायत आनी तिच्यांतलो आनंद घेतलोना जायत.' कवी सदांच आपल्या रचनांचे बरे समीक्षक वो अुजू मेजमाप करपी आसताच अशें ना; तरीलेगीत नानालालांचें स्वत:विशीचें परीक्षण बरोबर आशिल्लें हें दाखोवन दिवपी खूब गवाय आसा. सामके खर पुराणमतवादी अशे समीक्षक जाणी नानालालांच्या ' कांय कविता ' ह्या



संग्रहाच्या पयल्या भागावेळार अुपरोधिकपणान कोटी केल्ली : ' हां, तातूंतय ' कांय कविता आसात खऱ्यो ' पुण ताणीय अखेरेक मानून घेतलें कि, तातूंत खुबश्यो कविता आसात.'

पुण फक्त ल्हान कविता बरोवन नानालालांचें समाधान जायनासलें. ताणी असल्या काव्याची तुळा ल्हान भुरगीं चलपाक संवकळ करताना पयलीं वांकडीं तिकडीं पावलां वडयता ते गजालीकडेन केल्या. ह्या ल्हान काव्यांतूच नानालालांक ताणीच म्हणिल्ल्या प्रमाण ' काव्यनाट्य ' रचपाची सुलूस लाबली. आनी तें खरेंय आसलें. पुण मोग, लग्न आनी जीण ह्या संबंदीच्यो तांच्यो कल्पना आनी विचार नाट्यरूपान दाखयताना तांची नदर खूब व्यापक दिसता. तांचे काव्यमय प्रतिभेची उडी बरीच पयस पाविल्ली दिसता. नानालालांचीं गीतां म्हळ्यार कवितेचें म्होवाळ अशें प्रगटीकरण. कारण तातूंत 'संगीत, चात्रें आनी भावना हीं अेकरूप जाल्लीं.' अशीं गीतां ताणी रचलीं आनी नाटकांतल्यान आनी 'कुरुक्षेत्र' सारक्या व्हड महाकाव्यांतल्यान तीं प्रकट जालीं. अखेरेक 'हरिसंहिता' हातूंत ' असो अेक दिव्य आनंद लाबलो ' कि ' प्रेमभक्ती ' हातूंत प्रेम आनी भक्ती हांचेमदीं जो फरक आशिल्लो तोय ना जालो.

नानालालानी १८९८ तल्यान बरोवपाक सुरवात केली, ताका आतां पाऊण शेंकड्यापरस अदीक काळ जावन गेला आनी १९४६ त तांकां मर्ण आयलें ताका आतां पाव शेंकडो जायत आयलो. १९७७ त तांची जल्मशताब्दी मनयता आसतना पुस्तकरूपान अुजवाडाक आयिल्ली तांगेली गद्य बरपावळ कुशीक काडली जाल्यारूय कवी आनी नाटककार म्हण तांचें मूल्यमापन आयचे घडयेक करूं येता. आतां नानालालांच्या साहित्यांत अजापभरीत मुळाव्यो कल्पना सोदपाच्यो वो सामाजीक वो मानवी प्रश्नांच्यो जापोय सोदीत बसपाची गरज ना. कथा–कादंबऱ्यांसयत तांचें सगळें गद्यसाहित्य जरी तांच्या अेखादया अुत्कट आनी गंभीर प्रकृतीच्या अभ्यासकाखातीर वेगळें काडून दवल्लें तरी ' इंदुकुमार ', ' जया–जयंत ', ' जहांगीर–नूरजहां ' आनी ' शहंशाह अकबर ' ह्या सारकीं तांचीं नाटकां, ' कुरुक्षेत्र ' हातूंतले चडानचड स अध्याय आनी तांचीं गीतां तशेंच रासगीतां हांचेसकट कितलेशेच खंड तयार जातीत. तांचें भावकाव्याचें भांडार नियाळ्यार नानालालांच्या रसीक वाचप्यांक अितलेंतरी दुबावा विरयत कळून येतलें कि, नानालाल हे खऱ्यानीशीं अेक म्हान कवी आसले.

परिशिष्ट – १

## नानालालांची ग्रंथरचना

| | पुस्तकाचें नांव | अुजवाडावणेचो काळ (पयली आवृत्ती) |
|---|---|---|
| १. | केटलांक काव्यो – १ | १९०३ |
| २. | राजसूत्रोनी काव्यत्रिपुटी | ५–११–१९०३ |
| ३. | वसंतोत्सव | १९०५ |
| ४. | केटलांक काव्यो – २ | १९०८ |
| ५. | इंदुकुमार – आंक १ | १९०९ |
| ६. | न्हाना न्हाना रास, – १ | १९१० |
| ७. | भगवद्‌गीता (अणकार) | १९१० |
| ८. | जया–जयंत | १९१४ |
| ९. | मेघदूत (अणकार) | १९१७ |
| १०. | उषा | १९१८ |
| ११. | चित्रदर्शनो | १९२१ |
| १२. | राजर्षी भरत | १९२२ |
| १३. | प्रेम–कुंज | १९२२ |
| १४. | प्रेमभक्ती भजनावली | १९२४ |
| १५. | साहित्यमंथन | १९२४ |
| १६. | वैष्णवी षोडश ग्रंथो (अणकार) | १९२५ |
| १७. | अमर पंथनो यात्राळु | १९२५ |
| १८. | शकुंतलानुं संभरणुं (अणकार) | १९२६ |
| १९. | कुरुक्षेत्र – १ | १९२६ |
| २०. | कुरुक्षेत्र – १२ | १९२७ |
| २१. | उद्‌बोधन | १९२७ |
| २२. | अर्धशताब्दीना अनुभव बोल | १९२७ |
| २३. | संसारमंथन | १९२७ |

| | पुस्तकाचें नांव | उजवाडावणेचो काळ |
|---|---|---|
| २४. | विश्वगीता | १९२७ |
| २५. | इंदुकुमार आंक – २ | १९२७ |
| २६. | न्हाना, न्हाना रास, – २ | १९२८ |
| २७. | गीतमंजरी – १ | १९२८ |
| २८. | जहांगीर नूरजहाँ | १९२८ |
| २९. | कुरुक्षेत्र – ४ | १९२८ |
| ३०. | कुरुक्षेत्र – ५ | १९२८ |
| ३१. | कुरुक्षेत्र – ११ | १९२९ |
| ३२. | कुरुक्षेत्र – २ | १९३० |
| ३३. | शहंशाह अकबर | १९३० |
| ३४. | पंखडियो | १९३० |
| ३५. | कुरुक्षेत्र–१० | १९३० |
| ३६. | संबोधन | १९३० |
| ३७. | दांपत्य स्तोत्र | १९३१ |
| ३८. | शिक्षापत्री ( अणकार ) | १९३१ |
| ३९. | बालकाव्यो | १९३१ |
| ४०. | उपनिषद्पंचक (अणकार) | १९३१ |
| ४१. | संघमित्रा | १९३१ |
| ४२. | प्रस्तावमाला | १९३२ |
| ४३. | इंदुकुमार आंक–३ | १९३२ |
| ४४. | कवीश्वर दलपतराम–१ | १९३३ |
| ४५. | ओज अने अगार | १९३३ |
| ४६. | जगत्कादंबरीओमां सरस्वतीचंद्र | १९३३ |
| ४७. | आपणां साक्षररत्नो–१ | १९३४ |
| ४८. | कवीश्वर दलपतराम–२ (अ) | १९३४ |
| ४९. | आपणां साक्षररत्नो–२ | १९३५ |
| ५०. | गोपिका | १९३५ |
| ५१. | केटलांक काव्यो–३ | १९३५ |
| ५२. | गुरुदक्षिणा | १९३५ |
| ५३. | पुण्यकांता | १९३७ |
| ५४. | स्नातिकपर्वणी शिक्षावली | १९३७ |
| ५५. | न्हाना न्हाना रास,–३ | १९३७ |



| | पुस्तकाचें नांव | उजवाडावणेचो काळ |
|---|---|---|
| ५६. | मणिमहोत्सवनां साहित्य बोल–१ | १९३७ |
| ५७. | मणिमहोत्सवनां साहित्य बोल–२ | १९३७ |
| ५८. | सारथी | १९३८ |
| ५९. | लोलिंगराज | १९३९ |
| ६०. | मुंबईमानो महोत्सव | १९३९ |
| ६१. | कुरुक्षेत्र – ८ | १९३९ |
| ६२. | मेहरामानना मोती | १९३९ |
| ६३. | कुरुक्षेत्र – ३ | १९४० |
| ६४. | कुरुक्षेत्र – ७ | १९४० |
| ६५. | कवीश्वर दलपतराम – २ (ब) | १९४० |
| ६६. | कर्णावती | १९४० |
| ६७. | सोहागण | १९४० |
| ६८. | कुरुक्षेत्र – ६ | १९४० |
| ६९. | कुरुक्षेत्र – ९ | १९४० |
| ७०. | कुरुक्षेत्र – महाप्रस्थान | १९४० |
| ७१. | कुरुक्षेत्र – प्रस्तावना | १९४० |
| ७२. | कवीश्वर दलपतराम–३ | १९४१ |
| ७३. | पणेतर | १९४१ |
| ७४. | हरिदर्शन | १९४१ |
| ७५. | वेणुविहार | १९४२ |
| ७६. | प्रज्ञाचक्षुना प्रज्ञाबिंदु | १९४३ |
| ७७. | जगत्प्रेरणा | १९४३ |
| ७८. | द्वारिकाप्रलय | १९४४ |
| ७९. | श्रीहर्षदेव | १९५२ |
| ८०. | अजित अणे अजिता | १९५२ |
| ८१. | अमरवेल | १९५४ |
| ८२. | सागरमंथन | उजवाडाक येवंक नाशिल्लीं |
| ८३. | गीतमंजिरी – २ | " |
| ८४. | केटलांक काव्यो – ४ | " |
| ८५. | रास – ४ | " |
| ८६. | महाकाव्य अभिनंदनोत्सव | " |
| ८७. | नव उपनिषदो | " |

| | पुस्तकांचें नांव | अुजवाडाक येवंक नाशिल्लीं |
|---|---|---|
| ८८. | चंद्र अणे चंद्रिका | ,, |
| ८९. | विचारणा – १ | ,, |
| ९०. | विचारणा – २ | ,, |
| ९१. | धर्ममंथन – १ | ,, |
| ९२. | धर्ममंथन – २ | ,, |
| ९३. | हरिसंहिता ना मंडलो | ,, |
| | बाकीचीं पुस्तकां | |
| ९४. | व्यवहारू गुजराती व्याकरण | ,, |
| ९५. | व्यवहारू अंग्रेजी व्याकरण | ,, |
| ९६. | गुजरातनो भूगोल – १ | ,, |
| ९७. | गुजरातनो भूगोल – २ | ,, |

## परिशिष्ट – २

## संदर्भ ग्रंथांची वळेरी


| | | |
|---|---|---|
| १. | दवे ईश्वरलाल | नानालालना भावनाप्रधान नाटको |
| २. | गोकाक व्ही. के. (संपा.) | लिटरेचर्स इन् मॉडर्न इन्डियन लँग्वेजिस |
| ३. | झवेरी कृ. मो. | माइलस्टोन्स इन् गुजराती लिटरेचर |
| ४. | झवेरी एम्. एम्. | नानालाल |
| ५. | काका कालेलकर | नारी गौरवोनो कवी |
| ६. | कोठारी रमणलाल | नानालालनो काव्यप्रपात |
| ७. | मेहता सी. सी. | कवीश्री नानालालनो नाटको |
| ८. | मुंशी क. मा. | गुजरात ऐंड इट्स लिटरेचर |
| ९. | पारिख बालचंद्र | १) नानालाल : पोएट लारिएट ऑफ मॉडर्न गुजरात<br>२) पेरेनियल फाउंट : लिरिक्स ऑफ अडोरेशन एंड लव<br>३) रसद्रष्टा कवीवर<br>४) रसगंधा |
| १०. | पारिख आर. सी. | कवीवरनी प्रतिभा अणे कुरूक्षेत्रनु महाकाव्य |
| ११. | पाठक आर. वी. (संपा.) | कवीश्री नानालाल स्मारक ग्रंथ |
| १२. | रावल ए. वी. | नानालाल मधुकोश |
| १३. | साहित्य अकादेमी (प्रकाशक) | कंटेम्पररी इंडियन लिटरेचर |
| १४. | संजना जे. ई. | स्टडीज इन् गुजराती लिटरेचर |
| १५. | सुंदरम | अर्वाचीन कविता |
| १६. | वैद्य. वी. के. (संपा.) | कवीश्री नानालाल जन्मसुवर्ण महोत्सव (कौमुदी विशेषांक) |
| १७. | वैद्य वी. के. | नानालाल कवीनी जीवन–दृष्टी |